जाग

वर्स ४६ : आंक ६ : फेब्रुवारी, २०२०

deccan

Fine Chemicals (India) Pvt. Ltd.

Deccan Fine Chemicals (I) Pvt.Ltd., Santa Monica Works, Corlim, Ilhas, Goa

जाग प्रकाशनाचें

जाग

म्हयनाळें

वर्स ४६ : आंक ६ : फेब्रुवारी, २०२०

मांडावळ...

०२ असंवेदनशिलताय, मुरवत आनी लाचारी ..... प्रकाश द. नायक

०६ भाशा धोरण आंखप सामकें गरजेचें ..... डॉ. पुष्पा पै

०८ गांधीजी संवसारीक प्रतीक कशें जालें? ..... संपदा कुंकळकार

१० कविते विशीं ..... माधव बोरकार

१२ नव्या दशमानाची डायरी : २ ..... नंदकुमार कामत

१४ खरेदीचें पथ (कथा) ..... दामोदर मावजो

१७ फाटीकणो, भावार्थाचो!!! (कथा) ..... ब्रॉन्डा मिनेझीस

१९ बोंबोयच्या मामाची पेट (कथा) ..... वॅली क्वॉड्रोस

२२ किजिलां आनी केस्तांवां ..... कृ. म. सुखठणकार

२६ 'ध वर्डस्': भौसाची अस्वस्थताय परगटावपी वास्वववादी कविता!'..... सखाराम शेणवी बोरकार

२८ कोंकणी कोश साहित्य: 'इंग्लीश-कोंकणी समानार्थी-विरुद्धार्थी शद्बकोश'हाच्या निमतान ..... सखाराम शेणवी बोरकार

३१ कविता: .....
परेश नरेंद्र कामत, मनोज नरेंद्र कामत, आर. रामनाथ, जयमाला ना. दणाईत, सु. म. तडकोड, अशोक भोंसलो.

भायले चित्र : कँडेल केसलर
भितल्लीं चित्रा : भरत जगताप

* संस्थापक संपादपी :
स. रवीन्द्र केळेकार
स. सुमंत केळेकार

* वैचारीक दायज :
स. माधवी सरदेसाय

* संपादपी :
आसावरी नायक

* पालवी संपादपी :
कृपाली नायक
एडना वाझ

* उजवाडावपी :
जयवंत भा. सरदेसाय
२०१-बी, सालदॅल अपार्टमॅन्टस्
रुअ द साउदादिश, पाजीफोंड,
मडगांव - गोंय ४०३ ६०१.

* छापपी :
इंप्रेशन्स, बी-२, 'अक्षर आर्केड',
गोंधळी गल्ली, बेळगांव ५९० ००२

* वेव्हाराचो नामो :
जाग म्हयनाळें
बिल्डींग ३, प्लॅट ३, - SE-3
मॉडेल स्टेटस, दोनापावल-तालिगांव मार्ग, गोंय
विद्यापिठा लागसार, ताळगांव-गोंय ४०३ ००४.
फोन: ९७३०८७१११८/ ७४४७२६८७२०

वर्सुकी पटी	: ४००/- रु.
विद्यार्थ्यां खातीर (फकत वर्सुकी)	: २००/- रु.
तीन वर्सांची पटी	: १,०००/- रु.
वाचप-घरां खातीर वर्सुकी पटी	: ५००/- रु.
जिवीत भराची वांगडी-पटी	: ४,०००/- रु.

पटी मनी ऑर्डरीन वा ड्राफटान धाडची.
ड्राफट Jaag Monthly च्या नांवाचो आसचो.

किरकोळ आंकाचें मोल : रु. ४०/-

असंवेदनशिलताय, मुरवत आनी लाचारी

प्रकाश द. नायक

गजाल काल पयरचीच. राजीव गांधी कला मंदीर, फोंडें हे संस्थेन आयोजीत केल्ली पयलीच विनोदी कोंकणी नाटकांची सर्त हालींच जाली. हे सर्तितली सगलीं नाटकां सादर जातकच ते सर्तिचो इनामां वाटपाचो सुवाळो मानादीक कला आनी संस्कृती मंत्री आनी राजीव गांधी कला मंदीराचे अध्यक्ष श्री. गोविंद गावडे हांचे हस्तुकी जालो. अजापाची गजाल म्हणल्यार इनामां वाटूटना जीं प्रशस्ती पत्रकां कलाकारांक वाटल्यात ती चक्क मराठी भाशेंत आशिल्लीं. गोंयची राजभास कोंकणी आनी मुळांत सर्त कोंकणी नाटकांची. अशे आसुनूय प्रशस्ती पत्रकां मात मराठींत. हीं प्रशस्ती पत्रकां कोण तयार केलीं हो प्रस्न ना. वा तीं मुद्दाम केली काय कितें होवूय प्रस्न ना. इतल्या सगल्या प्रक्रियेंतल्यान वतना हें कोणाच्याच लक्षांत येना हें खरें म्हणल्यार अजापाचें. हांगा निश्कर्श कितें काडूं येता जाल्यार हें सगलें जाणिव पूर्वकूच केलां आसतलें हातूंत मात्तूय दुबाव ना. कोणूय म्हणटलो, खंयचेय भाशेंतल्यान जायना प्रशस्ती पत्रकां दिली मरे आनी मजकूर कळ्ळो मरे! जालें. आतां कितें करतलो? सोडून दी.



ही गजाल इतल्यार सोंपना आनी म्हज्या सारकिल्ल्याक ती सोडून दिवपाकूय जायना. कारण - एक म्हणल्यार ही परंपरा जावं येता. फुडल्या वर्सा जेन्ना ही सर्त जातली तेन्ना 'पोरूं वर्सा आमी मराठींतल्यानूच दिल्यात मरे. अंदूंच कितें जालें?' वा आनीक कांय वर्सांनी 'आरे आमी इतलीं वर्सां अशींच दितात मरे प्रशस्ती पत्रकां' असो सूर कोणाय जाळवणदारा कडल्यान येवं येता. म्हणून आमी सादूर रावूंक जाय आसले ते रावलेनात. दुसरें, हें कळून लेगीत आमी हे विशीं जाळवणदारांक कोणूच जाब विचारिनात म्हणजे आमची आयज संवेदनशीलता सोंपल्या अशेंच म्हणचें लागतलें. तिसरो विचार म्हणल्यार आमी नाका थंय चड मुरवती जाल्यात काय कितें? आमदार वा मंत्र्यांच्या दबावा खाला येवन तांचे मुरवतीन वा तो आपणाक कितेंय म्हणटलो अशें चिंतून 'सोडून दी' असो सामुहीक विचार आमचे तकलेंत येता काय कितें? चवथें म्हणल्यार आमी दिसान दीस लाचार जावन सुण्या वरी जेश्ठां मुखार शेंपडी हालोवंक लागल्यात जाल्यार ताका 'लाचार' हें उतर सोबून दिसतलें. आतां प्रस्न येता तो ही 'लाचारी' सोंपोवपाक फुडाकार कोणें घेवपाचो आसलो? जाल्यार तीं नाटकां जांणी सादर केली त्या संस्थांनी वा ज्या कलाकारांक हीं प्रशस्ती पत्रकां फावो जालीं तांणी. पूण तशें कांयच जालेंना. सगल्यांनी मोटे उमेदीन आनी खोशयेन हीं प्रशस्ती पत्रकां घेतली आनी घरा वचून फास्क्यांनी घालून वणटी वणटींचेर हुमकळायली लेगीत. आमी खंयचे वटेन वतात आनी कशे तरेन असंवेदनशील जाल्यात ताचें हें जळजळीत उदाहरण. अशे तरेची असंवेदनशीलताय आयज आमच्या गोंयच्या समाजा मदीं चांटेपावलाक दिसपाक लागल्या हाचे दुःख धरपा इतले आमी (लेखक धरून) संवेदनशील आसात व्हय? आनी म्हजेच कवितेचो संदर्भ दिवन म्हणन दिसता..

पंचेद्रियां

दोळे..
तुमचे दोळे फुटल्यात!
तुमकां बरेंय दिसना
आनी
वायटूय

जीब..
तुमची जीब लुळेल्या!
तुमी

बरेंय उलयनात
आनी
वायटूय!

नाक..
तुमचें नाक चोंदलां!
तुमी
उस्वास घेनात
आनी
वासूय!

कान..
तुमचे कान भेरेल्यात!
तुमकां
बरेंय आयकूंक येना
आनी
वायटूय!

कात..
तुमची कात गेंड्याची!
तुमकां
घाल्ली फूंक जाणवना
आनी
चिमटोय!

...त्या गांधीचें चुकलेंच
तोंडार हात
कानार हात
दोव्व्यार हात

तांणी सांगिल्लें
वायट-उलोवंक नाका
आयकूंक नाका
पळोवंक नाका!

तुमी सगलेंच सोडलें!!

आयज
तुमचे संवेदनेचें मडें
मनांतले मसंडेंत
मसंड शांततायेचें
एकेक घर बांदता!



आमी चळवळींतल्यान आयिल्ले लोक. आमच्या तरनाट्यापणार रवीन्द्रबाब केळेकार, उदयबाब भेंब्रे, नागेशबाब करमली, पुंडलीकबाब नायक आनी व्हिक्टोरियाबाय फर्नांडिस हांच्या सयत साबार फुडाऱ्यांचे फळयेन तयार केल्ल्या वेगळ्या वेगळ्या चळवळींचे आमी गवाय.

गोंयचें वेगळें अस्तित्व राखून उरचें म्हूण १९६७ वर्सा जाल्ली जनमत कौलाची चळवळ ही गोंयच्या संवेदनशिलतायेचो श्रीगणेशा. हो श्रीगणेशा चिरपाच्या वेळार आमी ल्हान. हांव फकत पांच वर्सांचो. पूण आयजूय दिसता, आमी ते चळवळींत सहभागी जावपा इतले आसूंक जाय आसले. केन्ना केन्ना दिसता, आयच्या सारकी असंवेदनशिलताय, मुरवत आनी लाचारी तेन्नाच्या फुडाऱ्यां मदीं आशिल्ली जाल्यार कितें जावपाचें आमया गोंयचें? ते जर असंवेदनशील आशिल्ले जाल्यार आनी 'वचूं तें गोंय महाराष्ट्रांत' अशें म्हणून ते वगी बशिल्ले जाल्यार कितें जावपाचें ह्या गोंयचें? महाराष्ट्रांतल्यान आयिल्ल्या वेगळ्या वेगळ्या राजकी आनी समाजीक तशेंच लेखक आनी संगीतकारां मुखार मुरवतीन जर आमच्या फुडाऱ्यांनी माथें खरपिल्लें जाल्यार गोंयच्या आनी गोंयकारांच्या अस्तित्वाचें कितें जावपाचें? आयचे राजकी मळा वयले लोक जशे मतदारांक पांचशी पांचशी रुपयांच्या आमिशांनी लाचार करून वेंचणुको जिंकतात तशे जर तेन्नाच्या आमच्या फुडाऱ्यांनी आनी मतदारांनी केल्लें जाल्यार कितें जावपाचें ह्या गोंयचें? तशें जाल्लें जाल्यार गोंय वाटोवप कठीण आसलें. तेन्ना तें सहज शक्य आसलें. कारण गोंय, दमण आनी दीव ह्या संघप्रदेशाचेर जाची सत्ता आशिल्ली तो भाऊसाहेब बांदोडकार हांचो म.गो. पक्ष आनी महाराष्ट्राचेर सत्ता आशिल्लो कॉंग्रेस पक्ष हांणी जुळोवन घेवन आयच्या सारक्यो पयशांच्यो राशीं मतदारांच्या पांयांचेर ओतिल्ल्यो जाल्यार? पूण तेन्नाचे पक्ष, फुडारी आनी मतदार नैतिकतेचेर चलताले म्हूण आयचे सारकी लाचारी तेन्नाच्या ह्या लोकांक आफुडपाक पावलिना.

१९८०-८१ वर्सा आमी रवीन्द्रबाबांच्या फुडारपणा खाला 'खरे गोंयकार'ची चळवळ चलयली. ही गोंयची राजभास 'कोंकणी' करपाच्या चळवळीची नांदी आसली. मुखार हेच चळवळीचें रुपांतर रवीन्द्रबाबांच्या मार्गदर्शना खाला आनी पुंडलीकबाब नायक हांच्या निमंत्रक पदा खाला 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' हे विशाल चळवळींत जालें.

१९८५ त 'कोंकणी प्रजेचो आवाज' हे चळवळीचीं तीन मुखेल उद्दीश्टां आसलीं. एक - दिल्लीच्या वसाहतवादा खाला आशिल्लो संघप्रदेश न्हयकारून आमकां गोंय हें घटक राज्य करपाक जाय आसलें. दोन - गोंयची राजभास 'कोंकणी' करप आनी तीन - कोंकणीचो घटनेच्या आठव्या परिशिश्टांत आसपाव करप. दोन राष्ट्रीय थरा वयलीं कामां जाल्यार कोंकणीक राजभास करपाचें काम थळावे विधानसभेंत थारावपाचें. तेन्नाचे प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांचे कडेन गोंयाक घटक राज्याची मागणी करपाक कोंकणी लोकांचें शिश्टमंडळ गेलें तेन्ना गोंयाक घटक राज्याचो दर्जो दितलो जाल्यार तुमच्या प्रदेशाची आदीं राजभास थारायात. कारण भारताची राज्यां हीं त्या त्या प्रदेशाचे भाशेचेर घडल्यात. देखीक मराठी भाशीक लोकांचें राज्य महाराष्ट्र, कन्नड भाशीक लोकांचें राज्य कर्नाटक, गुजराथी भाशेचें राज्य गुजराथ आनी तशींच हेर राज्यां घडल्यात अशें प्रधानमंत्री राजीव गांधी हांणी स्पश्टपणान सांगलें.

ते उपरांत गोंय विधानसभेंत तेन्नाचे आमदार उदयबाब भेंब्रे, लुईझिनबाब फालेरो आनी मोंतबाब क्रूझ हांणी कोंकणी राजभाशेचें खासगी विधेयक हाडलें आनी तेन्नाचे मुखेलमंत्री प्रतापसिंग राणे हांणी ते विधेयक भायर उडयलें. तेन्ना ह्या तिगांय आमदारांनी विंधानसभेंतल्यान सभात्याग केलो. आनी हांगा सरल्यान कोंकणीक राजभास करपाचे चळवळीक आरंभ जालो. मुखार हें आंदोलन कोंकणीक राजभास करुनूच सोंपलें. ते खातीर आमी सगल्या आंदोलकांनी आपल्या जिवितांतले ५५५ दीस वगडायले. ह्या आंदोलनांत पुंडलीकबाब, उदयबाब, एन. शिवदास, दिलीपबाब बोरकार, भरतबाब नायक, अशोक भोसलो, हेमा नायक आनी बाब दत्ता श्री. नायक हे सक्रीय आसले. त्या भायर राजकी लोकांनीय ह्या आंदोलनाक तेंको दिल्लो. मोंत क्रूझ, डॉ. विल्फ्रेड डिसौझा, तोमाझीन कार्दोज, उदय भेंब्रे, लुईझिन फालेरो, फ्रांसिस सार्दिन, एदुआर्द फालेरो, दयानंद नार्वेकार, माम कादरेज, चर्चिल आलेमांव, मॉवीन गुदिन्हो, माथानी साल्ढान आनी हेरांनी तशेंच आमच्या सारक्या बारीक कोंकणी भाशाप्रेमीनी ह्या आंदोलनाक जें योगदान दिलां ताका तोड ना. कोंकणी मनीस संवेदनशील आसलो म्हणुनूच तांणी आपली नोकरी-वेवसाय, काम-धंदो, घर संवसार ह्या गजालींक ५५५ दीस जिविताच्या हुंबऱ्या भायर दवरून आंदोलन केलें. कांय जाणांनी मार खाल्लो, पांच स जाणांनी तर ह्या आंदोलनांत आपलो जीव लेगीत वगडायलो. त्या उपरांत गोंयचे कोंकणी भाशीक घटक राज्य जालें. आनी मुखार ह्या कोंकणी भाशीक राज्याची भास घटनेच्या आठव्या वळेरेंत पावली. आमी पुरायेन भारतीय नागरीक जाले. कोंकणी भास चलनाचेर दिसपाक लागली. हेर भारतीय भाशीक लोकांक ज्यो ज्यो सुविधा मेळटात त्यो त्यो सुविधा आमच्याय लोकांक मेळपाक लागल्यो. हें सगलें कोणें घडयलें जाल्यार तेन्नाच्या ह्या सगल्या तरणाट्यांनी. आनी हें सगलें घडलें तें गोंयां विशीं आशिल्ले संवेदनशिलताये खातीरूच न्हय? आनी आयच्या तरणाट्या मदीं ही संवेदनशिलताय कित्याक दिसना? आनी दिसलीय जाल्यार ती परिपूर्ण आंदोलनाच्या मार्गान कित्याक वचना? काय आयचो तरणाटो पुरायेन समादानी आसा?

आमच्या मदीं आयज कसलेच प्रस्न नात काय कितें? म्हणून तरणाटो समादानी आसा? बेरोजगारांचो प्रस्न, मायनींग प्रस्न, रेंवेचो प्रस्न, म्हारगायेचो प्रस्न, देशांतले देवते जी.डी.पी.चो प्रस्न, सी.ए.ए., एन.आर.सी., पी.एन.आर. हाचे वयल्यान देशभरांतलो विद्यार्थी रस्त्यार देवला ताचेर गंभीरतायेन विचार करपाचो प्रस्न, पर्यटनाचो प्रस्न, घुंवळी वखदांचो प्रस्न, टॅक्सी सारकिल्ल्या उद्देग धंद्यांचो प्रस्न, पर्यावरणाचो प्रस्न, कोयराचो प्रस्न, प्रदुशणाचो प्रस्न, खासा गोंययकारा खातीर तयार केल्ल्या उद्देगीक वसाहतींनी गोंयकारांक रोजगार मेळनासतना बिगर गोंयकारांचीं भरती जाता तो प्रस्न, पडींग शेताचो प्रस्न, बागायतींचो प्रस्न, दिसान दीस वाडपी अपघातांचो प्रस्न,

उदकाचो प्रस्न, भ्रश्टाचाराचो प्रस्न, रानवटी जनावरांचें संवर्धन करपाचो प्रस्न आनी सामको ज्वलंत प्रस्न म्हणल्यार कर्नाटकाच्या रुपान राक्षशी हावेस बाळगून म्हादय सयत आमकां सगल्यांक काबार करपाचो प्रस्न! अशे कितलेशेच प्रस्न आमच्या मुखार आसतना आमचो तरणाटो रस्त्यार कित्याक येना? जोवेर तरणाटो पेटून उठचोना तोवेर सरकारूय आपणाक जाय तेंच करतलें.

आयज सरकार आपणाच्या पक्षाक घेवन सी.ए.एच्या समर्थना खातीर व्हडल्या व्हडल्या रॅलींचे आयोजन करता. पूण कर्नाटक सरकार म्हादयचे उदय घुंवडावपा खातीर कळसा भंडुरा धरण बांदून हजारांनी वर्सांची म्हादय जलदायिनी आमचे कडल्यान काडून घेता तेन्ना सरकार आनी ताच्या पक्षावतीन म्हादयेच्या समर्थना खातीर एक्केय रॅलीचें आयोजन जायना आनी ते विशीं विचारपाचें धाडसूय एकाय गोंयच्या आवयच्या पुताक जायना ही असंवेदनशिलताय न्हय तर आनीक कितें? सरकार पक्षाचे आमी कितले गुलाम जाल्यात आनी सरकार पक्षा कडेन आमी आमचो स्वाभिमान कितलो मेरेन घाणाक दवरला तें सिद्ध करपाक कोणा न्यायाधिशाची गरज ना.

आमी म्हादय विशीं गंभीर आसात? जर आमच्या हातांतल्यान म्हादय गेली (गेल्ल्यांतूच जमा ती) जाल्यार

(अ) आमकां दर एकल्याक घरा भायर आंगणांत वा उक्त्या मळार पावसाचें उदक आडावपा खातीर मोटे मोटे खड्डे खणचे पडटले. राजस्थानांत जे तरेन खड्ड्यांनी प्लास्टीक घालून उदकाचें नियोजन करतात तशें करचें पडटलें. आतांच एप्रील मे म्हयन्यांत आमकां उदका खातीर तरशेवंचें लागता. मुखार म्हादये बगर कितें जातलें ताचो विचार कोणें करपाचो?

(आ) जे व्हडले व्हडले पूल बांदल्यात ते पयशे खावपा खातिरूच न्हय? जर म्हादय गेली जाल्यार ह्या पुलांचो कितें उपेग? पांच वर्सां भितर आमकां सुके सडसडीत जाल्ले म्हादयच्या पात्रांतल्यान गाडयो पलतडी व्हरूंक मेळटल्यो. तो दीस जितलो बेगीन येतलो तितलो बेगीन गोंयकार जागो जातलो.

ते म्हादयेकूच गाराणे घालून होरावंया. तिची प्रार्थना करुया आनी म्हणूया...

म्हादय

हे माये हे म्हादये
मंडोदरे सासाये

सैमसृश्टे काळीज खोलाये
व्हांवते शिरंतरे गात्राये

दोंगरपर्वते मळब उंचाये
स्वास उस्वासे हे प्राणवाये

जलरसाळे भांगरसाळे काये
शेत जमीन साये हे आवये

उलो तुका अस्मिताये
लक्तुबाये हे अपुरबाये

झरेवझरे तरशे पाणये
सुकते गोटे पोंल कणये

आमचे शीम मेरे वंये
दये माये हे प्रीय प्रिये

अंतरिचे हे दिव्यताये
कोण पिये हे न्हंये

पाशाण घण वज्र छातये
दी वरदान हे तांबशे मातये

खिणाच्या सुखा खातीर गोंयकारांच्यो मुखा वयल्यो पिळग्यांच्यो पिळग्यो काबार जातल्यो ताचे कडेन आयज कितलेशेच लोक आडनदर करपाक लागल्यात, तरणाट्यांनो, आतां तुमचो फुडार तुमच्या हातांत.

विधानसभेंत २१ आमदार वेंचून येनासतना जेन्ना हेर पक्षांतल्या लोकांक सत्ताधारी लोक आयात करतात तेन्ना एकाय तरणाट्याक हे अनैतिकते आड झगडपाचें बळगें कित्याक जायना? आमच्या तेन्नाच्या कोंकणी नेतृत्वान खरें म्हणल्यार आयच्या तरणाट्याक हे सगले प्रस्न सोडोवपाक नवी दिशा दाखोवंक जाय आसली. तेन्नाचें नेतृत्व जरी आयज जाणटें जाल्लें आसलें तरीय हो संवेदनशिलतायेचो कवदो मुखावेले पिळगे कडेन पावोवपाचो वावर ह्या जाणटेल्यांनी (कळाव जाल्लो आसलो तरीय) करपाक जाय, अशें म्हाका दिसता. एकाद्रे संस्थे कडेन आशिल्ली दिवली आमी दुसऱ्या वर्सा कशी मुखावेले संस्थे कडेन सुपूर्द करतां आनी ती सुपूर्द करता आसतना चार अणभवांचे बोल उलोवन दाखयतात तशें जावपाची खरें म्हणल्यार आयज गरज आसा. म्हालगड्यांनो, तुमी तयार केल्ल्या बागायतींत नवे कवाथे तुमचे वरींच माड जावपाक सोदतात. आदले फुडारी आयज खंयच कितेंच गोंयच्या प्रस्नां विशीं कित्याक बरयनात वा उलयनात तेवूय अधोरेखीत करपा सारकी गजाल! काय तेवूय बी सरकाराच्या वज्या खाला दबून मिंधे जाल्यात?

आयज चड करून तरणाट्यांनी सद्सद्विवेक बुद्दीक स्मरून हाचेर विचार करपाक जाय. नाजाल्यार मुखा वयले पिळगेचो फुडार काळखी आसा हातूंत दुबाव ना.

संपर्क: ८७९६८४३५६४

भाशा धोरण आंखप सामकें गरजेचें

डॉ. पुष्पा पै

भारत एक विशाळ देश आसा. तो हर तराचे विविधतायेन नटला. ही विविधताय वंश, धर्म, जात, भास आनी संस्कृती, सगल्या मळांचेर पळोवंक मेळ्टा. या देशांत १६५२ भासो उलोवपी लोक रावतात अशें १९६१ चो सेन्सस सांगता. तेन्ना राष्ट्रीय भासो म्हणून सरकारान २२ भाशांचो आसपाव केल्लो. आसामी, नेपाळी, बंगाली, उडिया (पूर्वेकडच्यो), पंजाबी, गुजराती, मराठी, सिंधी, (ह्यो पश्चिमे कडच्यो), कन्नड, तेलगू, तमीळ, मलयाळम, (दक्षिणे कडच्यो) कश्मिरी आनी उर्दू ह्यो उत्तरे कडच्यो) ह्यो जाल्यो चवदा राष्ट्र भासो (national), संस्कृत पारंपारीक भास आनी हिंदी आनी इंग्लीश ह्यो शासकीय (official) भासो, त्योच केंद्र आनी राज्यां मदल्यो संपर्क भासो जाल्यो. फुडें कांय वर्सांनी गोंय स्वतंत्र जातकच आनी कांय भाशांचो तातूंत आसपाव जालो त्यो भासो म्हणजे कोंकणी, मैथिली, डोगरी, मणीपुरी, बोडो, सांथाली. अशे तरेन आतां २३ भासो भारतीय गणतंत्र्यांत मान्यताय पावल्यात.



अभ्यासकांच्या मता प्रमाण भारतांत १५७६ मातृ भासो आसात, तातूंतल्यो ११४ आठव्या शेड्यूलांत आसात. ५८ भासो मातृभास म्हूण शाळेंत शिकयतात, ८५ भाशांचो शाळेच्या अभ्यास क्रमांत आस्पाव आसा. ४७ भासो शासकीय कार्यालायांत पळोवंक मेळटात, ८७ भाशांनी वर्तमानपत्रां छापप जाता आनी ९१ भाशांचो वापर रेडिओ आनी दूरदर्शनच्या कार्यक्रमांनी जातना दिसता. (हें सगळें १९७१च्या सेन्ससा प्रमाणे).

ही विविधताय हांगाच सोंप ना. भारतांत चार भाशा कुळांतल्यो भाशा आसात.

१. आर्य भाशा (उत्तर भारतांत उलयतात, मराठी सोडून ह्यो सगल्यो भासो विंध्य डोंगर राशीच्या उत्तरेक आसात. मराठी आनी कोंकणी विंध्याच्या पायथ्याकडेन भारताच्या पश्चीमी वाठार उलयतात)

२. द्राविड भासो (दक्षिणे कडेन आशिल्ल्यो कन्नड, तेलुगु, तामीळ, मलयाळम, तुळु, सांकेती आणी गोंडी भास बी) या गटांत मोडटात.

३. औस्ट्रोलोयड भासो मध्य भारताच्या जंगलांत मेळटात, (संथाली, कुवी, सओरा. खडिया, कोरकु, सहारिया बी) औस्ट्रोलोयड या गटांत मोडटात. त्या भायर आसामच्यो खासी आनी हो ह्योय भासो औस्ट्रोलोयडूच

४. टिबेटो-बर्मन भासो भाराताच्या पुर्वे कडच्या वाठारार उलयतात बोडो, गारो (मेघालयाची) कोक-बोरोक (त्रिपुराची), मेइतेइ (मणीपुराची), मीझो, लुशाई (मीझोरामची), आओ. नागा, रेंगमा, कोन्याक, अंगामी, बी नागालेंडच्यो भासो आसात. न्यीशी, आदी, मिश्मी यो भासो अरुणाचल प्रदेशच्यो भासो. आसामच्यो कांय भासो आनी मेघालयाच्यो हेर भासो टिबेटो-बर्मन भासो म्हूण मानतात. उत्तरेक हिमालयाच्या दोंगरांनी कांय टिबेटो-बर्मन भासो उलवपी लोक रावतात किन्नौरी, गढवाली, लद्दाखी जोन्खा बी भासो टिबेटो-बर्मन भासो म्हूण वळखतात.

या भासांचें सकयले प्रमाण वर्गीकरण करूंक येता...

द्राविडी भासो- तमीळ, तेलुगू, मलयाळम, कन्नड, तुळू, सांकेती, गोंडी आणी कांय दक्षिणेंत भासो आसात ज्यो उलवपी लोकांची संख्या लाखा वयर वता आनी तांची नोंद सेन्ससांत मेळटा.

पश्चीमी भासो- कोंकणी, मराठी गुजराती, सिंधी, पंजाबी. पश्चीमी हिंदी म्हणजे (राजस्थानी, छत्तीसगढी, बांगरू, बघेली, बुंदेलखंडी, ब्रज, हरयाणवी) ह्यो खरें तर स्वतंत्र भासो म्हणून धरूंक जाय कारण ह्यो भासो उलोवप्यांचीय संख्या लाखा वयर जाता. पूण तांणीच खडी बोली हिंदीक प्रमाण म्हणून मान्यताय दिल्या म्हणून तांका हिंदीची बोली मानतात

पुर्वे कडच्यो भासो: असामी, बांगला, उडिया, अवधी, भोजपुरी, मगही, मैथिली. आसामच्यो कांय भासो, अरुणाचल प्रदेशाच्यो भासो, नागालैंडच्यो भासो, मणीपूरची मेइतेइ, त्रिपुराची कोक-बोरोक, मेघालयची बोडो आनी गारो. हे भाशांनी अवधी, भोजपुरी, मगही, मैथिली बी हिंदीच्या खडी बोलीच्यो बोली भासो आसात.

मजा अशी की भासां मदीं इतली विविधताय आसुनूय भारताक एक लिंग्विस्टीक एरिआ म्हणटात. ताची दोन कारणां आसात. एक अशें आसा टिबेटो-बर्मन भासो सोडल्यार सगळ्या भासांचे मुळावें (core gramar) व्याकरण बरेंचशें एक सारकें आसा. म्हणजे व्याकरणांत आसपी नेमांचे मांडणेंत व्हडलोसो फरक ना. आनी दुसरें कारण अशें ज्यो दोन भासो समाजाच्या शिमेचेर लोक उलयतात त्यो दोनय भासो आपल्या आपल्या भासांनी एकमेकाची भास भरसून उलयतात, देखीक मरठींत हिंदी, गुजराथी, कन्नड भासो वापरताना दिसतात. ही उसनवारी फकत उतरांनीच दिसना तर वाक्यांच्या मांडणेंतय दिसता देखीक येउन राहिलोय, बघुन राहिलोय, कोंकणींचेरूय कन्नड, मल्याळम, तुळू भासांचो प्रभाव दिसता. बेळगांवच्या मराठींत तर हो (phenomenon) प्रकर्शान पळोवंक मेळटा. लिंग- वचन तशेंच कर्मणी प्रयोगाच्या संरचनांनीय मराठींत कन्नडा प्रमाणे वापर केल्लो दिसता. या unique

phenonmenonक लागून एक नवीच भास जल्मांक येता. अशीच देसीया नांवाची एक संपर्क भास तयार जाल्या जी हिंदी आनी मध्य प्रदेशांतल्या आदिवासी भाशांनी मेळून तयार जाल्या आनी ती इतली पोपुलर आसा कीं केंद्र सरकारान त्याच भाशेंत आदिवासी वस्तीच्या शाळांनी शिक्षण दिवचें अशें येवजिल्लें. पूण भाशा-तज्ञांनी तें मोडून काडलें.

नागालेंडांत णव भासो राज्य- भासो म्हण शासनान राज्य-कारभार खातीर मान्य केल्यात. पूण ह्या सगळ्यांची संपर्क भास नागामीज नांवाची एक नवी भास तयार जाल्या. हेच भाशेंत विधानसभेंतलो सगळो व्यवहार चलता. नागामीज ही असामी आनी नागाभासांची एक प्रकारची खिचडी भास आसा. सांगलींत एक गांव आसा थंय मराठी, थंयच्या मैर लोकांची संख्या समप्रमाणांत आसा. पुण शेजराच कन्नड उलोवपी आसात आनी काम धंद्याक ह्या गावांत येतात. ह्या लोकांच्या मदीं जो भाशा वेव्हार चलता ताणें एक नवीच भास जल्मांक आयल्या. हे भाशेक कोणें वेगळें नांव दिवंक ना पूण गुंपर्ज नांवाच्या एक समाज भाशातज्ञान ते भाशेचो जेन्ना अभ्यास केल्लो तो सामको अजाप जाल्लो.

युरोपांतय अशे बरेच देश लागी लागी आसात, आनी शिमेचेर भाशांची देवाण घेवाण जाता पूण गुंपर्जान अशे तरेन तयार जाल्ली नवी भास पयले फावट पळयल्ली. ताचें उपरांत ताणें बरीच वर्सां भारतांत संशोधन केलें भारताक कित्याक लिंग्विस्टीक एरिआ म्हणटात हें समजून घेवपचो यत्न केलो. भारतांत सुशिक्षीत लोकांची संपर्क भास इंग्लीश आसा. पूण तांची टक्केवारी फक्त १० टक्के आसा. हेर सगळ्यांची संपर्क भास हिंदीच आसा. ह्या संपर्क भाशेची वेगळीं वेगळीं रुपां पळोवंक मेळटात. उत्तरे कडची संपर्क हिंदी, पूर्वे कडची आनी दक्षिणे कडची हिंदी वेगळें-वेगळें रूप घेवन विकास पावल्यात.

ह्या भौभाशीक देशांत भौभाशीक लोक रावतात. तो जायत्यो भासो उलयता सगळ्यांक दोन तरी भासो येतातूच. तातूंत साउथवर्थ म्हणटा कीं हांगा लोक न्हेसण बदलतात तशे भास बदलतात. लोक जसो भायर वतना बरे कपडे घालून भायर सरता आनी घरा कडेन मात बनीयान-कुवेक ना जाल्यार बानयान-लुंगी घालतात तशें भायर लोक उलयता तशें उलयतात. म्हणजे प्रमाण भाशेंत सगळो व्यवहार करतात. पूण घरा कडेन अपापली बोली भास उलयतात.

या घुस्पा-गोंधळांत खरो मुद्दो असो की देश चलयताना भाशेचें धोरण (policy) आनी ताचे खातीर गरजेचें आशिल्लें ती येवजण (planning). कशें आसचें या संबधिचो विचार कसो आसचो हाची आंखणी करची पडटा, कारण भाशेचो व्यवहार शासकीय मळार खंयच्या तरी भाशेंत आसूंक जाय, इतल्या व्हडल्या देशांत राज्यां मदी संपर्क भास एक आसची कांय आनीक भासो जाय, शिक्षण खंयच्या भाशेंत दिवचें, राज्यांतल्या व्यवहाराची भास खंयची आसची, एका परस चड आसची काय ना. हो सगळो विचार पोलिसी आनी प्लॅनींग हांतूंत जाता ते संदर्भांत फुडें केन्ना तरी.

संपर्क: ०७७३८१४८८०८

RAJHAUNS
PREPARATORY SERIES 2020
X & XII

HELP BOOST CONFIDENCE..



- ☑ Goa Board guidelines followed.
- ☑ Sets for unlimited practice.
- ☑ Helps prepare well for the exams.
- ☑ Dispels exam fear.
- ☑ 22nd consecutive year. XII - 22 titles
- ☑ 23rd consecutive year. X - 11 titles



राजहंस
RAJHAUNS SANKALPANA PVT LTD
1-Meenakshi Bldg, Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji 403 001
Ph: 2220320/2232117 | E-mail: rajhaunsgoa@gmail.com
www.facebook.com/rajhauns | www.rajhauns.com

गांधीजी संवसारीक प्रतीक कशें जालें?

संपदा कुंकळकार

भारतांत जल्मल्लें सगळ्यांत व्हड व्यक्तिमत्व म्हणल्यार महात्मा गांधी. भारत सोडून बाकीच्या सुमार ८० वयर देशांत तांचे पुतळे आसात. ह्या ८० देशांत ब्रिटन आनी पाकिस्तान ह्या देशांचो आसपाव आसा. ७० देशांतल्या २५० शारांनी, रस्त्यांक गांधीजींचें नांव दिलां. १५० देशांनी तांचेर ८०० तराचें स्टॅम्प काडल्यात. १९६९त, तांच्या शंबराव्या जयंती निमतान ब्रिटिश सरकारान गांधीजीचेर स्टॅम्प काडलो. हाच्या पयलीं हो मान फकत राज घराण्यांतल्या लोकांचो आशिल्लो. गांधी फकत भारताचे उरले ना. खऱ्यानीच MAN OF THE MILLENIUM.



संवसारभरांतले लोक तांकां तें जगता आसतना वळखताले अशें न्हय. भारतातूच न्हय जाल्यार गांधी हत्ये उपरांत जी पिढी दुसऱ्या देशांत जल्माक आयली तीय बी गांधीजीक वळखता. तांकां वचून ह्या वर्सा ७२ वर्सां जाली तरी तांची लोकप्रियता कुसभर लेगीत कमी जावंक ना. अशें कितें आशिल्ले गांधीजींच्या व्यक्तिमत्वांत?

गांधीजी हे फकत हाडा मासाचे मनीस नासून विचार आशिल्ले. तांणी संवसाराक कांय विचार दिले. जांकां आमीं 'गांधी विचार' म्हूण वळखतात. तांच्या ह्या विचारांनीच तांकां संवसारीक प्रतीक केले.

तांचो दर एक विचार हो समाजाच्या हिता खातीर आशिल्लो. तांची दर एक कृती ही मनीसपणाक धरुनूच आशिल्ली. आनी मनीसपणाची भास ही संवसारांत सगळ्यांक कळटा. देखूनूच संवसाराचेर तांचो येदो व्हड प्रभाव पडलो.

तांच्या विचारांनीच तांकां अजून जिवो दवरला. तांचे तत्वगिन्यान अहंकार मुळांतल्यान ना करपाचो यत्न करता. तांणी सांगले श्रमजिवी आनी बुद्धिजिवी मनशांक समान वागणूक दियात. केदो व्हड आनी कितलो सुंदर विचार. समाज सुदारपाचो, कोडसाण ना करपाचो. सगळ्यांक मनीस म्हूण एका पातळेर हाडपाचो. गांधीजीन जें समादान सोदलें तांणी समस्या मुळा सावन ना जाता. कांयच वयले वयर ना. तांचो सत्याग्रह आनी अहिंसेचो मार्ग थेट अंत:करणाचेर प्रभाव घालता. बॉमाचे धमाके करून वा तांच्या अधिकाऱ्यांक मारून ब्रिटिश सरकाराक मात्सो धसको दिवं येतालो. पूण अहिंसेच्या मार्गान चलतकच ब्रिटीश नमले. अहिंसेच्या मार्गान ब्रिटिश साम्राज्या सारक्या बळिश्ट साम्राज्याक हरोवं येता हे तांणी जगाक दाखोवन दिले.

विरोध कसो करप हेच तांचे कडल्यान शिकप. आपल्याक विरोधक आसू येता. तांची मतां साप वेगळीं आसूं येता. मनशां भितर तात्वीक विरोध आसचो. पूण हे मतभेत तात्विकूच उरचे. वैयक्तीक जावंचे न्हय. विरोध अशे तरेन करचो, विरोधकाक लेगीत तुमचो आदर करचो सो दिसपाक जाय. गांधीजीन देशाकूच न्हय तर सगळ्या संवसाराकूच तात्वीक विरोध शिकयलो.

गांधीजी दुरदृष्टी आशिल्ले मनीस आशिल्ले. ते सदांच जगाच्या धा-वीस पावलां फुडे आसताले. म्हणुनूच केन्नाच कालबाह्य जालें ना. जे जे प्रस्न फुडें वचून भारतांत वा बाकीच्या देशांत समस्या जावपाची आसा ताजेर तांणी विचार मांडले. तें म्हणटाले, ''मनशाच्या गरजे पुरतें हांगा सगळे आसा. पूण मनशाच्या हावे पुरते मात ना.'' मनशाची हाव आनी लोभ समाजाक, सैमाक एक दीस व्हड लुकसाण करतले

हे तांका होलमल्ले.

गांधीजीन सरसामान्य मनशाक तत्वनिश्ठपणान झुजपाक शिकयले. देशाक स्वाभिमान राखपाक शिकयलो. देश जरी ब्रिटिशांच्या अधिराज्या खाला आसलो तरी स्वाभिमान घाण दवरप ना हे गांधीजीन देशाक पटोवन दिले. हाची देख हेर देशांनी घेतली.

तांचे हे व्यक्तिमत्व घडले तें तांणी केल्ल्या असंख्य प्रयोगां खातीर. तांणी आयुश्यभर जायते प्रयोग केले. आनी ह्या प्रयोगांतल्यान गांधी घडत गेले. तांणी अनुकरण केन्नाच केलें ना. ह्या प्रयोगाची सुरवात इंग्लंडाक शिकपाक गेले थंयच्यान जाली. तेन्ना तांणी थंयचीं जिवनशैली आपणावपाचो यत्न केलो. म्हारग सूट आनी सिल्काची टोपी घालपाक लागले. वायलीन वाजोवपाचे धडे घेवपाक लागले. पूण जशें तें भितरल्यान आशिल्लें आनी जशे भायल्यांतल्यान दाखोवपाचो यत्न करताले, ह्या दोगांय मदले अंतर वाडत गेले. पूण कांय म्हयन्या भितर तांकां जाग आयली. आपूण जसो मुळांत ना तें भासोवप ना. वायलिन विकले आनी सादी जीवनशैली पुरायपणान आपणायली. मागीर बॅकिंगहॅम फ्लासित पंचो न्हेंसून वचपी ते एकलेच. हाच्या फाटल्यान आशिल्ले तांचे ठाम मत आनी कमालीचो आत्मविश्वास. तें मातये कडेन जोडिल्ले आशिल्ले.

गांधीजी नेमान उपास करताले. रांदचीकूड ही सगळ्यांत बरी फार्मास अशें तें मानतालें. आमचे आरोग्य बिगडपाक आमी जेवता तें जेवण आनी जेवणाची पद्धत जबाबदार आसा हें तांकां त्या काळार कळिल्लें. फकत बरे जेवपूच म्हत्वाचें न्हय तर जेवण बरें चाबडावपाक जाय, जाल्यारूच ते चड प्रभावी थारता अशें तांचे मत आशिल्ले. तांणी खावपा बाबतीत जें प्रयोग केले तें तांच्या दिसपटेत बरोवन दवरलें. आयज २१व्या शेंकड्यांत जें मनशाक विज्ञाना खातीर कळपाक लागलां तें गांधीजीन २०व्या शेंकड्यांत सांगिल्ले.

गांधीजीच्या आश्रमांत चरखो, झाडू आनी प्रार्थना हांकां म्हत्वाचे स्थान आशिल्ले. ह्यो तिनूय गजाली प्रतीक. चरखो हो स्वावलंबनाचें प्रतीक, झाडू हो निवळसाणेचे जाल्यार प्रार्थना ही आत्मीक बळाचे प्रतीक.

स्वावलंबन कित्याक गरजेचें? मनशान स्वावलंबी आसचें अशें गांधीजी म्हणटाले. पुरायपणान स्वावलंबी. चड करून आर्थीक नदरेन. जेन्ना मनीस ल्हान ल्हान गजालीं खातीर दुसऱ्याचेर निंबून रावता तेन्ना ताचो आत्मविश्वास कमी जायत वता. ताचे व्यक्तिमत्व वाडना. व्यक्तिमत्वाच्या वाडी खातीर स्वावलंबन खूब गरजेचें. गांधीजी पराकोटीचे स्वावलंबी आशिल्ले. स्वताचे लुगट स्वताच तयार करताले, आपलो चपलाचो जोड लेगीत स्वता तयार करताले. आश्रमाच्या रांदचे कुडींत दळप, भाजी चिरप अशी कामां ते करताले. देखून तांच्या व्यक्तिमत्वांत एक वेगळीच धार आशिल्ली.

दुसरें प्रतीक निवळसाण. गांधीजीक निवळसाण खूब प्रीय आशिल्ली. भायली तशीच भितरली निवळसाण. तांच्या आश्रमांत जे रावताले तांकां कामां वांटून करचीं पडटालीं. अशें म्हणतात सगळ्यांत पयली गांधीजी पांयखिळे कोणें निवळ केले हें विचारताले. गांधीजी जशें भायल्यांतल्यान निवळ आशिल्ले तशेंच भितरल्या निवळसाणेचेर भर दिताले. नेमान मौन व्रत पाळताले. मौन पाळप म्हणल्यार जिबेक शांत दवरप न्हय जाल्यार मनाक शांत दवरपाची प्रक्रिया.

सगळ्यांत म्हत्वाचें आत्मीक बळ. ह्या आत्मीक बळाच्या नेटारूच गांधीजीन व्हडलीं-व्हडलीं झुजां जिखली. मनाची सशक्तताय खूब म्हत्वाची. गांधीजीचे विचार हे आयच्या काळाची गरज.

अशें म्हणटात जेन्ना मनीस बारीक गजाली बऱ्या तरेन करता तेन्ना व्हड गजाली आपसूंक जाग्यार पडटात. गांधीजी बारिकांतली बारीक गजाल लेगीत बऱ्या तरेन करताले.

कोचरब आश्रम हो गांधीजीचो पयलो आश्रम. १९१५ त कोचरब आश्रमांत तांणी पयले फावट आपली अकरा व्रतां सांगली. तांच्या आश्रमांत रावतल्यांक ह्या अकरा व्रतांक पाळो दिवचो पडटालो. तीं व्रतां - अहिंसा, सत्य, ब्रह्मचार्य (संयमी जिवन), अस्तेय, अपरिग्रह, शरीरश्रम, आस्वाद, सर्वत्र भयवर्जन, सर्वधर्म समत्वं, स्वदेशी आनी स्पर्शभावना. गांधीजी समजूक ही अकरा व्रतां समजप गरजेचे. तांचे पुराय तत्वगिन्यान म्हणल्यार तांची ही अकरा व्रतां.

१) अहिंसा - अहिंसा फकत कुडीची न्हय जाल्यार मनाची लेगीत. खंयच्याच मनशाक, प्राण्याक त्रास करप ना. मारप ना, रक्त व्हांवोवप ना, पिडापीड करप ना. तशेंच मानसीक त्रास दिवप ना. भावनीक त्रास दिवप ना. अहिंसा हेच गांधीजीचें शस्त्र आशिल्ले. ह्या शस्त्रा मुखार सगळेंच नमले.

२) सत्य - गांधीजी सदाच सत्य उलयताले. तांच्या वागपांत एक खरेपण आशिल्लें. सत्य उलयतकच मन सरळ जाता कारण तातूंत भितर कसलोच गुंतो उरना मन ल्हव जाले म्हणटकच थीर जाता. एक सशक्त व्यक्तिमत्व आसपाक मन थीर उरप खूब गरजेचे. सरळ वाटेन चलपी मनशाच्या तोंडार तेज आसता. जंय असत्य थंय हिंसा आपसूक येता कारण ह्यो दोनूय एका नाण्याच्यो दोन बाजू अशें गांधीजी म्हणटाले.

३) अस्तेय - अस्तेय म्हणल्यार चोरप ना. हाचो दुसरो अर्थ असो, जें आपले न्हय तें घेवप ना. जी वस्त आपली न्हय ताचेर दोळो दवरप ना. हे व्रत जरी पाळ्ळे जाल्यार संवसारांतले जायते प्रस्न सुट्टले.

४) अपरिग्रह - अपरिग्रह म्हणल्यार गरजे परस चड आपल्या कडेन दवरप ना. जाका आज काल 'MINIMALIST' जावप अशें म्हणतात. गरजो कमी करप. गरजे भायर साठोवप ना. ह्या शद्वाचो दुसरो अर्थ असो जाता, कोणाच कडल्यान कांयच घेवप ना. पूण जर एखाद्या कडल्यान कसली भेटवस्तू वा फावोर घेतात तेन्ना आमी मनाच्या स्वातंत्र्याक मुकतात. खंय तरी त्या मनशाच्या नकळत रिणांत उरतात. हाचो प्रभाव तुमच्या वागपाचेर पडटा.

५) ब्रह्मचार्य - ब्रह्मचार्य म्हणल्यार संयमी जिवन. स्वत:चेर संयम दवरप. मनाचेर आनी इंद्रियांचेर ताबो आसप. फकत कूड ताब्यात दवरप न्हय जाल्यार कामना, उलयतना, बरयतना दर एक गजाल संयमान करप. जिवितांत संयम खूब म्हत्वाचो. ना जाल्यार मनीस मोहाक बळी पडून काबार जाता.

(पान ३० चेर)

कविते विशीं

माधव बोरकार



१०.६.१९

कवीच्या जिवितांत घडपी घडणुको ताचे कवितेचेर प्रत्यक्ष वा अप्रत्यक्ष रितीन परिणाम करतात. ताचें कारण म्हणल्यार कवीचो अणभव हो ताच्या सृजनाचें मुलद्रव आसता. त्यो घडणुको प्रत्यक्ष ताच्या जिवितांत घडिल्ल्यो आसूंक जाय अशें ना. पूण कानार पडिल्ले दुसऱ्यांचे अणभव लेगीत ताचे कवितेंत येवं येतात. हे आयकल्ले अणभव ताच्या संवेदनशीलतेचेर खोल परिणाम करतात. आनी ह्या परिणामांचे फळ म्णल्यार तातूंतल्यान स्पुरिल्ल्यो कविता.

***

१२.०६.१९

काऱ्यालो 'नंदादीप' हो संग्रह वाचतना एक विचार मनांत आयलो तो असो. बाकीबाबालो 'प्रतिभा' आनी 'नंदादीप' फाटीं फुडें उजवाडा आयलो. ह्या दोनूय संग्रहांतल्या कवितांची भास, अभिव्यक्ती आनी कवींची वृत्तीय हांची तुळा करपाक बरोच वाव आसा. खरें म्हणल्यार तांचे हे दोन संग्रह तांच्या फुडाराची दिका दाखोवपी आसात. हाचेर विचार करपाक जाय.

***

१४.०६.१९

Rimantic वृत्तीक संस्कृत कवितेच्या सिद्धांतांत 'उन्मेष' ही संकल्पना येता. अभिनवगुप्त कवितेचे प्रतिभेक 'नवनवोन्मेष-शालिनी' अशें म्हणटा. विलास सारंगान रँबोचेर 'रँबोची उन्मेषवादी भविष्यवाणी' ह्या लेखाचे तळटिपेंत ताचो उल्लेख केला.

***

२२.०६.१९

'सत्यकथा'चे पोरणे बांदिल्ले अंक चाळटालों. सप्टेंबर १९७९ च्या अंकांत 'सातजणी' ही शंकर रामाण्याली कविता आयल्या. तिका फकत दोन कडवीं आसात. तीच कविता 'दर्पणीचे दीस' ह्या संग्रहांत आसा. तातूंत एक कडवें वाडयल्लें मेळटा. हें वाडयल्लें कडवें दुसरें आयलां. घडये ती परत वाचतना कवीक ती थोडी अपूर्ण दिसली आसूं येता. आशय अदीक अर्थपूर्ण जावपाक आनीक एका कडव्याची गरज आसा अशें दिसलां जावंये. रामाण्यालो कवितेचो कादेर्न पळयत जाल्यार ताचेर उजवाड पडटलो. म्हजे यादी प्रमाण एक फावट कविता प्रसिद्ध जातकच ते तातूंत बदल करी नाशिल्ले. ही कविता ताका आडवाद आसा.

***

२४.०६.१९

रामाण्याची सुरवेच्या काळांतली एक कविता.

सवंगडीण

तूं माझी सवंगडीण जीवाची। तशी ग मैत्रिण मायेची ।।धृ।।
सुंदर बघ गे तर हे गाल । दिसती पहा गे कितीक लाल।
कुणी कुणी तरी कुंकू फेकिली । गाली गुलालाची ।।१।।
वदन किती तरी नाजूक दिसते । का तव रसजा हळू हळू हलते।
आली कां आली गे तुजला । लहर बोलण्याची ।।२।।
लाज वाटते माझ्याशी (मजाशी) बोलण्या।
मायेने मजपाशी वागण्या।
भीती गे भीती तुजला ती । दिसते कोणाची ।।३।।
जाऊया का प्रशांत जागी । नसे जाग कोणा त्या भागी।
जाऊ ना चल जाऊ । दवडूंन संधी विहरण्याची ।।४।।
बोलू गे पुष्कळ गोष्टी । जेथे कोणा जाग न असती ।
बोलू गे बोलू । भागवू हौस ती मौनाची ।।५।।
नदि किनाऱ्यावर जाऊ । सरितेच्या त्या लहरी पाहूं।
बैसू गे बैस वाळुवर । मौज उधळण्याची ।।६।।
तुझ्यावरी ती माझी माया । लाजसी मजला कां गे वाया।
गोडी गे गोडी मजला । तुज त्या सुंदरतेची ।।७।।

उत्तेजन

गोमंतकीय विशेशांक १९९०

Gom 16

रामाण्याचे कवितेचीं दोन बाडां आसात. पयल्या बाडांत चाळीसा उपरांत बरयल्ल्यो कविता आसात. पूण 'सवंगडीण' ही कविता त्या बाडांत ना. हीच तांची सगळ्यांत पोरनी कविता वाचपाक मेळटा. 'उत्तेजन' हें घडये एक हाताळें आसूं येता. ते वास्को शिकता आसतना आनी मागिरूय नाव्हेगासावांत नोकरी करपाच्या काळांत थंय सुर्या लोटलीकार हे एक हाताळें काडटाले. तातूंत रामाण्याल्यो सुरवेच्यो कविता आयल्यात. पूण आतां ते अंक कोणाच कडेन नात.

'सवंगडीण' ही कविता तशी कवितेचें मुल्य नाशिल्ली. ती कविते कडेन संवकळ करपाच्या काळांतली. फकत उतरांची जुळणी करपाच्या यत्नांत आशिल्लो हो कवी हांगा दिसता. अशें आसलें तरी रामाणीचे कवितेचें पयलें वयलें रूप हें कवितेंत पळोवपाक मेळटा. माधव जुलिअन हो रामाण्यालो एक आवडटो कवी. ताची छाप हे कवितेचेंर पडल्या काय कितें हाचो सोद हे कविते वरवीं घेवपाक येता.

रामाणी, बोरकार आनी कारो हांच्यो सुरवेच्या काळांतल्यो कविता

अभ्यासाचे नदरेन वाचूंक जाय. तो एक खाशेलो अभ्यासाचो विशय जावं येता. बोरकार आनी कारो हांणी बरयल्ल्यो सुरवेच्यो कविता पूर्वसुरींच्या प्रभावांतल्यान आयल्या हें स्पश्ट दिसता. पूण तेच बरोबर तांच्या स्वतंत्र व्यक्तिमत्वाच्यो कुरवोय दिसलें बगर रावनात. पूण रामाण्याली सुरवेची कविता मुळाव्या पांवड्यार उरली. बरोच काळ मेरेन तिका आपल्या पांयार उभी रावपा खातीर त्रास घेवचे पडले. बावीस तेवीस वर्सां म्हणल्यार जाता. 'सत्यकथा'त तांच्यो कविता आडवादान प्रसिद्ध जाताल्यो. तांचे कवितेचीं तीं दोन बाडां वाचतकच ही गजाल लक्षांत येता. १९५७-५८ च्यान तांची कविता थोडी बदलूंक लागली. १९६० सावन ती एका वेगळ्या मोडणार येवन उबी रावली. 'आभाळवाटा' संग्रहांतल्यो कविता ताका गवाय आसा. तांची कवितेवेली निश्टा लक्षांत घेवपा सारकी. आज काल खंयच्याच नव्या कवी मदीं ती दिसना. आनी कोणाकूच ते विशीं खंत ना.

रामाण्याले कवितेचीं उरिल्लीं बाडां अभ्यासाचे नदरेन पळोवपाक जाय. 'आभाळवाटा', 'पालाण', 'दर्पणीचे दीप' आनी 'गर्भागार' ह्या संग्रहांनी फक्त वेंचीक कविता आसात. असंग्रहीत अश्यो बऱ्योच कविता आसात. तांचो अभ्यास करपाक जाय. रामाण्याक आपल्यो कविता व्यवस्थीत कादेर्नाचेर वा डायऱ्यांचेर बरोवन दवरपाची सवंय आशिल्ली. ताका लागून तांच्यो कविता शेणपाची शक्यताय कमी.

***

२६.०६.१९

परतण

परतण पुरी झाली
सुर्य कुंवार सावली
वेळ कालचीच डोळां
काळी कालचीच काळी.

कालचक्र चाललेले...
नभ-धरा एकरूप
काळी कालची चढण
उरी उजळे स्मरण...

कालचक्र चाललेले...
वेळ कावळी तशीच
सूर्यबिंब कालचेच
टेकलेले पश्चिमेस.

नभ-धरा एकरूप
गायी झोपल्या गोठ्यात
कृष्ण उघडा दाराशी
वाट उद्याची पाहात...

'मौज' दिवाळी २००३ अंकांत आयिल्ली रामाण्याली कविता. ही कविता तांची निमाणी आसपाची शक्यताय आसा. तांच्या कवितांचो कादेर्न वा डायरी पळयतकच लक्षांत येतलें. 'गर्भागार' संग्रहा उपरांत तांणी चड काय बरोवंक ना. २००१, २००२ ह्या वर्सांनी मानसीक नदरेन बरे नाशिल्ले. कांय गजाली तांच्या यादींत register जाय नाशिल्ल्यो. २००३ एका आयतारा हांव तांकां मेळूंक गेल्लो तेन्ना तांच्या Serilityची म्हाका कल्पना आयली.

ही कविता म्हणल्यार तांणी फुडल्या प्रवासाचें प्रस्थान दवरलां. अश्या मुडाची आसा. बाकीबाबान तमस्तोत्र गायलें तशी रामाण्याची ही, 'परतण'. 'कृष्ण उघडा दाराशी/ वाट उद्याची पाहात'. ही उद्याची वाट म्हणल्यार मर्णाची वाट.

आज रामाण्याची जल्मतीथ.

***

०१.०७.१९

शरद साटमाचे 'संभवी' आनी 'छळवाद' हे दोन कविता संग्रह चाळून पळयले. त्यो कविता वाचतना दोळ्या मुखार सदानंद रेगे उबो रावता. जिणे कडेन पळोवपाची तीच तिरकस नदर साटमाचे कवितेंत दिसता.

साटम हो वेगळे प्रकृतीचो कवी. इतल्यो आशय संपन्न कविता बरोवनूय समिक्षकांनी ताचें नांव घेवप ना हाचें थोडें अजाप दिसता.

***

०२.०७.१९

'A poet must master the art of waiting' अशें रिल्केन म्हणलां. ही वाट शद्वांची, कविता येवपाची. कवितेक बळयां हाडूंक मेळना. ती आपसूक तुजे कडेन येवची पडटा. प्रेयसे भशेन.

***

०४.०७.१९

बाकीबाब, कुसुमाग्रज, पु. शि. रेगे, कांत हे मराठी कवी उमाशंकर जोशी गुजराती करंदीकर आनी हिंदी कवी त्रिलोचन हे एके पिळगेचे कवी. तशेच बंगाली मल्याळम आनी तामिळ कवींचो तुलनात्मक अभ्यास करपाक बरोच वाव आसा. अशा अभ्यासांतल्यान भारतीय कवितेचो ethos लक्षांत येवपाक बरें पडटलें. एका काळाच्या कवितेचो रुपकार दोळ्यां मुखार येतलो. रॉबर्ट फ्रॉस्टान म्हणलां : A great nation makes great poetry and great poetry makes a nation,

Robert Lowell च्या समग्र कवितांचो संग्रह चाळटालों. ताची एक चार वळींची कविता आसा. ती ताची निमाणी कविता अशें संपादक बरयता:

Christ,
may I die at night
with a semldance of my faculties,
like the full moon that fails.

ही कविता अपूर्ण दिसता. एक पूर्ण अणभव तातूंतल्यान व्यक्त जाता अशें ती कविता वाचतना जाणवता. एकूच गजाल ती म्हणल्यार लॉवेलान केन्ना कमी वळींची कविता बरोवंक ना. सुनितां आनी दीर्घ कविताच बरयल्यात.

(फुडें चलता)

संपर्क: ९४२०२२२८७६





नव्या दशमानाची डायरी : २

नंदकुमार कामत

भायरी घेवन हांव डायरी बरोवंक बसलां आनी या शतमानांतल्या शायरीचो विचार करतां. बरोबर आसा एकाच वाक्यात-भायरी, डायरी, शायरी ही उतरां येवप समा न्हय. पुण घडये हो रमेश वेळुस्काराचो प्रभाव आसूं येता. कोंकणींतलो तो सगळ्यांत 'सेक्सी' कवी. साहित्य अकादमीन कोंकणी पोरनोग्राफीक बरपावळीक अधिमान्यता दिवच्या पयलीच्या कालखंडांतलो मोरपांखी कवी. ताच्यो खुबश्यो कविता म्हणल्यार अहिंसक हस्तमैथुन. 'मेंटल मास्टर बेशन'. पूण मास्टर बेशन या घाणमाऱ्या उतरा परस हस्तमैथुन हे उतर खूब सभ्य दिसता. फाटल्या शतमानांत एक दीस ताचे बरोबर म्हजो खूब वाद जालो. विशय शंकर रामाणी श्रेश्ठ काय जी.ए. कुलकर्णी? जी.ए. रामाणीक पत्रां बरयतालो. रामाणी रमेशाक पत्रां बरयतालो. आपल्या बद्दल कोण कितें उलयता ताचो रामाणीक चडूच हुसको. रवीन्द्रबाबाच्यो 'वेळेवयल्यो घुलो' म्हजो आदर्श. म्हणून म्हाका साहित्यीक बी डायरी बरोवपाची आस्त म्हणून हांवें रमेशाक सांगले तेन्ना तो म्हणूक लागलो - कशी बरयतलो? ताणें मागीर म्हाका कांय नांवां सांगून देखी दिल्यो. 'नंदू' हे पळय. डायरी जायत्या पद्धतीन बरोवंक जाता. पयली तुका जायते मोलादीक घडिल्ले, घडसयिल्ले, घडूंक नाशिल्ले प्रसंग बरोवपाचे आनीक सकयल एक तारीख बी घालपाची. हांवें ताका थांबोवन म्हणलें - ''कळ्ळें, बाकीबाबांच्या कवितां सकयल तारीख आनीक थळ येता. कांय कवितांच्यो चाली, छंद, रागूय ताणें दिल्यात. पूण सगळ्याच कवितां सकयल अशें ना. तेन्ना हांव समजतां, त्यो कविता हांथरुणार, संडासात, न्हांणये घरांत बी बरयल्यात आसतल्यो.'' 'आयक फुडे' रमेश म्हणूंक लागलो - दुसऱ्या पद्धतीन डायरी बरोवपाची ती पयली तारीख बी घालून. खंयचीय तारीख चलता. पूण विचार मात व्हडलो जाय. थंय तुका कितें सांगपा सारके आसा ते म्हत्वाचे न्हू. बाकीच्यांनी कितें म्हणलां, बरयलां ते सांगपाचे. मागीर डायरी भारदस्त जाता. म्हाका हे खरें दिसना रमेश, हांवें म्हणलें, 'वेळेवयल्यो घुलो ज्ञाननिधीच्या सान्निध्यात बी तश्यो नात. ते खरे गांधीवादी साहित्य आनी जशें तांतूंत बरयलां बी तशेच खरे अणभव ते.' आता रमेश ना. निमणी भेट आमच्या प्रयोगशाळेंत जाल्ली. एक पुस्तक भेटोवन तो गेलो. गेलो तो गेलोच आनी फाटल्या चार शतमानांच्या यादींचे वझें दवरून गेलो.

ही डायरी बरयतना म्हज्या हातात एका परिसंवादाचे निमंत्रण आसा. नशीब अजून परिसंवाद हे उतर तशेंच उरलां. कारण कोंकणीचें धाडावन -बडोवन केल्लें नवें भासशास्त्र तयार जाता. खंय तरी एका परिसंवादांत परतून परतून 'चर्चक' 'चर्चक' ही उतरां सुत्रनिवेदनांत कानार पडटाली. 'रॅपॉर्टियर' ह्या इंग्लीश उतराचो तो अणकार. चर्चा करपी म्हणल्यार खंय चर्चक. आता संस्कृत, मराठी भाशेंत आसा तशें कोंकणींत अलंकारशास्त्रूच नाशिल्ल्यान संधी, समास, अनुप्रास हांचेय कांय नेम नात. 'की नोट ॲड्रेस'चे 'मूळ स्वर उलोवप' केन्ना जालें ते कळूंकच ना. सामकें पेजाद उतर - 'मूळस्वर उलोवप'. नवें शतमान कोंकणींत क्रांतीकारी भासशास्त्र, शैलीशास्त्र दिवपाचें आसा. ताची गवाय परिसंवादाच्या निमंत्रणा वेल्यान आयली.

तिसऱ्या शतमानांतली कोंकणी 'सभिक्षा' : हय, हय, उतर चुकूंक ना. सभिक्षाच. समिक्षा न्हय. गोंय राज्य सभिक्षक संघटनेन खुलासो केला ते प्रमाण 'सभिक्षाशास्त्रा'ची मुलतत्वां तिसऱ्या शतमानांतच तयार जालीं. भीक मागून समिक्षा जेन्ना जाता तेन्ना तिका सभिक्षा म्हणटात. भिकेक संस्कृतांत भिक्षा म्हणटात म्हणून सभिक्षा हे उतर तयार जाले. आयज मेरेनच्या कोंकणी समिक्षेचो नियाळ केलो जाल्यार दिसता ती सगळी सभिक्षाच. देखीक महाबळेश्वर सैलाची 'युग सांवार' वाचची. जांका लक्ष्मीकांत व्यंकटेश प्रभू भेंब्रेचें 'भारतातील कॅथॉलिकांचे धर्मप्रसाराचे मार्ग' हे जळजळीत पुस्तक वाचप शक्य आसा तांकां 'युग सांवार' पचपचीत दिसतली. दिसपाचीच. कारण कोंकणी सभिक्षकांनी हे पुस्तक खंय वाचलां? सभिक्षकांतलो आनीक एक प्रकार म्हणल्यार स्वभिक्षक - आपल्याच बरपाचेर उलोवपी, बरोवपी सभिक्षक. कोंकणींत फाटल्या दशमानांत स्वमिक्षकांच्या संख्येंत ७७ टक्के वाड जाली अशे एका पी.एच.डी. प्रबंधांत म्हळां. हातूंतलें कांय स्वमिक्षक - 'हांवें ही कादंबरी कशी बरयली' ना जाल्यार म्हज्या 'कादंबरेची कथा, म्हज्या कवितेची काणी', म्हज्या अमक्या कवितेंतली प्रतिमा सृश्ट अशें बी बरोवंक लागले. स्टुडंट मिडिया, गोवा ६९ अशा वाहिन्यांचेर तांच्यो राशिनी मुलाखती बी जाल्यो. एका वादग्रस्त मुलाखतींत एका स्वमिक्षकान घोशणा केली.

हांव वर्ग युद्धाचो सेनापती. म्हजें साहित्य म्हणल्यार टॅक्टीकल बॅटल्स. मुलाखतकारान तांकां प्रस्न केलो - 'गांडू' हे उतर तुमच्या साहित्यांत परते परते इतलें कित्याक येता' जाल्यार या स्वमिक्षकाची जाप अशी - 'सगळ्या गोंयच्या साहित्याकूच बद्धकोश्ठ जाला. एक तरेचे ॲनल फिक्सेशन तें. म्हणून 'गांडू' हे उतर येता. म्हजी नवी कादंबरीय त्याच विशयाचेर आसा 'गांडू'. तांतूंतलो पयलोच प्रसंग हांवें कोंकणी

साहित्याच्या इतिहासांतलो पयलो वयलो बिभत्स रोस वापरून बरयलां. 'मुलाखतकार फुडें विचारता- 'कसलो हो प्रसंग ते सांगश्यात.' स्वमिक्षक सांगता - हय. म्हजे कुले धुवपाचो प्रसंग तो. हाचे पयलीं भरत नायक हांणी बी जसो कुल्यांक न्याय दिवपी कविता बरोवन कदीम काळार टी.बी. कुन्हा सभाघरांत वाचल्यो तसोच हांवें ह्या प्रसंगांत कुल्यांक न्याय दिला. तर सांगपाचेच म्हणल्यार ह्या स्वमिक्षकान स्वमिक्षेचे पेजाद फांवडेशन घाले. हातांतले निमंत्रण पळोवन म्हाका तिसऱ्या शतमानांतल्या सभिक्षेचो नियाळ घेवचो कसो दिसलो. हांवें रोखडीच पयली तारीख घाली आनीक मागीर नियाळ घेतलो. ह्या डायरितल्यो सभिक्षेच्यो ह्यो कांय नोंदी. हाचे वेल्यान भोकणी विभागांत पीएचडी संशोधन करतल्यांक थोडी तरी वैचारीक, बौद्धीक खांवड मेळूंक शकता अशी आस्त आसा. भोकणी विभाग केन्ना, कसो, कित्याक स्थापन जालो ताचे बद्दल फुडें येतलें. 'भोकणी' या उतराचें व्युत्पत्तीशास्त्र खूप कठीण आसा. 'जाग' नेमाळ्याच्या अहिंसक, मोगाळ वाचप्यांचें ताका लागून टेन्शन वाडटलें. तर आता तिसऱ्या दशमानांतल्या समिक्षे कडेन वळुया. हातूंत उल्लेख केल्लीं पुस्तकां भिणेकर डॉट कॉम ना जाल्यार झोपय मारून डॉट कॉम हांचे कडसून मेळूंक शकतात. कांय पुस्तकाचेर बंदी घालपाचो विचार चल्ला म्हणून प्रकाशकांनी तांचे दर दुपेटीन वाडयल्यात.

आद्य कवी रामदास नामाः

इतलीं वर्सां कृष्णदास श्यामाच्या पयलीय खूप लेखक जावन गेल्ल्याचो जो दुबाव आशिल्लो तो तिसऱ्या दशमानांत खरो जालो. कालापूरा - बारांव द कुंभारजुवा, पुरुषोत्तम केंकरो हांच्या राजांगणांत खणपाचें काम चालू आसतना टण टण टण असो आवाज जालो. पळयल्यार पितळेचो पाचवो पडिल्लो एक करण. तातूंत तांबड्या वस्त्रांत गुठलायिल्ली एक पोथी मेळ्ळी. ती मेळतकीच आर्किटेक्ट राजेश केंकरो धांवत धांवत गोंयचे महान इतिहासकार तेनसिंगा कडेन गेलो. तांचे महान संशोधन नवहिंद टायम्स या म्हान दिसाळ्यांतल्यान उजवाडाक आयलां. तेनसिंगान एव्हरेस्ट शिखर देंवन आयिल्ल्या भशेन तोंड केलें. 'राजेश, एक दार उकते जालें'. राजेशान फाटल्यान वळून पळयलें. तो आयिल्लो ते दार उकतेच आशिल्ले. 'तेनसिंगबाब, दार उकतेच आसा न्हय?' तेनसिंग हांसलो - 'अरे पापया, कोंकणीच्या इतिहासाचे दार उकते जाले. हे केंकऱ्यांगेर मेळला ते १६ व्या शेंकड्यांतले नागरींतले महाकाव्य. राजेशान विचारले, महाकाव्याचें नांव कितें? 'विखामृत म्हणल्यार बुडतल्यांचो संवसार' - रचनाकार रामदास नामा, विक्रम संवत १५८२, भौमहळ्ळीनिवासी'.

कदंब बस स्टँड, साखळी
१३.१२.२०२७

कोंकणींतलो पयलो भविश्यवादी रचनाकार

रामदास नामाच्या महाकाव्याचेर कोंकणींत खूब चर्चा चल्ल्या. 'जागां'त आयिल्लो प्रा. तोमास तांबडोगुंज हाचो लेख तर खुबच गाजलो. तांणी तातूंत सरळ सरळ आरोप केला की कोंकणीचे म्हापुरूस शणै गोंयबाब, हांणी तांणी लिपोवन दवरिल्ल्या प्रतीवेल्यान 'अमृताचो पावस' आनीक 'संसारबुडटी' बरयली. या लेखा कडेन तशे कोणाचें लक्ष वचपाचे नाशिल्ले. पुण मागय नासतनाय 'तांबडोगुंज' या आडनांवाच्या लेखकाचो लेख आसावरीक कुरीयरान धाडिल्लो मेळ्ळो तेन्ना ताका त्या आडनांवाचेच खूब अप्रूप दिसलें आनीक काट-छाट बी करिनासतना ताणें तो छापलो. तांबडोगुंजाच्या मतान महाकाव्याचो माथाळोच पयली पळोवचो - 'विखामृत' आनीक शणै गोंयबाब बरयतात 'अमृताचो पावस' मागीर 'बुडटल्यांचो संवसार' म्हणल्यार शणै गोंयबाबाची 'संसारबुडटी'. तांबडोगुंज हांणी रामदास नामा हाका 'भविश्यवादी' रचनाकार म्हणिल्ले आनीक तांच्या महाकाव्यांतल्यो कांय देखीय दिल्ल्यो. तातूंतली ही एक म्हाका खूब बरी लागली. समिक्षकांक हे महाकाव्य सारकें समजूंक ना. साहित्य अकादमीचे अध्यक्ष प्रा. भुषण भावे ते खातीर प्रियोळा 'रामदास नामाचे महाकाव्य' या विशयाचेर एक जागतीक चर्चासत्र घडोवन हाडपाचे आसात.

रामदास नामान विक्रम सवत १५८२ म्हणल्यार इ.स. १५२५त बरयिल्ले.

कावणु रावणाचे गावुणु । खाजनिया अणुअणु
म्हार जांवका कांय बामणु । सकळांचिये गुणुगुणु
बोटीवेल्यान रांवस हाडलो । कोण कोणाचेर चडलो
ध्वनीयंत्रावेगी बडबडलो । एक तो पिसो

अणुअणु, बोटी, ध्वनीयंत्र आदि उल्लेख इ.स. १५२५ तल्या या कवितेंत कशें आयले? आय सॅल्युट यु, खरेच महाकवी नामदास रामा, यु आर ग्रेट.

'दामुनघे महाज पार्लर, पटाया,
२६.१२.२०२७

कांय समिक्षकांच्या मतान नादिया बरयता ताका एएसबी म्हणजे 'अॅटेंशन सिकींग बिहॅवियर' म्हणटात. लोकांची नदर आपल्या कडेन वळोवन घेवप. पूण म्हज्या तरी मतान हे समिक्षक नादियाचेर खूब जेलस आसात कारण आमच्या अर्विल्ल्या कोंकणी साहित्य मळा वेली ती उर्वशी रावतेला. तिच्या पत्रकार परिशर्देत झुंबड जाता. 'अंतर्वस्त्रा'चो तर विक्रमी खप जालो. राजू नायक ह्या व्हड पत्रकाराची सुद्धा इतली पुस्तकां तिसऱ्या दशमानांत खपूंक ना.

हांवें राजूक नादिया नागशेराचेर स्पेशल फिचर करूंक सांगलां. पळोवया केन्ना करता तो. आता थोड्या वेळान म्हाका वास्कोचे हॉवरक्राफ्ट धरूंक जाय.

हॉवरक्राफ्ट जेट्टी, दोना पावला
३१.१२.२०२७

कामतीचो रिअल मॅजीकालीझम

गाब्रियेला गार्सिया मार्क्वेझ वाचून पिसो जाल्ल्या पु. लां. कामतीन कोंकणींत पयल्या फावट 'रिअल मॅजीकालीझम' हाडलो. ताणें हारुकी मुराकामी केन्नाच वाचूंक नाशिल्लो. कोंकणी सभिक्षा तिसऱ्या दशमानांत खंय पावल्या हे तुमकां कळूंक जाय जाल्यार कामतीचे 'रिअल मॅजीकालीझमः सोद साहित्यांतल्या आवय बापायचो' तशेच याच शैलींतील तांची 'आजूत' ही कादंबरी वाचची पडटली. याच शैलींतल्या तांच्या 'कळमेल्ल्या कोळशाची कायलोळी काणी' या काव्यसंग्रहाची ब्राझील, चिले, ताहिती हांगा खुप तोखणाय जाल्या. ताचे वेल्यान हे दशमान खंय पावलां ते कळटा.

गणपती देवस्थान, खांडोळे, १:०१:२०२८

खरेदीचें पथ

दामोदर मावजो

१९८५ वर्सां बरयिल्ली पूण पोरण्या कागदांनीं पडून उरिल्ली ही कथा सुमार ३५ वर्सांनी उजवाड पळयता-

दिल्लीचे युनिवर्सिटीन आयोजीत केल्ल्या कृतिसत्राचें आमंत्रण आयिल्लें तेन्नाच बायलेन सांगिल्लें - ''आयोजकांनी फर्स्ट क्लास रेल्वे फेअर दिवपाचें केलां खरें. पूण आपणे दुसऱ्या वर्गान वचचें तितलेंच सेवींग जातलें.

बायलेचे शिटूक बुद्धीची तोखणाय करीत डॉ. ज्ञानवर्धनमान रेल्वेची टायम टेबल पुस्तिका हाडून खंयची गाडी बऱ्या पडटली तें बी थारायिल्लें. पूण बायलेन सांगून लेगीत रिझर्वेशन करपाक कळाव जाल्लो. दुसरी गाडी आशिल्ली ती एअरकण्डिशण्ड. तिची एसी चेअर तिकेट लेगीत तिपेटीन म्हारग. उपाय नासून काडची पडली. मागीर सगलेंच गणीत चुकलें. सादी गाडी बुधवारा सांजची सुटपाची आनी शुक्रारा फांतोडेर पावपाची. ही एक्सप्रेस गाडी बुधवारा सकाळीं सुटली आनी बिरेस्तारा रातच्या साडे धांकच दिल्लीक पावली.

बायलेन म्हणिल्लें चड बेगीन पावलो जाल्यार स्टेशनाचेरूच वेळ सार आनी सोमतोच युनिवर्सिटींत वच म्हूण. पूण सगली रात कितें म्हूण सारप. युनिवर्सिटी गेस्ट हाऊसांतली वेवस्था शुक्राराच्यान केल्या म्हूण आयोजकांनी आदींच तर कळयिल्लें.

दिल्लींतल्या रिक्षा टॅक्सीचेर पातयेवपाचें ना म्हूण बायलेन पयलींच ताका शिटकायिल्ल्यान ताणें बॅग उकल्ली आनी तो चलत भायर सरलो. लागीं आशिल्ल्या पांच स हॉटेलांनी ताणें चवकशी केली. सगलीं म्हारगीं. तांतल्या तातूंत सुमारशा एका हॉटेलान सांगिल्लें भाडें कमी आशिल्ल्यान आनी सोदीत भोंवपाचें त्राण उरूंक नाशिल्ल्यान तो थंयच रावलो.

सेमिनार शुक्रारा सांजच्या चाराक सुरू जावपाचो. रातची न्हीद काडून सकाळीं भायर एक पासय मारली. युनिवर्सिटी कडेन वचपाक टॅक्सीन अडेचशीं सांगले. रिक्षान साठ सुमार जातले म्हूण सांगलें आनी बसीची तिकेट साडेपांच रुपया म्हूण कळ्ळें. बसीचो नंबर बी घेवन डॉ. ज्ञानवर्धन हॉटेलांत परतलो. हॉटेलाचो चेकिंग आउट टाइम विचारल्यार बारांचो म्हूण कळ्ळें. हॉटेलान तिनशीं रुपये घेतिल्ले. बारा वरां मेरेन रावन भाडें पुराय वाशीत करुंया हे चिंतून बरो न्हालो आनी सेमीनारीचो पेपर वाचीत बसलो. बायल सदांच म्हणटाली दुडू मोडप सोंपें. ताचें मोल वाशील करून घेवपाक कळूंक जाय. ज्ञानवर्धनम बारांक येवन बस स्टॉपार राविल्लो. दोन बसी गेल्यो. दोनूय भरून. एकल्यान सांगलें - 'मिस्टर, तूं बस डेपोंत गेल्यार बरो. थंयच बस भरून येता. डेपो सामको लागींच आसा.' बायलेन हरशीं सांगिल्लें वाटेर कोणेंय फुकट लेगीत सल्लो दिल्यार घेवं नाका म्हूण. पूण हो मनीस तसो वायटसो दिसलो ना. ज्ञानवर्धनम धा बारा मिण्टां चलून बस डेपो कडेन गेलो. बस धरतासर अर्दवर गेलें. वरभर प्रवास करून युनिवर्सिटी कडेन देंवलो. सोशोलॉजी डिपार्टमेंटा कडेन पावलो तेन्नाच थंयचो हेड ऑफ द डिपार्टमेंट डॉ. अरोरा भायर सरतालो. ''डॉ. ज्ञानवर्धनम ऑफ मद्रास युनिवर्सिटी'' ताणें आपणाली वळख करून दिली.

''सॉरी प्रोफेसर! यू आर लिटल लेट. आमचें गेस्ट हाउस पुराय भरलें. इन फॅक्ट. तुमची आमी बारा मेरेन वाट पळयली. आतांच निमणो रूम अलोट केलो. इफ यू डॉण्ट माइण्ड, हॉस्टेलांत जागो आसा थंय तुमची वेवस्था करतां. प्लीज बेअर विथ अस.''

डॉ. अरोराल्या गोड उलोवण्यान प्रभावीत जाल्लो डॉ. ज्ञानवर्धनम अरोरान सांगाताक दिल्ल्या प्युना बरोबर पांय ओडीत हॉस्टेलांतले ते कुर्डीत आयलो. पळय जाल्यार थंय पयलींच दुसरो कोण तरी सुस्त न्हिदिल्लो. डॉ. ज्ञानवर्धनाक पळोवन तो ताकतिकेन उठलो.

''हॅलो. आय ॲम देसाय - विक्रम देसाय ऑफ बॉम्बे.'' ताणें हात फुडें केलो. आपली वळख सांगून सामान दवरून डॉ. ज्ञानवर्धनान कुडीचो नियाळ घेतलो. दोन लोखणाच्यो खाटी, एक मेज, एक कदेल, एक बल्ब आनी

वयर एक फॅन.

''टॉयलेट?'' ताणें देसायाक विचारलें.

''टॉयलेट भायल्यान. चड पयस ना.''

आतां मात ज्ञानवर्धनम वितरागलो. बायलेन सांगिल्लेंच- मुर्वतीक लागून फाटीं रावता तो शेणटा. झगडटा ताका मेळटा.

डॉ. अरोराक आपणे स्पश्टच सांगपाचे. चुकलेंच म्हजें. तो आपल्या घरा वचून आरामांत आसतलो. म्हाका मात हांगा सोडला तळमळे काडपाक!

ज्ञानवर्धनम तिडकून उठलो. डायरे वयल्यान डॉ. अरोराचो घरचो फोन नंबर घेतलो आनी भायर पे फोनाचेर वचून ताणें नंबर घुंवडायलो. आवाजांत जाता तितली तिखसाण हाडून ताणें हॉस्टेलांतली ही कूड रावपाक कशी अयोग्य तें सांगलें. डॉ. अरोरान शांतपणान आयकून घेतलें आनी ज्ञानवर्धनमाच्या मता कडेन सहमत जावन सहानभुतीपुर्वेक म्हणलें - ''लूक प्रोफेसर ज्ञानवर्धनम, आमी तुमकां आदीं कळीत केल्लेप्रमाण दनपारां बारां मेरेन तुमची वाट पळयली. उपरांतच आगांतूक आयिल्ल्याक रूम अलोट केले. आता काय तांकां भायर काडूंक मेळना. तुमच्यांनी जाय जाल्यार हॉस्टेल सोडून भायर हॉटेलांत रावं येता. तुमकां नेमा प्रमाण रावपाचो भत्तो आमच्यांनी दिवंयेता... आय लीव इट टू यू.'' आनी ताणें फोन दवरलो. भत्तो दितले खंय! कितलो शंबर रुपये मूं? आनी तितल्यान हॉटेलाचें भाडें सुट्टलें? तरिकूय सवायशा हॉटेलांत रावं येतालें. पूण बायल म्हणटा - गरज नाशिल्ली वस्त सवाय म्हूण घेतल्यारूय ती म्हारगच. काल आनी तिणे प्लॅटफॉर्मार वेळ सार म्हणिल्लें आसतनाय आपूण हॉटेलांत राविल्लों. आनी आनी नाका सायबा अशें म्हणीत आनी सगल्यो पनवती आपणाकच कित्याक लागच्यो हाजें अजाप करीत डॉ. ज्ञानवर्धनम परतून हॉस्टेलांत आयलो. तिपेटीन दुडू खर्चुनूय एसी चेअर मेळिल्ली ती मोडकरी. ज्युस्त मोडिल्लो सिटूच आपणाक कित्याक मेळ्ळो? गाडी आठ वरां पयलीं पावनूय हांवच लेट कित्याक जावंचो? नशीब! बायल मात म्हणटाली - चूक म्हजीच म्हूण.

भायर सरपाक वरभर आसा तो मेरेन मातसो आड पडचें म्हूण शर्ट काडून डॉ. ज्ञानवर्धनम आड पडलो. पळय जाल्यार उशें ना. तो उशें सोदता तें पळोवन देसायान सांगलें -''देअर वॉज नो पिलो ऑन दॅट बेड.''

''हीय चूक म्हजीच?'' बायलेक उद्देशून मनांतल्या मनांत म्हूण येवजिल्लें सट्ट करून तोंडांतसून सुटलें.

''सॉरी सर! म्हगेलें घे.'' देसायान म्हणलें.

''नाका, नाका. आसूं.'' ज्ञानवर्धनमान म्हणलें. म्हणसर देसायान आपणालें बॅग उकतें केलें. आनी भितरल्यान एक एअर पिलो भायर काडली. गुड्डी काडून वारें भरलें आनी ज्ञानवर्धनमा कडेन दिवन म्हणलें, ''हे घे. म्हगेलें प्रवासांतलें उशें. वापर, सर!''

उशें बरें मोव मोव आसलें. परतीच्या प्रवासाक ताणें थ्री टायर बर्थ रिझर्व केल्लो. तेन्ना अशें उशें आसल्यार न्हीद बरी पडूं येता. ज्ञानवर्धनमाक उशें खुब्ब मानवलें. अशें एक उशें घेवपाक जाय, ताणें येवजिलें. पूण बायलेन सांगिल्लें - ''दिल्लींत कांय एक विकतें घेवं नाका. साडी लेगीत नाका आं!'' पूण उशें घेवं नाका म्हूण खंय म्हणिल्लें?

''असल्या उशाक कितले पडटात. मि. देसाय?'' ताणें अदमास घेवपाक विचारलें.

''पोरूं घेतिल्लें तेन्ना साठ रुपयें पडिल्लें. आतां वाडल्यात आसतलें.'' देसायान सांगलें.

साठां परस चड पडल्यार घेवप ना - ज्ञानवर्धनमान मनांतल्या मनांत गांठ मारली.

सेमिनाराचें उक्तावण आनी उपरांतचें सेशन सोंपतासर साडे सात वरां जावन गेली. कार्यावळ, जेवण, रावप सगली वेवस्था कॅम्पसांतच आशिल्ल्यान कोणाकच ताकतीक नासली. ग्रुपाग्रुपान गजाली मारीत सगले डायनिंग हॉला कडेन गेले. देसाया बराबर दिल्लींतलोच एक लेक्चरर आशिल्लो. देसायान ताका दिल्लींत शॉपिंग करपाक खंयशें बरें तें विचारलें.

''चांदनी चौक आनी करोल बाग. वाटपण मात करूंक जाय. शंबरांची वस्त सरळ पन्नासाक मागपाची. मागीर साठ सत्तरांक मेळटा.'' दिल्लीवाल्यान देसायाक म्हायती दिली.

ज्ञानवर्धनमाक उशें कुचकुचूंक लागले. मनांत आयिल्लें ताका विचारचें. तसलीं उशीं खंय मेळटलीं काय म्हण. पूण तितल्यान ताणेंच सांगलें - ''हांगा पीन धरून प्लेन मेरेन कसलीय वस्त मेळटा. फकत सोदीत भोंवपाक वेळ जाय आनी घेवपाची कळाशी जाणा जावंक जाय.''

''सर, तुमकां कितें घेवपाचें आसा? जाल्यार आमच्यांनी फाल्यां सांजचे वांगडाच वचूं येता.'' देसायान ज्ञानवर्धनमाक म्हळें.

ज्ञानवर्धनम सट करून 'या' म्हणपाक वतालो. पूण तितल्यान उगडास जालो. बायल सदांच म्हणटाली - 'खरेदीक एकल्यानच वचचें. वांगडा तिसरो मनीस आसतकीर वाटपणां करूंक मेळना.'

''ना. म्हाका कांयच घेवपाचें ना.'' ज्ञानवर्धनमान सांगलें.

वचून पळय जाल्यार जेवणाच्या मेजा कडेन व्हडली लायन लागल्या. गजालींनी घुसपल्ल्यान वेळ कळ्ळोच ना. बायलेन सांगिल्लेंच - धा जाणां खातीर जेवण आसता तेन्ना आपणे पयलीं जेवन घेवपाचें. नाजाल्यार मागीर स्वीट डिश सोंपता आनी निमाणें राविल्ले फटवतात. आनी तशेंच जालें. आयसक्रीम सोंपलें. आनी फ्रूट सॅलडाच्या पोंदचो गाळ खावन भागोवचें पडलें.

हॉस्टेलाचेर परततनां प्रोफेसर मूर्ती मेळ्ळो. खूब सिनिअर प्रोफेसर. असल्यांच्यो वळखी दाट आसल्यार फाटीं फुडें उपकरा पडटात. प्रोफेसरान विचारलें - ''ज्ञानवर्धनम, हांव सकाळीं सिटींत खरेदीक वचपाचो आसा. वूड यू लाइक टू ज्यॉयन मी? भायले भायर आमी कॉन्फरन्स हॉलांत परतुंया.''

बायलेन सांगिल्लें खरेदीक कोणा वांगडा वच्चें न्हय. पूण खरेदी तो करतलो.आपूण सांगाताक वतलों. म्हणटकच ताणें 'आं' म्हळें.

थारायिल्ले प्रमाणे ते सकाळीं साडेआठांक भायर सरले. मुर्ती सिनिअर आनी कामूय तागेलेंच म्हणटकीच ताणेंच तिकेट काडली. जयललिता खांद्यार घालता तसल्यो दोन शाली घेवपाक मुर्तीन सत्तर मिणटां घेतलीं. थंयच्यान बुकशॉपांत वचून दोन पुस्तकां घेतलीं. थंयच्यान नातवा खातीर इलेक्ट्रॉनीक टॉय घेवपाक भोंवलो. आनी बारका फाटल्यान

पनेळ कसो डॉ. ज्ञानवर्धनम पांय ओडींत गेलो. टॉय घेतलें बी. आनी पळय जाल्यार मुर्तीले पयशे सोंपले.

''ज्ञानवर्धनम, वूड यू लेंड मी एटीन रुपीस?'' ज्ञानवर्धनमान मोन्यांनी वयले अठरा रुपये फारीक केले.

येतनां सामानूय आशिल्लें. ते भायर कळावूय जाल्लो. म्हणटकीर प्रो. मुर्तीन रिक्षा केली. आनी तागेले पयशे सोंपिल्ल्यान रिक्षाचें बील ज्ञानवर्धनमाकच दिवचें पडलें.

वितरागून ज्ञानवर्धनम कुशीकसो एकलोच बसलो. फाल्यां परतून घरा वचपाक भायर सरपाचें. हे खेंपेक मेल गाडयेची थ्री टायर तिकेट काडल्या. कुशन आसल्यार बरें. नाजाल्यार न्हीद पडपाची ना. तसलें वारें भरपाचें उशें आसल्यार न्हीद तरी बरी पडटली. सांजे वचून घेवपाचें मतींत थारावन ज्ञानवर्धनमान लक्ष सेमिनारांत घालें.

मदल्या वेळार टिए डिएचे उपचार आटापून सेमिनार सोंपना फुडें सगलेच खंय खंय वचपाक भायर सरले. देसाय त्या दिल्लीवाल्याक घेवन बेगीनच भायर सरलो.

''सर, आमी करोलबाग वचून येतात. आठ साडेआठ मेरेन परततले. तुमी हांगाच आसतले जाल्यार रुमाची चावी तुमचे कडेन आसुंदी...'' अशें म्हणून देसाय गेलो. तो करोल बाग गेला म्हणटकीर ज्ञानवर्धनमान चांदनी चौकांत वचपाचें थारायलें.

बायलेन सांगिल्लेंच - दिल्ली सारक्या शारांत रिक्षा परस बस सुरक्षीत. चौगां मदीं उरता ताका भंय नासता. रिक्षावाल्यांचो नेम ना. ज्ञानवर्धनम दोन बसी बदलून चांदनी चौक पावता म्हणसर स जावन गेलीं. केदो व्हडलो बाजार. तरेकवार वस्ती आनी घेऽ खेट लोकांची. पळयिल्ली वस्त घेन दिसताली. जोतीं, पर्सी, कपडे मुस्तायकी. प्रत्येक कडेन ज्ञानवर्धनम रावतालो. मोल विचारतालो. अनमनतालो आनी फुडें वतालो. बायलेन स्पश्ट सांगिल्ले - नाका आशिल्ली वस्त सवाय मेळ्ळी जाल्यारूय ती म्हारगच पडटा.

सगल्यो वस्ती मांडिल्ल्यो पळयल्यो पूण उशी खंयच दिसलीं नात. आतां आपूण वाट शेणलों अशें येवजितासतनाच ताजी नदर एका गाड्याचेर गेली. उशीच उशीं मांडिल्लीं. सारकीं देसायां कडेन आसात तसलीं. ज्ञानवर्धनम थंय गेलो.

''कौनसा भी उठाओ, साब सस्ता है - सिर्फ नब्बे रुपये.''

नब्बे? ज्ञानवर्धनमाली हिन्दी सामकीच हरवी. ताणें इंग्लीशींत विचारलें, ''हाऊ मच?''

''नायन्टी, साब सस्ता है, ले लो'' अशें म्हूण ताणें एक उशें काडून तो वारें फुलोवपाक लागलो.

ज्ञानवर्धनमय शिटकावलो. दिल्लीच्या त्या लेक्चररान सांगिल्लें खंयचीय वस्त अर्दमोलाक मागची म्हूण.

''नो. तो फोर्टीफायव.''

आनी मागीर वाटपण करतां करतां विकरेकार साठांचेर आयलो. पूण ज्ञानवर्धनम पन्नासांक दसून रावलो. निमाणे वीस मिणटांच्या वाटपणां उपरांत ५५ चेर उशें सा जालें. तरिकूय दुडू फारीक करचे पयलीं ज्ञानवर्धनमान उशें आरतें परतें तपासून पळयलें. खंयूय दाग आसा वा फूट आसा जाल्यार पळयलें.

''साब, हांव वारें भरून दितां. गेलें जाल्यार केन्नाय परतें हाड. हांव हांगाच आसां'' विकरेकारान भरवंसो दिलो. आनी वारें भरून उशें ज्ञानवर्धनमाच्या हातांत दिलें.

कल्पना वायटशी न्हय. बायल सदांच म्हणटाली - परकी कडेन कसलीय वस्त घेतल्यार रोखडी पारखून घेवंची. नाजाल्यार तक्रार करूंक मेळना. 'वारें मातशें लेगीत उणें जाल्यार फाल्यां परतें हाडटलों आं!' म्हूण सांगून ज्ञानवर्धनमान ५५ रुपये मेजून दिले. पूण वाटेर ते फुलयिल्लें उशें परतून परतून निस्टुपाक लागलें. एक फावट तर ते उशें सांबाळटना एके बायलेक धक्को लागलो. जाल्यार ती तिडकली. प्लास्टिकाची पिशवी आशिल्ली जाल्यार पिशवेंत तरी घालून धरपाक मेळटासलें. ज्ञानवर्धनम पिशवी सोदपाक लागलो.

इतल्यान ताका फुटपाथाचेरूच मांडिल्लीं बॅगां दिश्टी पडलीं. व्हीआयपी टायप सुटकेसी, रेक्झीनचीं तरेकवार प्रवासी बॅगां, व्हीलस् लायिल्लीं व्हडली बॅगां... तो पळयता थंय आसा. विकरेकार धांवट आयलो, ''सर, बॅगां घे. सवाय आसात. एक्स्पोर्ट क्वालिटीचीं हीं. ऑर्डर कॅन्सल जाल्ल्यान सवाय भितर विकरेक काडल्यात. १५० धरुन पांचशीं मेरेन आसात. हीच भायर घेतल्यार पांचशीं धरून तीन हजार पडटात.''

''देडशांची खंयची दाखय पळोवंया!'' ज्ञानवर्धनमाली जिज्ञासा जागी जाली. विकरेकारान दाखयिल्ली बॅग म्हणल्यार बरी दिसपी धाकलीशी सुटकेस आसली. असलीच सुटकेस पोरूं चेन्नायेंत तागेले बायलेन घेतिल्ली तिका साडे चारशें रुपये पडिल्लें.

''ले लो साब'' विकरेकार ताच्या हातांत दिवपाक लागलो.

''नाका. नाका. म्हाका सादी पिशवी जाय हें उशें घालपाक. खंय मेळटली?'' ज्ञानवर्धनमान ताकाच विचारलें. विकरेकारान कळाव लायलो ना. उशें ओडलें आनी सुटकेसींत भरलें. ज्युस्त बसलें. वायटशें जालें ना. बॅगूय बरें आसा. पूण ताणे 'नाका' म्हणल्यार विकरेकार 'माग तूं' म्हणून फाटीक लागलो. ताका उगडास जालो अर्दमोलाक मागपाचें. पाउणशांक मागलें आनी ताणें व्हर म्हणलें जाल्यार?

''साठांक जाल्यार दी.'' ताणे मागली. विकरेकार शंबरांचेर आयलो. आनी देंवत देंवत निमाणें ऐंशांचेर आयलो. लुकसाण करून विकता म्हणलें. ज्ञानवर्धनमाक ताची काकुळट दिसली. पूण तरिकूय ताणें म्हणलें 'सत्तरांक जाल्यार दी. नाजाल्यार वतां.' आनी अजाप ताणें रडत रडत पूण व्हर म्हळें.

बॅगेंत उशें घालून बॅग घेवन ज्ञानवर्धन बस स्टॉपाचेर आयलो. पळय जाल्यार घे म्हूण गर्दी. तशांतूच तागेलो नंबर येतकीर वयर सरपाक लागल्यार कंडक्टरान ताका देंवयलो. सुटकेस घेवन बसींत चडूंक मेळचें ना म्हूण.

आठ जालीं. देसाय ते वटेन रावता आसतलो.

वितरागून ज्ञानवर्धनमान रिक्षा केली. सकाळीं लेगीत रिक्षान मिटरा प्रमाण पस्तीस रुपये घेतिल्लें. आतां रिक्षा मिटरा प्रमाण घेवपाक तयार नासली. साठ रुपये दिता

(पान २१ चेर)

फाटीकणो, भावार्थाचो!!!

ब्रॉन्डा मिनेझीस

'हॅपी किड्स' शाळेचे रिक्रियेशन हॉल भरून ओंततालें. हांव तिसरे वळींत बसून आसलें. कार्यावळींतले तीन आयटमस सोंपिल्ले. हॉलांत हल्को बोवाळ चलतालो. अकस्मात सगलें शांत जालें...

अजीब दास्ता है ये
कहाँ शुरू कहाँ खतम
ये मंजीलें है कौनसी
न वो समझ सके ना हम...

माचयेर व्हीलचेराचेर बशिल्ल्या त्या माणकुल्या गायिकेचे मधूर गोड आवाज पुराय हॉलभर गाजलो. उरिल्लें गीत आयकूंक म्हजे कान बंद जाले आनी यादींचे दार मनांत उगडलें...

म्हज्या लग्ना पयलींच्यान फिलॉमेन आमच्या घरांत कामाक आशिल्लें. आमचें काम सोंपतांच ते कोस्तांव भाटकारागेर वतालें. फिलॉमेनाक एकटोच पूत आसलो. ताचो घरकार साऱ्याचे कंपनींत नोकरी करतालो. एका दिसा कामार आसतना लायटीचो शॉक येवन थंयच ताका मरण आयलें. आनी फिलॉमेनाचेर दुःखाचो आनी अडचण्याचो दोंगर कोसळ्ळो कंपनींतल्यान कितें मेळिल्लें तें ताणें पुताच्या शिक्षणा खातीर सांबाळून दवरलें. आनी दिसपट्टो जोडूंक आपले हात झरोवंक सुरू केलें. घरकाराच्या मरणा उपरांत एका म्हयन्यान ताणें आमच्या घरांत सुरू केल्लें काम, ताका नात जायसर चालू उरलें. डॅन्जील ताच्या पुतान, 'बी.कॉम' मेरेन शिकप केलें आनी बारीक सारीक नोकऱ्यो करूंक लागलो. पूण त्या पगाराचेर ताचो फुडलो संसार चलचो नासलो. आपल्या पुताक एका बऱ्या ऑफिसांत नोकरी मेळची म्हूण फिलॉमेन आस्त बाळगून आसलें. कॉस्तांव भाटकाराचो व्हडलो पूत, लाझारूस एके खासगी कंपनीचो 'चॅयरमेन' आसलो. त्या घरांतूय फिलॉमेनाक मान आसलो. म्हणून हांवें ताका म्हणलें, ''फिलॉमेन, लाझारूस बाबाक तुज्या पुताची खबर कित्याक सांगिना? तो व्हडले झुटयेर आसा. कितें तरी वाट काडटलो विचारूंक कितें जालां? यत्न तरी कर न्ही.'' ताका म्हजी सुचोवणी मानली आनी आपूण ताचे कडेन उलयतलें म्हणून म्हाका उतर दिलें.

लाझारूसान आपले वळखीन ताका क्लॅरीकर असिस्टंटाची नोकरी मेळोवन दिली. फिलॉमेन खूब खोशी जालें. ताका आपलो पूत दोळ्यां भायर गेल्लो नाका आशिल्लो. ''मम्मी, आतां हांव जोडटां, तूं खूब थकल्या. आतां तूं विसव घे. पुरो काम केलां तें.'' तो ताका आग्रो करीत रावलो. पूण फिलॉमेनान ताका जबाब दिलो, ''बाबा, म्हज्यान जाता तो मेरेन हांव हात-पांय झरयतलें. तुका फुडार आसा. घरच्या खर्चांत म्हाका तुजी मजत नाका. तुजो पगार तूं सांबाळ. सांगातीण हाडून हे घर भुरग्यां बाळांनीं भर. म्हजो जीव आसतना म्हाका हें सूख पळोवंक दी.'' डॅन्जील फुडें आनीक कितें उलयतलो आसलो? फिलॉमेन सांगताले तातूंतय सत आशिल्लें. तीन वर्सां सरल्या उपरांत डॅन्जीलाक प्रोमोशन मेळून तो दुसऱ्या फांट्यांत ट्रान्सफर जालो. नव्या जाग्यार शितला कडेन ताची आमीजाद जाली. दीस, म्हयने सरून वतात तशे ही आमीजाद मोगांत रुपान्तर जाली. डॅन्जीलान ही खबर आवयच्या कानार घातली. ''बाबा तुजेर खर विस्वास आसा रे म्हजो. चेडवांचे गूण. तुज्या दोळ्यांत भरल्यात आसतले, अशें हांव मानतां. देखूनच तुवें ताका आपणायलां. पूण तें हिन्दू. क्रिस्तांव जावं राजी जातलें?'' सुस्कारून फिलॉमेनान विचार केला. पूण, डॅन्जीलाच्या मोनेपणान ताका कितें सांगपाचें तें सांगलें.

दुसऱ्या दिसा शेनवार आशिल्ल्यान हांव घरा आसलें. फिलॉमेनान, सोमतोच मुद्दयाक हात घालीत म्हाका म्हणलें, ''बाय म्हजें एक काम तुवें करूंक जाय. तुजें एकट्याचेंच तो आयकतलो.''

''कोणाची खबर करताय तूं?'' हांवें मदींच जाप घाली. दुःखी आवाजान ताणें सांगूंक सुरवात केली. ''बाय कालूच म्हाका डॅन्जीलान आपले व्हकलेची खबर सांगल्या.''

''अरे वाह! आमचो डॅन्जील केन्ना न्हंवरो

जालो ताचो पत्तोच लागूंक ना मगो म्हाका. परबीं बाये परबीं...! आनी ही बरी खबर तूं खुशालयकायेन सांगपाची सोडून, इल्लेंशें तोंड करून सांगता? पिशें खंयचें. सांग म्हाका कोण तें आनी कितें करतां.?'' हांव उतावीळ जावन उलयलें.

''ताचेर म्हजो विस्वास आसा गो. ताणें आपल्या नव्या ऑफिसांतलें चली विंचून काडलां.''

''आगो, मागीर बरेंच जालें तर. सिर्वीस करपी सांगातीण आसतना ताचींय भुजां घट जातली.'' फिलॉमेनाक मदींच थांबोवन हांवें जाप घातली. ''बाय सगलें खरें गो. आनी त्या चेडवाचे गुणूय बरे आसतले हातूंत दुबाव ना. पूण... पूण... पूण ते हिन्दू. उपकार करून डॅन्जीलाक, ताका क्रिस्तांव करूंक सांग. एकूच म्हजेर उपकार कर.''

खिणाक म्हजें तोंड बंद जालें. जात-कात, धर्म असले भेदभाव हांव मानपी न्हय. सगले धर्म एकूच. आनी सगल्या धर्माचे रस्ते एकूच देवा कडेन आमकां पावयतात अशें हांव मानीत आयलां.

हांवें थंडसाणेन फिलॉमेनाक समजावपाचो यत्न केलो. ताका हांवें सांगलें, ''कसली गरज आसा धर्मांतर करपाची? ताका आपलो धर्म पाळूं दी... तुमी तुमचो पाळात. हीं असलीं पिशेपणां सोडून दी. तुज्या पुताक परवानगी दी, खोशेन सुनेक येवकार दी. सगलें सारकें जातलें. तुज्या पुताचेर भरवंसो आसा मगो तुका? मागीर? आजूच ताका चिंतना मेकळो कर.'' म्हजें उतर तें मानून घेतलें हाची म्हाका खात्री आसली.

''धर्म बदलचें ना.' ह्या आश्वासनाचेर शितलाचीं आवय बापूय डॅन्जीलाक स्विकारूंक राजी जालीं. शितलाक आपले मम्मीक दाखोवंक डॅन्जीलान एका आयताराक घरा हाडलें. आनी म्हाकाय आपोवन व्हेलें. फावो तसली ताका सांगातीण मेळ्ळ्या हाची खात्री फिलॉमेनाक आनी म्हाकाय जाली. हांव भार सरताना फिलॉमेन म्हाका पावोवंक आंगणांत आयलें. हांवें ताका सांगलें, ''चड वेळ काडू नाका. ताच्या घरच्यांक मेळ आनी फुडले तयारेक लाग. आमी आसाच तुजे बरोबर, भियेवं नाका.' फिलॉमेनाच्या तोंडार खोशी पळोवन हांव हुस्क्या मेकळें घरा येवंक भायर सरलें.

तांचे लग्न जावन सुमार देड वर्सांन शीतलाक दीस गेले आनी खोशेन भरून फिलॉमेन भुरग्याक येवकारचे तयारेक लागलें. आठ म्हयने भरचे पयलींच उदक वचूंक लागिल्ल्यान शितलाक हॉस्पिटलांत दाखल केलें. एमरजन्सी आशिल्ल्यान सिजेरीयन करचें पडलें. तांकां गोरे पिट्ट चली जल्मलें. नर्सीन भायर येवन ताका बरी खबर दिली. पूण भितर मात दुसरेंच वातावरण तयार जाल्लें. दोतोर आनी नर्सी आपले भितर उलयताल्यो. दोतोरान ल्हव आवाजांत नर्सीक म्हणलें, ''ओह गॉड! द बेबी हॅज स्पायना बिफीदा'' हीं उतरां पयसुल्ल्यान शितलाक आयकूंक आयली. पूण ताका कायच समजलें ना. तरूय, दोतोराचे 'ओ गॉड' हें उतर मात ताणें स्पश्ट आयकलें. भुरग्याक निवळ करूंक नर्सीच्या हातांत दिवन दोतोर भायर आयलो आनी डॅन्जीलाक आपल्या कॅबीनांत घेवन गेलो.

दोतोरान ताका परबीं दिलीं आनी फुडें उलोवन म्हणलें, ''डॅन्जील तुमचे धुवेच्या फाटीं कण्याक बुराक आसा आनी आंगांत आशिल्लें उदक जें मुतांतल्यान भायर सरूंक जाय ते परतून तकलेंत वता आनी तकली वाडटा. हाका 'स्पायना बिजीदा' अशें म्हण्टात. बेगीनाच्या बेगीन ताच्या फाटी कण्याचें ऑपरेशन करून 'स्टँड' बसोवन पायप घालूंक जाय. तेन्नाच ते उदक किडनींतल्यान मुता रुपान सकयल देंवतलें, ना जाल्यार तें मेंदवांत भरून वांचपाची शक्यताय भोवच कमी आसतली. कितें करुंया, सांग.''

डॅन्जीलाची तकली भेरेवन गेली. कितलोच वेळ ताचे ओंट दसूनच उरले. दोतोरान ताका परत तोच प्रस्न केलो आनी तेन्ना ताच्या तोंडांतल्यान उतरां सुटलीं. ताणें दोतोराक विचारलें, ''डॉक्टर हें ऑपरेशन केन्ना करपाचें?'' दोतोरान सांगलें, ''चोवीस वरां भितर. आनी ताची वाड जातां जातां, पायप ल्हान जातलें. तेन्ना परतून ऑपरेशन करून दुसरे पायप घालचें पडटलें, ताची नॉर्मल वाड जायसर. ते भायर ताच्या काळजाकूय धोको आसा. तशेंच 'ब्लॅडर' आनी 'बॉवेल फंक्शनांतूय' आडखळी येतल्यो. तें केन्नाच चलूंक शकचें ना.'' डॅन्जीलाच्या हड्ड्यार मुठींचेर मुठी पडूंक लागल्यो.

''शितलाक केन्ना भायर हाडटले डॉक्टर? ताका आनी मम्मीक विचारून सांगता तुका.'' डॅन्जीलान थरथरत्या आवाजान जाप दिली आनी खोशेच्या खिणांत दुःख मिसळून, बाविल्ले तोंड घेवन भायर आयलो.

सुमार दोन वरांनीं शितलाक रुमांत हाडलें. ताका खाटीर दवरून, लायिल्लो सर सारको करून नर्सी आनी सेवेंती भायर सरल्यो. फिलॉमेन आनी डॅन्जील भितर सरलीं. फिलॉमेनान सुनेक वेंग मारली. उपरांत डॅन्जीलान शितलाचो हात आपल्या हातांत घेतलो आनी ताच्या कपालाचो उमो घेतलो. ''बायेक कित्याक अजून भायर हाडूंक ना?'' म्हाका हाडून दाखयलें. आंज बोडवो कसो दिसता...'' थकिल्ल्या पूण उर्बेभरीत आवाजान शितलान सांगलें. डॅन्जीलान फटकिरो हांसो तोंडार खेळयत ताचें तोंड पोशेलें. 'चोवीस वरां भितर'... दोतोराची उतरां ताच्या कानांत वाजतालीं, काळींज पिंजताली. तातूंतली सुमार तीन वरां सरून गेल्लीं. कितें तें रोखडेच सांगूंक जाय आसलें. शितलाचे दोळे जड जाल्लें. ताका मातशी न्हीद लागली. फिलॉमेन आनी डॅन्जील शितल उठपाची वाट पळयतालीं.

एका वरान सुमार शितल उठलें. डॅन्जीलान ताचो हात आपल्या हातांत घेवन ताका म्हणले, ''पळय हांव कितें सांगतां तें सोसणीकायेन आयक.'' शितलाक दुबाव आशिल्ल्यान, दोळ्यांत दुकां हाडीत डॅन्जीलाक फुडें उलोवंक इशारो केलो. दोतोरान सांगिल्ली परिस्थिती शितलाक सांगतना ताचो आवाज जड जाल्लो. फिलॉमेन दोळ्यांक पदर लावन कदेलार बशिल्लें, ताचे पांय कडकडटालें. दोळे व्हांवताले. शितलान मोन्यांनी सगलें आयकून घेतलें. ताका घाम सुटलो. ओंठ सुकलें. पूण मनांतल्यान देवाक उलो केलो आनी डॅन्जीलाक म्हणलें, ''पळय कितें करपाचें तें एकदाच करूंक जाय. ते ऑपरेशन परत परत करपाचें जाल्यार कसलें हाल, कश्ट आमचे धुवेन सोंसचें पडटले ताचो हिशोब कर

(पान २१ चेर)

बोंबोयच्या मामाची पेट

वॅली क्वॉड्रोस

''मामाचे दोळे मामियेच्या मोम्यांचेर खंय' म्हळ्ळये सांगणे परीं तुजें कितेंया सकाळिंच सुरू जालें गिरा?''

कुजनांत ताक चाळून आसच्या रितान, भायल्या वोल्तेरार बसून दिसाळें वाचून आसले परिंच गुणगुणच्या पतीक दिल्ली जवाब कानांत पडल्लीच निकून दिसाळ्याचेर खंचल्लें तोंड उबें करून सांगलें;

''हांवें पेट न्हय गा मेट म्हळें. तुज्या कुंकडांनी येवन मेटार बेंजार म्हेळें कर्न जालें.''

''व्हय, कुंडल्यांत रांदून दिल्यार तें सकडांचें जाता, नावे तीं म्हजीं कुंकडां, म्हजीं गायरां, म्हज्यो बोकड्यो, न्हय?'' रिताच्या ताळ्यांत मात्सी शीण आसली.

''सक्कड म्हजेंच गा, तुंच म्हजें म्हणताना आतां तुजें सगळें म्हजेंच न्हय वे?''

''पुरो तुजे मसका भुरग्यांच्या कानार पडत तर...''

''आयच्या काळाचीं भुर्गीं आमच्याकी बुदवंत आसात गा... आयकल्यार कितें? बापायन आवय लागीं नासताना आनी कितें सेजार्नि लागीं अशें उलंवचें?... सांगल्ले परीं तुजो बोंबोयचो भाव सकाळीं उटून कंय गेला?''

''कोण्णा.. म्हाका कितेंय सांगुंक ना, गेलासतलो इश्टांक मेळुंक'' रीतान आपलो ताळो मोव केलो.

''सदांय म्हजे सांगाता बसून नीस-पेज जेंवचो आज निराळ्या पोटार गेला, मिसतेर कितें गा?''

''तो येतच तूंच ताचे लागीं विचार गा, तूं सकाळींच म्हजो मंडो खायनाका ''

निकू परत दिसाळें वाचून आसलो ताची दीश्ट दिसाळ्याचेर पर्गटून आयिल्ल्या जायरातीचेर आसली तो वोल्तेरांतलो उटून दिसाळें घेवन कुजनाक येवन म्हणालो;

आयकलेंय वे, मंगळुरांतल्या नव्याच शोरूमांत एक्सचेंज ऑफर कंय, पनीं टिवी दीवन एक व्हड टिवी हाडल्यार पन्नास ठक्को डिसकांवट कंय. अळेगा आमची टिवी सयत ल्हान, तांतूं म्याच पळेवंक मजा येना म्हणून भुर्गीं सांग्तात, आमी कित्याक...''

''देकूनच सांगलें हांवें... दऱ्यांत आसा मासो आनी आळेव वाटता पिसो म्हण. हांगा फेसता परबे वेळार म्हाका न्हेसुंक एक मऱ्यादेचें कापड हाडुंक तुजे लागीं दुमडी ना, आनी आतां व्हड टिवी कंय...'' रीता ताक चाळून आसले परिंच तापलें.

''अळेगा. शांतपणीं समजून घे तुजो बोंबोयचो भाव मन करीत तर जाता. तुका तो मांदतागा. तूं कशें पुणी ताका पुसलावन एक पावटीं ताची पेट उग्ती कर, तांतूं लिपवन दवरल्लें खजान आमकां आतां कामाक येना तर कितें फायदो?'' निकून अपली सुप्त आशा उचारलीच.

थोडो वेळ वोगेच रावून रितान जवाब दिली कोण जाणा, भुर्गीं सयत आयले वार उलवन आसलीं, 'माम पयलेंचे परीं ना, हासाना, आमकां पोकेट मनी दीना, कंजूस जाला' म्हण. तुंच कित्याक ताचे लागीं शीदा सांगिनांय? हेंय काम म्हज्याच गळ्यार कित्याक बांदताय.''

''मोगाचो भाव कोणाचोगा? तुजोने?'' निकून सयत चालाकेन रिताचेर आपली आशा थापली.

****

गांवच्या पटेला थावन मोलाक घेतल्लो 'देड एक्रो जागो तेगांय भुरग्यांक पुरो' हें चिंतप मिनती बाल्ताजर आनी सेल्लिचीं जाल्ल्यान तेगांय भुरग्यांक एक सार्कें व्हाडवन आतां तीं उतर प्रायेक पावल्लीं. बायल सेल्लिच्या नांवार आसच्या ह्या जाग्यांत थोडो नारल आनी पोपळां सोडल्यार दुस्री उत्पत्त नातली जाल्ल्यान हर म्हयन्याचो खर्च म्हणून पर्गांवांत घोळून आसचे भुर्गे धाडताले. म्हालगडो चारली गल्फांत आसलो, दुसरो उल्ली आनी तिस्रें रिता. चारली गल्फाक गेल्लोच एका गोंयकार चेडवा लागीं काजार जावन गल्फांतच आसलो. वुल्ली थंय हांगा भंवून अखेरीक बोंबोय काम करून आसलो. रीता घराच आसून आवय-बापायक पळेवन आसले परिंच पणबूरच्या निकूची सयरीक आयिल्लीच काजर जावन कुळाराच उरलें. तांकां एक चेर्को जाल्लोच बाल्ताजर सरलो.

मोर्ना वेळार गांवाक आयिल्लीं भुर्गीं मोर्नाक मातियेक पाववन पाटीं घरा येतच आवय सेल्लीक मदें बसवन उलवन आसलीं. भितरले भितर सगळ्यांकी एकामेकाचेर दुबाव आनी आशा. चारली सांग्तालो घर्चो सगळो खर्च आपणाचोच देकून ताची गोंयकार बायलेच्या मतिंत सयत हेंच भरलां. 'आमी कित्याक तांचो खर्च पळेंवचो? आतां सगळीं व्हड जाल्यांत, तांतांचो खर्च तिंतीं पळेंवदी'.

निकू पणबूरच्या नायत्यांसवें व्यार करून आसलो देकून तो चालाक मनीस. दोग पूत पर्गांवांत आसात म्हणतच आतां आवयची चाक्री कर्ची जवाबदारी तांच्यान घेवंक साध्य ना. देकून होच आवकास गळसून तो देड एक्रो जागो भितर घाल्चें चिंतप मतिंत आटवन तो आसलो. ''अळेगा, म्हजें घर-जागो सर्व आसूनयी, हांवें म्हज्या बायलेक तिच्या आवय-बापायच्या चाक्रेक म्हणून हांगा सोडलां, तुमी प्रायेसत आवयची जतन कर्श्यात तर हांव म्हज्या बायलेक घेवन पणबूर वेतां'' तापल्ल्या तेलाचेर सासंव फुटल्ले परीं तो फुटलो.

अखेरीक दोगयी पुतांनी घर्चो खर्च पळेंवचो निर्धार केलो तरयी मेजून तीन म्हयन्यांनी निकून आनी चारलीन जाग्या विशीं एकामेका तक्रार सुरू केलेच. गल्फांत आसच्या चारलिच्या बायलेन

वुल्लीक फोनार ही गजाल कळयली. वुल्ली रीता लागीं उलयताना रीताच्या दुकांचो कांट तुटलोच; ''दाट्टू, तुमी दोगयी सेटल जाल्यात. हांव म्हज्या दोगां भुरग्यांक घेवन खंय वेचें? देकून आमचो वांत्याचो जागो आतां आमच्या नांवार केल्यार कांय ब्यांकार लोन घेवन घर बांदूंक जाता न्हय?, आनी प्रायेसत आवय कितलो तेंप त्या पर्न्या घरांत जियेतेली?

वुल्लीक हें वार्जीक सार्कें म्हण दिसलें देकून चारलि लागीं उलवन ताणीं एकामेका समजून वयलो अर्धो एक्रो चारलीक, सकयलो अर्दो एक्रो वुल्लीक आनी मदलो अर्दो एक्रो रिताक म्हणून उलवणें जालें. वुल्लीक भुर्गी नांत देकून एका सांजेर निकून वुल्लिचेर खंत उचारलीच; 'बावोजे तुका भुर्गी नांत बाळां नांत, तुजोय जागो कित्याक आमच्याच जाग्याक मेळवंक न्हजो? आमी बरें कंपांवड बांदून राव्यां, थोडे दुकोर पोस्यां.''

''म्हाका जाग्याची आशा ना भावोजे. मांय जीव आसतासर जोणेंय वांट्या विशीं उलयनाये म्हणून आसलों. पूण आसूं, जांवचें जावन गेलां, मांय जीव आसतासर तो म्हजो अर्धो एक्रो जागो तसोच आसूं, उपरांत तांतलो अर्दो वांटो दाट्टूक दितां, अर्दो वांटो रीताक दितां. आसूं तीं पुणीं मोगान आसुंदीत.'' वुल्लिच्या तोंडांतलें आयकल्लें तितलेंच.

****

कांय थोडो तेंप उतरला. अवचीत बोंबोय आसच्या वुल्लीक रिताचें फोन आयलें, आनी उलवन जातच रीता म्हणालें; ''दट्टू, तुज्या उत्रा फर्माणें जाग्याचो अर्दो वांटो आमी आमच्या नांवार केला, दसतावेजां मेळ्ळीं देकून तुकां एक खबर सांग्यां म्हणून फोन केलो.''

आयकून वुल्लीक एकाथराचो दको बसलो. ''रिता, दाट्टूक ही खबर दिल्याय?''

''ना दट्टू, तुमिंच उलवन निर्धार केल्लो देकून ताची गर्ज म्हणून म्हाका दिसुंक ना'' रीता निरापरादी चिंत्पान उलयलें.

''रीता, हांवें फकत अर्दो एक्रो तुज्या नांवार करूंक सांगल्लें पूण तुवें अर्दो वांटोच तुज्या नांवार केलोय. आसूं, म्हाका तुजे तितली चालाकी ना, हांव पुणी आतां दाट्टूक खबर दितां''. वुल्लीन फोन बंद करून गल्फाच्या दाट्टूक मेसेज धाडली,''रीतान अर्दो वांटो ताच्या नांवार केला खंय, म्हाका आतांच खबर मेळ्ळी देकून तुका ती दितां.''

थोड्या दिसांनी दाट्टुची एक फूट लांबायेची मेसेज आयली, ''तुमकां हांवें कितें केलां म्हणून तुमी गुटान अशें केलें?...'' वाचून गेल्लेपरिंच वुल्लिच्या दोळ्यांतून थेंबे दुकां गळ्ळीं.

उपरांत सभार तेंप वुल्लि सवें कोणेंच संपर्क केलोना.

गपळास मात्र सोडचे शिवाय निकूक पणबूर जागो सोड, गांव भर लोकाक तोपी दवरून आतां बायलेच्या गांवांत जियेतालो. आनी गांवांत सयत भायल्यांक वेगीं मान मेळता न्हय?

थोड्या म्हयन्यांनी गल्फाथावन आयिल्ल्या चारलीन बाकिचो अर्दो वांटो आपल्या नांवार केलो. रीतान व्हड घर बांदलें. पूण घर-वोकलाक जांव कसल्याय संदर्भार जांव वुल्लीक आपवणेंच नातलें. हां! प्रायेसत आवयची भलायकी बरी ना, तिच्या वखदाक खर्च म्हळ्ळे संदेश जरूर धाडुंक विसर्नातलीं.

****

''बोंबोयचो माम आयला खंय, ह्ये पावटीं व्हड पेट घेवन आयला खंय.''

इसकोला थावन आयिल्ल्या भुरग्यांनी वाटेर आयकल्ली खबर घरा कळयतच निकूक वुल्लिचेर मोवाळाय चडली जायजय. आमकां न्हय तरयी, वाड्याच्या लोकाक पुणीं दाकयजय न्हय? पूण हकीगतेंत निकुच्या मतिंत वेगळेंच आसलें. पर्न्या घरांत जायतो सामान आसा तो वुल्लीन हाडल्लो वा वुल्लिच्या नांवार आसचो; फोन सयत वुल्लिच्याच नांवार आसलें देकून कशें पुणीं हें आपल्या नांवार करिजय म्हहणून आसलो.

''येदोळ पऱ्यांत प्लेनार येतालो खंय, होटेलांनी रावतालो कंय, बरो दुडू आसा ताचे लागीं, देकून कोणाकोणाक दितां खंय.''

तवळ तवळ निकून वोल्तेराचेर बसून निकून बायलेक सांगचें आसलें.

''ती अल्यूमियमाची व्हड पेट कांय प्लेनार येना म्हणून आतां बस्सार आयलासतलो'' रीतान सांगलें.

''पूण आतां खंय रावला तो?''

थोड्या दिसांनी घरा आयिल्ल्या वुल्लीक सर्भरायेन स्वागत चल्लो.

''भावोजे, म्हाका एक खबर सांगल्ली तर हांव एर पोर्टाक येतों तुकां घेवंक, केदाळा आयलोय?'' निकुचे सयलाप सुरू जालेच.

भावाक पळेतेच भयणिच्या दुकाचें कांटें तुटलेंच; दाट्टो, भयणीन घर बांदयलें देकून पर्कीं जालीं न्हय? तूं इतले पावटीं गांवाक येताय आनी होटेलांनी रावताय म्हणून आयकून काळजाक तोपल्ले परीं जालें, तुका सार्कें खाण मेळतागी नांगी म्हळ्ळी खंत म्हाका आसा दाट्टू. हें घरयी तुजेंच ने, देकून दयकर्न तूं तुजी पेट घेवन हांगा ये. वयल्या माळयेर तुका रांवुंक कूड सयत आमी बांदलां.

रीताचीं उत्रां आयकून वुल्लिचें काळीज मोवाळ्ळें. ''रडानाका रीता. हांव तुमकां वा कोणायकयी त्रास दीवंक आशेना, देकून होटेलांनी रावतालों. जायत फाल्यां हांव म्हजी पेट घेवन येतां.''

दुस्रे दिसा पेट घेवन आयिल्लो वुल्ली पयल्या माळयेच्या कुडांत दवर्न सकला आयिल्लोच भुर्गी 'माम अयला' म्हणून धांवून आयलीं. भुर्गी ल्हान आसताना बोंबोय थावन खावंक, खेळुंक वसतू हाडन येतालो पूण इतल्या तेंपा उपरांत आयल्यारी ह्ये पावटीं कितेंच ना तें पळेवन भुर्गी निरासलीं.

सांजेर रीता आनी वुल्ली एकामेका सूक-दूक वांटून घेंवचे वेळार वुल्लीन आपणाच्या रिटायर्ड जाल्ले विशीं आन बोंबोय सोडन आयिल्ले विशीं रिताक

कळयलें.

****

''माम येवन हफ्तो उतरला पूण मामाची पेट अजून उग्ती जावंक ना. तांतूं खंडीत कितेंगी मामान लिपयलां. दुडू आसत, भांगर आसत...'' निकू तवळ तवळ भुरग्यांक तुकलायतालो.

एका सांजेर भुरग्यांचें लिसांव कर्चे वेळार वुल्ली सोप्यार बसून वाचतालो आनी रितान दोगांय भुरग्यांक विचारलें; ''वुल्ली माम कोणाचो पुता? सांगा.. तांकां वुल्ली माम बोंबोय थावन गिफ्ट हाडता कंय, नातल्यार ताच्या पेटिंत आसचें दितां खंय.''

वुल्लीक पेटी विशीं उलंवचें आयकतच ताचे कान नीट जाले. तो कितेंच उलयलो ना. सांजेची आमोरी संपवन जेवन सगळीं निदलीं.

एका फांत्यार उटून वुल्ली सोप्यार बसून आसलो. रीता आनी निकू सकाळिंचें चलूंक म्हणून दोणप्या भायर गेल्लीं. नेणतें भुगें दोळे गश्टून भायर सोप्या लागीं आयलें आनी विचारि लागलें;

''मामा, तूं रातीं कंय नीदल्लोय?''

''वयल्या कुडांत नीदल्लों पुता कितें जालें?'' वुल्लीन सवाल केलें.

''वयलें कूड तुजें न्हय, तें आमच्या कामाच्या चेडवाचें ने?''

''ओह, व्हयगी पुता, तर हांवें कंय निदाजय आसलें?'' वुल्लीन पाटीं सवाल केलें.

''ओ थंय... टोमि लागीं'' म्हणून पेट्याच्या गुडा ते वशीन बोट दाकयलें मात्र.

****

सकाळ दनपार जालो, दनपार रात जाली पूण बोंबोयच्या मामाची खबरच नातली. खंय गेला, केदाळा येता म्हळ्ळो ताची कोणायकयी फिकीरच नातली. पूण आयलो तर टिवि विशीं शीदा विचारिजय म्हणून सगळीं राकून आसलीं.

पूण बोंबोयचो माम आयलोच ना.

पूण घर्च्या पयल्या माळयेर एक निर्जीव पर्नी बंध पेट मात्र अजून राकून आसली.

(पान १६ वयल्यान)

जाल्यार येता म्हणपाक लागली. निमाणें उपाय नासून तो रिक्षा घेवन आयलो.

साठे आठ वरां जाल्लीं. देसाय आनी तो दिल्लीवालो भायरूच उबे आशिल्लें. 'सॉरी' म्हणत ज्ञानवर्धनमान चावी काडली. देसायान खुबच खरेदी केल्ली. ज्ञानवर्धनमाच्या हातांतली बॅग पळोवन दिल्लीवाल्यान विचारलें, ''सर, बॅग खंय चांदनी चौकांत घेतली?''

''हय. सवाय मेळ्ळी म्हूण घेतली. कितले पडले आसतलें?''

''तिसां वयर फावनात तिका. सगलो पापेलांव. मातशें वजन घाल्यार हँडल हातांर येतलें.''

ज्ञानवर्धनमाले तोंड पडलें. बायलेचें रूप दोळ्यां सामकार आयलें. घरांत इतलीं बॅगा आसतना आनीक हाडलेंच कित्याक म्हूण तापयले बगर रावची ना. दिल्लीच्या इश्टान भेट दिली म्हूण सागप आतां.

''आनी हें उशें घेतलें हांवें. तुगेलें असलेंच. णव्वद सांगतालो कितल्याक घेतलें सांग?'' ज्ञानवर्धनमान सांगलें.

उशें हातांत घेवन तपासून पळयत देसायान म्हळें, ''म्हगेलें उशें डकबॅकचें, हें सादेशें दिसता न्हय?''

दिल्लीवाल्यान उशें हातांत घेवन पळयलें - ''आमचे दिल्लीवाले इमिटेशन करपांत हुशार सर. कितले पडले? पंचवीस काय तीस?''

''पंचविसांकच घेतलें.'' बायलेक कितें सांगपाचें ताची येसाय मारीत ज्ञानवर्धनम उलयलो.

संपर्क: ९४२२०५९५०९

(पान १८ वयल्यान)

आनी आमच्यान ते पळोवंक जातलें? मम्मी सांग गे, जातलें आमच्यान?''

फिलॉमेनान दोळ्यां वयलो पालव सकयल देंवयलो आनी शितलाक वेंग मारून ताचे पोले पोशेंत म्हणलें, ''म्हज्या बाय, ना गो. आमच्यान तें पळोवंक जावचें ना. पूण देवान दिल्ली ही गिरेस्तकाय आमकां जाय. दोतोराचें सांगणें आयकूंक नाका? काळजार फातर दवरून सोंसया.'' मम्मी सारकें तुजें. पूण देवाचेर आमचो खर भावार्थ आसा. देवाचेरूच पातयेवन आमी असलें कांयच करिनासतना ताका घरा व्हरूंया. डॅन्जील दोतोराक सांग पायप घाली नासतना कितें उपाय करूंक जाता ते कर म्हणून.''

डॅन्जीलान वचून दोतोराक आपली सुचोवणी केली. दोतोराक ती मानून घेवंची पडली आनी तांणी त्या माणकुल्याचो फाटी कण्याचो बुराक बंद करूंक दुसरे तरेचें एक ऑपरेशन केलें. धा दिसांनी डिस्चार्ज दितना, त्या निर्णयाचेर आवय बापायची सय घेवन आपले जबाबदारेंतल्यान दोतोर मेकळो जालो.

डॅन्जीलाच्या इश्टान आनीक एका दोतोराचें नांव सुचयलें. आपले धुवेक तांणी ताचे सरशीं व्हरून तपासलें ताचेर तांचो विश्वास बसलो. ताणें अपाली वखदां दिवन ताची काळजी घेतले म्हणून आश्वासन दिले. देवाचेर दवरिल्लो खोल भावार्थ आनी दोतोराच्या आश्वासनाचेर धाकटुलें सोनिया वाडूंक लागलें. शितलान तर हातावेल्या फोडाची जतनाय घेतात तशें आपल्या भुरग्याक सांबाळ्ळें. दोतोराच्या इलाजान सगलें जरी बरें आसलें तरूय पांय चलनासले. पूण तांणी ताची पर्वा करी नासतना, ताका हुशारकायेन जगपाक आदार दिलो.

आयज पयलेच फावट हांवें सोनियाक येदे व्हड माचयेर पळयलें. ते आपल्या इश्कोलांत अशें गावून इनामां जोडटा तशेंच पेंटींगात हुशार आसा हें हांवें फिलॉमेना कडल्यान आयकल्लें. पूण इतलो मधुर आवाज आनी आत्मविश्वास हांवें म्हज्या खुद्द दोळ्यांनी पळयतकीर, देवाच्यान जायना अशें कांयच ना हाची खात्री म्हाका जाली. सोनियाक बिलकूल 'स्टेज फियर' नासलो. ताचें गीत सोंपताच ताळ्यांचो गडगड पुराय हॉलांत दुमदुमलो. 'स्टेडींग ओवेशन' ताका मेळिल्लें. हॉलांत पुराय लोक उबो आसलो. पूण सोनिया मात लोकांच्या ताळ्यांतल्यान मेळिल्ले उर्बेन भिजत आपल्या व्हीलचेराचेरूच आसलें.

किजिलां आनी केस्तांवां

कृ. म. सुखठणकार

किजिलां आनी केस्तांवां म्हणजे कितें हें आमकां विस्कटावन सांगपाची गरज ना. किजिलां म्हणजेच केस्तांवां आनी केस्तांवां म्हणजेच किजिलां असो कोणेय शद्बकोश पळोवन अर्थ लाव येता. पूण तो अर्थ हे उतरांच्या सगळ्या तासांचेर उजवाड घालून तांकां न्याय दिवचोना. पिसांट हें उतर गोंयकारांक सामकें लागिचें कित्याक तें खबर ना. पिसांट हे उतराचो अर्थ असमंजस अविचारी असो शद्बकोश दिता. तो अर्थ वाचतकच हे उतराचेर कितलो अन्याय जाला म्हणपाचें हें उतराक लागीं आशिल्ल्यांकूच कळटलें. पिसांट हे उतराक खूब तासां आसात. 'नागवेकारालें पिसांट नटून थटून खंय चल्लें' अशें आई नागवेकाराले सुनेक उद्देशून म्हणटा तेन्ना ती अविचारी असमंजस म्हणून न्ही. नागवेकाराले सुनेक खंयच्या नगाचो कितलो मोडाव काडपाचो हो अभ्यास धरून आयचो बाजार भाव खबर आसता. नागवेकाराले सुनेन लग्न जाल्या बराबर वेगळें बिराड करपाचें थारायल्लें तेन्ना नागवेकारान 'नागवेकार ज्युवेलर्स, आमची कुठेही शाखा नाही' ह्या बोर्डा कडेन बोंट दाखयल्लें. सोड. सांगपाचे म्हणल्यार नागवेकाराली सून सामकी पक्की पुणून हीच सून जेन्ना आईक रामाचे देवळांत भर चौकार मोठ्मोठ्यान 'आगे सून आयलिना? सुनेचो हात लागना काय कितें?' असो प्रस्न विचारता तेन्ना गर्भकुडींतलो राम लेगीत आंग काडटा. पिसांट हे उतराक अशीं खूब तासां आसात. तीं शद्बकोशांत सोदल्यार मेळचीं ना. ती मनशांत सोदचीं पडटात. जशें हे उतराचें तशेंच बाकिचे उतरांचें.

किजिलां, केस्तांवां, झगडीं, झुजां हे उतरांचो शद्बकोश अर्थ कितेंय सांगू म्हजे मतान हे उतरां मदीं अर्थाचे नदरेन जमीन आसमानाचो फरक आसा. किजिलां जाणून भुजून करचीं पडटा. किजिलां करून मदींच सोडूंक मेळनात, तीं घरा मेरेन हाडचीं पडटात. आमच्या देवांनी लेगीत अशीं किजिलां खूब केल्यांत हाचे दाखले आमकां पुराणां बी उस्तिल्यार मेळटात. श्रीकृष्णाच्यो बाल अवस्थेंतल्यो लिला तुमी वाचल्यात आसतल्यो. बाळकृष्ण व्हडलो जावन पसून बाळकृष्णूच उरलो. ताका त्यो सगल्यो लिला ते नांवां खाला पचल्यो तें म्हत्वाचें. तर, हे बाळकृष्णाक ल्हानपणां पसून किजिलां घेवन घरा येवपाची संवंय. आतां ती वायट काय बरी ती म्हाका खबर ना. यशोदा मैया आनी तक्रारदार समेस्त गोकुळांतल्यो गवळणी ताचें कवतूक करतालीं. हो बाळकृष्ण गोकुळांतल्या सगल्या घरांनी वचून माखन खातालो आनी फातर मारून तांची मडकीं फोडटालो. सदां उठून घरा कडेन किजिलां घेवन येवप. होच अणभव मागीर पांडव आनी कौरवांचें पेटोवपाक ताका उपकारा पडलो. मागीर ताणें आमकां अठरा अध्यायांची गिता सांगलीं. सोड. करतां करतां ताचीं कवतुकां यशोदा मैयाकूच नडलीं. तो घरांतल्याच माखनाचेर हात मारपाक लागलो. यशोदेन ताका रंगे हात धरल्यार लेगीत 'मैया मोरी मैं नहीं माखन खायो'. तेन्नाय ताचें कवतूक जालें. तव्या वयलें एक सुंगट तोंडांत उडयल्यार लेगीत आईक ज्युस्त कळटालें आनी पानार मागीर तोंडांत उडयल्ल्या सुंगटांचो आंकडो वजा जावन सुंगटां पडटालीं. मैया मोरी मैं नहीं सुंगट खायो म्हणल्यार लेगीत! लाड जाल्ल्या कारणान घरा किजिलां हाडपाची बाळकृष्णाची संवंय तशीच उरली आनी कापास्दाद वाडली. तो न्हावंक गेल्ले कडेन गोपींचे कपडे लिपोवपाक लागलो. आनी तांकां ते व्हरपाक उदकांतल्यान भायर येवपाचें आमंत्रण दिवपाक लागलो. हें सगलें येवजुनूच आंगार कांटो सो येता. म्हजे आंगार कांटो आयलो देखून म्हजेय मनांत भगवान कृष्णाच्या पावलार पावल दवरून वचपाचो विचार आयलो अशें समजुचें न्ही. कांटो कोणाच्याय आंगार केन्नाय, कित्याकूय लागून येवं येता. आसूं. आमच्या रायबंदरा न्हावपा खातीर तळी ना आनी दर एकल्याचे घरांत मान्ने आसल्या कारणान सगळी जाणां मान्न्यांत न्हातात, तुमचे म्हायती खातीर. तें कित्याक, ही न्हांवक वतना खूब फावटीं आपले कपडे दाणयेर विसरता. हांव ते व्हरून हिका उलो मारुन दितां. ही मान्न्याच्या दारा आड रावन हात लांब करून ते घेता. असो हो सगलो प्रॉसेस. पूण केन्नाच म्हाका ते कपडे श्रीकृष्णा वरी लिपोवचे अशें मनांत आयलें ना कारण तें म्हजे रगतांतूच ना. आनी आतां कपडे लिपोवन कितें हाशील जावपा सारकें कांय उरूं ना. श्रीकृष्णान कपडे लिपोवन कितें केल्लें हाची झलक आमकां राज कपूरान 'संगम' ह्या सिनेम्यांत दाखयली. 'बोल राधा बोल' अशें म्हणत तो कितें करता तें आमी पळयलें. तें ताका सोबलें. तें पळयतनाय म्हजे आंगार असोच कांटो आयिल्लो. आसूं.

तर, म्हजे रगतांतूच अशें कितें करपाचें नाशिल्ल्यान हांवें केन्नाच घरा किजिलां हाडलीं ना. ही तुमचे खातीर अभिमानाची गजाल. म्हजी कालेत किजिलां बी करपाचीं न्हय. म्हजे आंगांत पाणी ना अशें आई हांवें हे भुंयेर पावल दवरलां त्या दिसा पासून म्हणत आसा. हांव पोटांत आसतना पिशवेंतलें पाणी कमी जाल्ल्यान ती अशी म्हणटा आसुंये. सोड, तो आमचो विशय न्ही. वयल्यान खंयूय किजिलांक तोंड फुटपाचें आसल्यार हांव पयलींच ताचेर उदक मारपाचें काम करतां. कृष्णा वरी तातूंत पेत्रोल घालिना. आमचे शाळेंत दत्ता किजिलेर. त्या भायर ताका रोखडें सट्टऽ जातालें. एक दीस रेखान ताका एकुणतीसाचो पाडो येना म्हणून जीब भायर काडून चाळयलो. दत्तान, 'अगं एकुणतीसाचा पाढा भुजंगरावांनी कधी उभ्या आयुष्यात तरी म्हटलं का गं?' अशें ताचे आंगार वचत म्हणलें. भुजंगरावाचें नांव वयर काडलें म्हणून रेखाच्या दोळ्यांत टच्चऽ करून पाणी आयलें. स्त्री वर्गाच्या दोळ्यांतलें पाणी हो म्हजो वीक पोंयट, तुमचे म्हायती खातीर.

''आरे भुजंगराव तुझ्या बरोबरचे का रे? ते पोश्टात मास्तर आहे व त्यांचा पागामेन्त पाटील गुरुजी परस ज्यास्त आहे ठाऊक आहे का तुला? श्यामची आई पुस्तक न वाचल्याचा हा परिणाम. रेखा हा दत्ता

आजच्या आज श्यामची आई वाचेल आनी लायनीवर येईल असं मी तुला वचन देतो. आता राहिला प्रश्ण भुजंगरावाचा. त्याना पाढा येतो की नाही हे तू तुझ्या मनाच्या समाधाना साठी विचारु शकते. तू त्यांच्या कडून एक ते तीस पाढे म्हणून घे. पुढच्या वेळेस दत्ताने हा प्रश्न परत उपस्थित केल्यास तू त्याला जाप देऊ शकतेस.''

अशें म्हणून हांवें तें प्रकरण थंयच मिटयलें. आज हे भुंयेर किजिलां मिटोवपी खूब कमी मेळटले. ही गजाल म्हजे सारकेल्याक अस्वस्थ करता. पावला पावलाक आज पेटोवन घालपीच मेळटात. आमगेली ही पेटोवन घालपा मदलीच. चवथी कडेन आमगेर मुंबयकारांचें आगमन जाता हें सगल्यांक खबर आसा. विघ्नहर्त्याचें विसर्जन जाय सर सगले पासिंयेंस काडटात. मागीर वर्स पद्धती प्रमाण वादाक तोंड फुट्टा. हांव, 'मीं ते सगळं जाग्यावर घालतो जाग्यावर घालतो' अशें म्हणून परिस्थिती आटापा हाडपाचो येत्न करतां. ही मात 'जाग्यावर घालतो जाग्यावर घालतो काय करता? जल्मात काही जाग्यावर घातलं का? विचारा सरळ काय विचारायचं ते! भिवू नकोस मी तुझ्या पाठीशी आहे' अशें म्हणून वातावरण सामकें स्फोटक करून उडयता.

''अगं विघ्नहर्त्याचे आताच विसर्जन झाले आहे. रिकाम्या घुमटी कडे बघून मन आधीच सुन्न झालेले आहे. त्यात तू भर घालू नकोस.''

अशें म्हणून हांव हिका गप्प करपाचो येत्न करतां.

''तुमच्या पाठीला कणाच नाही मग तुमच्या पाठीशी राहून फायदा काय!!''

अशें म्हणून ही मागीर बागुल्ल्यो उजरावपाक वता. विघ्नहर्त्याचें विसर्जन जातकच आमगेर वर्स पद्धती प्रमाण बांगुल्ल्यांची उडुमेथी आसता. निमण्या दिसाचें वरण, सार, आंबाड्यां उडुमेथी आमी फ्रिजांत दवरतात आनी मदीं मदीं भायर काडटात, तुमचे म्हायती खातीर.

वयर म्हणलां तशें म्हजे वरी समजुतकायेन घेवपी गोंयांत खूब कमी आसात. आमचे जाण्टेले एकमेकांचे घरार सुणी चडयताले. हें दर एकल्याचे घराण्याचो इतिहास काडल्यार आमकां कळटलें. तातूंत लज वा वायट दिसपाचें कांयच ना. त्या तेंपार दनपरां बारा वरांच्या कडार, घरचो कर्तो पुरूश त्रिबुनालार सावन घरा येतालो. आनी आपली ज्युदी तोपी खुटयाळ्याक लायतालो. तो कोणाचेर तरी केस घालुनूच घरा आयिल्लो आसतालो हें सांगपाक घाडी नाका. म्हज्या बापायले दिसपटयेंत 'Ele apresentou dezoito casos no tribunal e gravou seu nome na historia' अशी नोंद मेळटा. म्हज्या आज्यान त्या दिसा त्रिबुनालांत अठरा खटले दाखल करून आपले नांवाची इतिहासांत नोंद केली अशें म्हजो बापूय बरयता. ही नोंद गोंयचे सुटके आदीची आशिल्ल्यान ती पोर्तुगेजींत आसप सहाजीक. मागीरच्यो सगल्यो नोंदी मराठींत आसात. बापायन मत 'फुलाक' दिलें हें सालांत लायिल्ले भाऊसाहेबाचे पांयजेला वयल्यान कळटा. आसूं. मागीर त्रिबुनालार घाल्ल्या ह्या खटल्यांचें रुपांतर केस्तांवानी जाता आनी हीं केस्तांवां फुडल्यो पिळग्यो चालूच दवरतात. जाण्टेल्यांनी फाटल्यान कांयच दवरलें ना जाल्यारूय त्रिबुनाला वयल्यो केसी मात दवरून वताले.

हीं झगडीं, केस्तांवां आमचे रगतांत आयलीं खंयच्यान हाचेर हांवें अभ्यास सुरू केलो. कारण असल्या विशयांच्या वाटेक आमचे विचारवंत वचनात. हे असले विशय म्हज्या सारक्या अभ्यासू व्यक्तीकूच हाताळचे पडटात. आसूं म्हाका व्हडपण नाका विशय आयलो म्हणून सांगलें. हे वर्सा परतीचो पावस परतुपाक कळाव कित्याक जालो हाचेरूय म्हजो अभ्यास चालू आसा. हाताक कितेंय लागल्यार तुमकां कळटलेंच. हांवें वयर म्हणला तशें झगडीं आनी केस्तांव हाचो अर्थ शद्बकोशांत एकूच आसलो तरी म्हजे मता प्रमाण दोनूय उतरां भितर फरक आसा आनी तो करपाक शिकपाक जाय. देखीक, घोव बायले मदीं जातात तीं झगडीं आनी तावेर्नार जातात तीं केस्तांवां हें म्हजें मत. झगड्यान उग्र रूप धारण करतकच ताचें केस्तांवान रुपांतर जाता. पयलीं बांयो आसतना बायलांचीं बांयचेर जातालीं तीं झगडीं. आयचे तारखेक शेजारचे राज्यांत नळाचेर बायलांचीं झगडीं चालूच आसा. गोमंत भुमींत हीं असलीं झगडीं आमकां पळोवंक मेळना हें आमचें दुर्दैव. हीच बायल मनीस गादयेर (तावेर्न) पावतकच केस्तांवांत उमेदीन वांटेकरी जाल्ली आमकां पळोवंक मेळटा.

तर, जेत्रा हांवें ह्या विशयाचेर म्हजो अभ्यास सुरू केलो तेत्रा म्हाका अशें उमगलें की हे भुंयेर पयलें झगडें हे भुंयेची निर्मिती जाल्ली तेत्राच जाल्लें. हें वाचून कांय कुच्छित्री हांसतले हें हांव जाणा. ह्या देशांत कितेंय प्रॉव्हार करतलो जाल्यार पुरावे दिवचे पडटात हाचीय म्हाका जाणीव आसा. जेत्रा हांवें ह्या अभ्यासा खातीर पुराणां उस्तिलीं तेत्रा म्हज्या हाताक एक संस्कृत भाशेंतलो श्लोक लागलो. हो श्लोक संस्कृत भाशेंत आसल्या कारणान आतां तुमी म्हजे कडेन आनी म्हज्या अभ्यासा कडेन आदरान पळयतले हेंय म्हाका खबर आसा. तो श्लोक हांव तुमचे मुखार दवरतां.

एकं तीरं समुद्रेजले पतितम्। तेन जलं अपारदर्शि अभवत्। अपि च मत्स्यानां विविधप्रकारकाः मीनाः तटं प्रति आगताः। तेन तालिग्रामस्य तथा करञ्जलेग्रामस्य जनाः मत्स्यानां विषये सघर्षं कर्तुम् आरब्धवन्तः।

ह्या श्लोकाचो थोडक्यांत अर्थ असो की परशुरामान बाण सोडटकच दर्यो फाटीं सरलो आनी विंगड विंगड तरेचीं नुस्तीं वेळेर दिसपाक लागलीं. आनी नुस्त्या वयल्यान ताळगांवकार आनी करंजाळकार झगडपाक लागले. हीं झगडीं पळोवन परशुरामाचें कितें जालें हाचेर भाश्य ना. परशुरामान हीं झगडीं सोडयलीं काय तातूंत पेत्रोल घालें हेंय कळपाक मार्ग ना. पुणून एक गजाल खरी आजूय गोंयांत नुस्त्या वयल्यान झगडीं पळोवंक मेळटात. आजूय आमी चड बोवाळ जातकच 'हो कितें नुस्त्या बाजार' असो प्रस्न करतात. हाचें मूळ ह्या पयल्या झगड्यांत आसा. हे आमचे भुंये वयल्या पयल्या झगड्याक विष्णूचो सव्वो अवतार साक्षी आशिल्लो ही समेस्त गोंयकारां खातीर अभिमानाची गजाल. हेच भुंयेचेर मागीर महादेव आनी पार्वती कैलासाचेर झगडून पावलीं आनी मागीर हांगाच बस्तान मांडलें (मंगेशीं आनी कवळ्यां रिस्पेक्टीवली). तांकां अजून मेरेन आमी 'भायले' म्हणू ना हें तांचे नशीब! हांव फकत पुराणांचेर निंबून रावलोना. पुरातत्व विभागांत गेलों आनी रेकॉर्ड तपासलो. थंयीय म्हाका हीच म्हायती मेळ्ळी. "No momento em que a flecha caiu na agua, a agua retrocedeu. Variedade de peixes surgiram na margem.

Pessoas de Taligaon e Caranzalem comecaram a brigar por peixes'.

झगडीं करपाक कमींच कमी दोन मनशां जाय पडटात हें झगडीं केल्या तांकां खबर आसतलेंच. 'मी माझ्याशीच भांडत होतो' असलीं वाक्यां आमकां कादंबऱ्यांनी वाचपाक मेळटात. 'एक झुंज वाऱ्याशी' बी नांवां नाटकाकूच सोबतात. पावसा दिसांनी वारो सुट्टकच आमची सत्री परततकच ती सरळ करपाक आमी वाऱ्या कडेन झुजतात तितलेच. चडशीं झगडीं आमचीं दोन पांयांच्या प्राण्यां कडेनूच जातात. झगडपा खातीर कारण लागता. तें मागीर कितलेंय ल्हान वा हांसपा सारकें आसूं. कारणा शिवाय झगडीं जाता हें मानपाक हांव तयार ना. झगडीं करपाची कूय आयली म्हणून अशेंच झगडपाक मेळना. ताचे खातीर कारण सोदून काडचें पडटा. एक फावट हांव 'देवता' बशीन (पणजे व्हाया पोरणे गोंय गंवडाळे फेरी) पणजे वतालों. 'तूं म्हाका येदोळच्यान पळयत आसा' अशें म्हणून एक सलवार कमीज आंगार आयलो. सलवार कमीज साधारण तिशींत आसतलो.

''हे बशींत कितले स्टँडींग पॅसेन्जर ऍलावड आसात तें हांव वाचतालों. तूं थंयच उबें आशिल्ले कारणान तुका तशें दिसूं येता.''

अशी हांवें ताका म्हजे वतीन सफाई दिली ती ताका पटली ना.

''तुजी नदर म्हजेरूच आशिल्ली!''

तें कशेंच आयकुपाक तयार नाशिल्लें. बस गच्चऽ भरिल्ली आसून लेगीत तें हॅण्डल धरून खुदूंक लागलें. हांवें म्हजें वक्ल काडून हांव मातसो तिरसो आशिल्ल्या कारणान ताचो गैरसमज जावं येता अशें समजावपाचो येत्न केलो तरी तें बदलें ना. निमणें हांवें बशीचे हॅण्डलाक धरून झोके घेत 'फुलों का तारों का सबका कहना है एक हजारों में मेरी बेहना है' पद म्हणलें आनी तें शांत जालें.

थोड्यांक झगडीं करपाची उमेद नासता. अश्या मनशांचो आंकडो हे भुंयेर तसो कमीच पूण अशीं मनशां हे भुंयेर आसात हें सत्य. अश्या मनशांचे वाटेक वच्चें पडटा तेन्नाच तीं झगडपाक फुडें सरतात. तांकां मिरसांगांची धुरी दिवन बिळांतल्यान भायर काडचीं पडटा. केन्ना केन्ना तीं 'म्हजे वाटेक वचूं नाका आं सांगतां तुमकां' इतलींच उतरां उलोवन परत घोलीन वतात. मागीर परत तांकां झगड्यांक उबी करपाची जबाबदारी आशिकुशीक आशिल्ले मंडळीचेर पडटा.

''तूं ओगी कित्याक रावता? सोडू नाका तांकां! हांगा मोव आसा थंयच खणप जाता. भित्र्या पाठी ब्रह्म राक्षस ही म्हण आयकल्या न्ही?''

अशीं उतरां वापरून तांच्या मनाची तयारी करची पडटा. थोडी मनशां तर हाच्या पाश्ट आसतात. तीं कितलींय धोंगशिल्यार पसून कशींच झगड्यांक फुडें सरनात. असल्या मनशांचो आंकडो आनिकूय कमी. आदल्या तेंपार हीं मनशां गांधी तोपी आनी खादीची मुस्तायकी घालून फिरतालीं. आतां कितें घालून फिरतात खबर ना. म्हजो आजो (आवयचो बापूय) असली मुस्तायकी घालून फिरतालो म्हणून कळ्ळें. हांव मे म्हयन्याच्या सुटयेंत बी आजोळा वतालों तेन्ना ह्या महान व्यक्ती कडेन म्हजो वार्तालाप जातालो. शाळेंत झगडीं बी करूं नाका, झगडीं बी जालींच जाल्यार एका पोल्यार थापट मारल्यार दुसरोय पोलो दी, अशें म्हाका एकदां सांगिल्ल्याची याद जाता. मागीर हांव दत्तान म्हज्या दाव्या पोल्यार फुलयल्यार उजवो पोलो कसो फुडें करप हाच्यो येसायो मारतालों. दाव्या पोल्यार फुलयल्यार उजवो पोलो फुडें करप खूब कठीण. म्हजो आजो एकदां कुमुन्दादींत गेल्ले कडेन इश्क्रीवांवा कडेन ताचीं झगडीं जालीं आनी आज्यान पोलो फुडें करच्या आदींच ताणें आज्याच्या दोनूय पोल्यांचेर दोन फुलयलीं. हाचें आज्याक भयंकर दुःख जालें. शेवट मेरेन हांवें पोलो दिंवच्या आदींच ताणेय दोनूय पोल्यांर फुलयलींच कशीं हो प्रस्न तो आपल्याकूच विचारतालो. शेवटीं ताका भ्रम जातालो तेन्ना घे घे करून दोनूय पोले फुडें करतालो. वयर म्हणलां तशें आज पोले फुडें करपी मनशां मेळप कठीण जालां. आजोळा चौकेर आज्याचो फोटो दोनूय पोल्यार हात दवरिल्लोच लायला, तुमचे म्हायती खातीर.

झगडीं करपी दोनूय पाट्यों घटमूट (शारिरीक आनी मानसीक रित्यां) आसत जाल्यार झगडीं रंगतात आनी पळोवपाक मजा येता. केन्ना केन्ना झगडीं पळोवप्यां मदीं अती उत्साही मनशां येतात आनी झगडीं थांबोवपाचो येत्न करून पळोवप्यांचो विरूस करतात. झगडीं करतना मुस्तायकी सोबऽ सारकी आसप गरजेचें. देखीक - दादल्यांनी लांब हाताचें खोमीस घाल्यार झगडटना शर्टाचे दोनीय हात वयर काडींत जाल्यार झगडपाक आनीक नेट येता. बायलांनी साडी न्हेसल्यार चड बरें. झगडीं रंगार येतकच पदर आपशींच खोंवप जाता. झगड्यां भितर प्रकार आसतात. पयलो प्रकार तोंडाक तोंड लागप. हाका शेजारचे राज्यांत बाचाबाची आनी सायबांचे भाशेंत वर्बल स्पॅट म्हणटात. हो प्रकार चडसो बशिनी, नुस्त्याच्या बाजारांत बी चड पळोवंक मेळटा. घरांत मांय तग धरून आसत जाल्यार मांयचे आनी सुनेचें तोंडाक तोंड लागूं येता. ह्या प्रकाराक दोनूय पार्टींक गाळयांचो अभ्यास गरजेचो. तेच परीन एकमेकाचे वीक पाँयट खबर आसल्यार चड बरें. गाळी गुड्डेचें सोद कशें फुटपाक जाय अशें कोणें तरी म्हणलां. तें हांगा फुटप सामकें गरजेचें. भौशीक सुवातेचेर थोडे गाळी शेवटुपाक अनमनतात. तांणी सायबांचे भाशेंत भाशांतर करून गाळी घालूं येता. आयची पिढी ह्यो गाळी सहज श्लोक म्हणिल्ले वरी म्हणटात. ह्या प्रकारांत आवाजाची पट्टी वयली आसप गरजेचें. आवाजाची पट्टीच हांगा जैत मेळोवन दिता. वयर म्हणलां तशें दुसऱ्याच्या वीक पाँयंटाचेर केन्ना तोंच मारची हाचें टायमींग सादपाक कळपाक जाय. देखीक, 'म्हजी गांठ हांगाच मारिल्ली म्हणून हांव हांगा घश्टो काडपाक पावलें' अशें सुनेन म्हणल्या बरोबर मांयन 'तुजें खंय जमऽ नाशिल्लें म्हणून तुका हाच्या गळ्यांत बांदलें, वयल्यान मंगळ आनी शेळें नक्षत्र. घरांत पावल दवरलां थंय आसा तिगानी तिकेट काडली' अशें म्हणून टायमींग सादपाक जाय जाल्यारूच ह्या प्रकारान मजा येता. अश्या समयार दोनूय वटेंतल्यान उतरांचे फव्वारे उडटात. तेन्ना प्रेक्षकांनी आसूं रे वा आसूं गो अशें मदीं मदीं म्हणूंक जाय म्हणजे दोनूय पार्टींक आनीक चेव चडटा. 'ओगी कित्याक रावं आज मेरेन ओगी रावलें म्हणून हांचे चड जालें अशें म्हणून आनीक फॉर्सान झगडपाक लागता.'

दर एकल्याची आपली झगडपाची एक स्टायल आसता. नुस्त्या बाजारांतली नुस्तेकात्र झगडटा तशी भाज्येकात्र झगडना. शाकाहारी आनी मासाहारी ह्या फरका भायर बाकिचोय फरक हो आसताच.

ही झगडटना 'हांव फट उलयतां? हांव फटींग?' हें पालुपद वापरत झगडटा. विरोधी पक्षान, 'आगे हांवें खंय म्हणलां तूं फट उलयता म्हण तुवें म्हणलां तें शंबर प्रतिशें खरें' अशें म्हणल्यार लेगीत ती आपलें म्हणपाचें सोडीना. 'हांव फट उलयतां? हांव फटींग? चल म्हाळशेच्या घाटी सकयल रावया, नाल्लार हात दवरून प्रमाण जावंया' अशें म्हणत रावता. झगडटना ही दोन पावलां फुडें वता आनी मेजून तितलींच पावलां फाटीं येता. हाका लागून झगडटना ही लेजीम खेळिल्लेवरी दिसता. ही झगडी मारपाची आसा हें कळटकच हिका फावो ती सुवात मेकळी करून दिवपाची जापसालदारकी म्हजेर येता. झगडपाक लेगीत लय आनी ताल आसता हें हिका झगडटना पळयता तेन्ना कळटा. नलूचे लग्ना कडेन आमी कपडे काडपाक पुण्याक गेल्ले कडेन एका साडयेचे दुकानार हिचें आनी गल्ल्या वयल्या मनशाचें पेटलें. कुशीक साडयांचो ढीग. हिका जाय तितली सुवात झगडपाक मेळचिना हें म्हजे लक्षांत आयल्या बराबर हांव रोखडोच सादर जालों.

''अहो आता ही बाई आपल्याशी भांडणार आहे त्या साठी आपण थोडी जागा मोकळी करुया का?'' अशें हांवें पात्रांवांक म्हणलें आनी साडयांचो ढीग कुशीक काडलो. रोखडीच ही मी खोटं बोलते का, मी खोटारडी का?' अशें म्हणत सुंदर लेजीम खेळपाक लागली. मी खोटं बोलते का अशें म्हणत दोन पावलां फुडें आनी मी खोटारडी का अशें म्हणत दोन पावलां फाटीं. पात्रांवानूय गल्ल्यार ताल धरत झगड्याचो आनंद घेतलो. आसूं.

तोंडाक तोंड लागिल्ल्यां पैकी एकाचें वा दोगांयचें (आंकडो कितल्या जाणांचें तोंडाक तोंड लागलां हाचेर निंबून) पासिंयेंस सोंपता तेन्ना झगडें दुसऱ्या पांवड्यार पावता. हांगा संबंदीत व्यक्ती देवान दिल्ल्या दोन हातांचो आनी पांयांचो, स्त्रीलिंगी आसत जाल्यार दांतांचो आनी नाखटांचो उपेग करता. देवान दिल्ले अव्यव कमी पडल्यार मानव निर्मीत वस्तुंचो उपेग जावं येता. म्हज्या मतान वयर म्हणलां तशें झगडें उग्र रूप धारण करता तेन्ना केस्तांव जाता. हे केस्तांवांत दोनूय पक्षांचो सहभाग आसपाक जाय. बायलेन उतरां सोंपतकच रांदचेकुडींतल्यान नाल्लाचें वळें शेवटून मारलें आनी घोवाचे कपलाक कोक जाली तरी आमी ताका केस्तांव म्हणनात. हातांत कितें घेवप हें केस्तांव खंय जाता हाचेर निंबून. विधान सभेंत आमी वेचून धाडिल्ले प्रतिनिधी हातांत उलोवपाचे मायक आनी पेपर व्हेट घेवन दिसतात कारण तांकां थंय कोयते बी व्हरपाक मेळना. केस्तांवां तावेर्नांत जायत जाल्यार केस्तांवां करपी सोऱ्याची बाटली फोडून दुसर्याच्या पोटांत घालतात वा सोदाच्यो बाटल्यो एकमेकाचेर शेवटून मारतात. गुड्डेच्या सोदाच्यो बाटल्यो बऱ्यो फुट्टाल्यो. त्यो आतां मेळऽ नाशिल्ल्यान तितली मजा येना. आमच्या संतानी लेगीत तोंड धापून ओगी रावनाकात, दुसऱ्यांचे तकलेर उबारून कितें तरी घाला अशेंच सांगलां. आमचो तुकोबा कितें म्हणटा तें पळयात, 'भले तरि देऊं कासेची लंगोटी. नाठाळाचे माथी हाणू काठी'. आज लंगोट कोण न्हेसना म्हणटकच ती कोणाक काडून दिवपाचो प्रस्नूच ना. पूण दुसरी गजाल म्हत्वाची आनी ती आमचेच खातीर आसा, बडी उबारून दुसऱ्याच्या तकलेर हाणपाची. थोड्यांक मात्तूय पासिंयेंस नासता. ते तोंड उगडिनात आनी सरळ हातांत कितें आसता तें शेवटून मारतात. हें एके वटेन बरें कारण दोनूय पक्षांचो वेळ इबाडना आनी सरळ केस्तांव सुरू जाता. तावेर्नांत जातात ती केस्तांवां वयल्या पांवड्यां वयलीं. हांगा केस्तांवां केन्ना सुरू जायत हें गल्ल्या वयली आण्टी वा अंकल धरुन कोणूच सांगपाक शकनात. पेत्रोल घाल्लेंच आसता फकत काडी पेटोवपाची फुरसत. हांगा पयशे हांव दितलों अशें म्हणत बील फारीक करपा वयल्यान केस्तांवां जाल्लीं हांवें पळयल्या. हांव गादयेर कसो पावलों हाचेर चड चिंतपाचें गरज ना. ह्या देशांत कोण खंय पावत आज काल सांगू नजऽ. जाण्टेले फाटल्यान इश्टेट सोडून गेल्ले आसत आनी तांच्या पदराक अपत्यां चड आसत जाल्यार अस्थी हाडपाक गेल्ले कडेन दुसफूस सुरू जाता आनी बाराव्याक ताका तोंड फुट्टा. मोखून मारिल्ले पिंडाक दवरिल्ले शिताचे गुळे चुकोवपाची पाळी भटाचेर येता. केस्तांवां जावपाक इश्टेट हें एकमेव कारण अशें म्हाका म्हणपाचें ना. प्रेयसी वयल्यानूय आज काल केस्तांवां जावपाक लागल्यांत. आदीं अशीं केस्तांवां सिनेम्यांनी जातालीं. आपले प्रेयसे खातीर नायक 'कुत्ते मैं तुम्हारा खून पी जाऊंगा' अशें आडुतालो आनी मागीर लटाफटी सुरू जाताल्यो. खलनायकान नायिकेक गुदांवांत नाजाल्यार पोरण्या पडक्या घरांत दवरलेली आसताली. धा मिण्टां खलनायक आनी ताच्या गुंडां कडल्यान मार खाल्ल्या उपरांत नायक सगळ्यांचीं रगतां काडटालो. रगतां काडले उपरांत सायरन वाजयत पुलिशेच्यो गाडयो येताल्यो. गाडयेंतल्यान नायिकेचे मागीर नायकाचे आवय बापूय देंवताले आनी आप आपल्या अपत्यांक वेंग मारताले. आतां नायक आनी नायिकेचे पालक पुलिशेचे गाडयेंतल्यान त्या थळार कशे पावताले म्हाका खबर ना. हांवें तुमकां सगलो प्रॉसेस सांगलो. आसूं.

केस्तांवां जेन्ना देशां मदीं शिमेक लागून वा आनीक कितें कारणाक लागून जातात ताका आमी झूज म्हणटात. दोन देशांक झुजपा खातीर आजकाल कारण जायच अशें ना. अमेरिके सारको देश जगार भोंवत आसता. ताका बाकीच्या देशां मदीं कशें पेटोवन दिवंचें ही कळाशी बेस बरी सादल्या. आदल्या काळांत लेगीत अशे झूज पेटोवपी सुत्रधार आसताले. हें आमका बी.आर चोपडाचें महाभारत पळयल्यार कळता. महाभारतांत शकुनी मामा हो सगळीं कारस्थाना रचतालो अशें आमकां दाखयलां. शकुनी मामानूच पांडवांक द्यूत खेळपाक लायलें हेंय आमकां खबर आसा. पांडव जात्रांनी गडगडो बी खेळटाले काय कितें - हाचेर म्हजो अभ्यास चालू आसा. सगळेंच आमच्यानी शकुनी मामाचेर धुकलूं नजो.

उजो पालोवपी दळांतल्या जवानाक सायबांकचे भाशेंत 'फायर फायटर' म्हणटात. तो उज्या कडेन झुजता. आज कसलीच गजाल झुजल्या बगर मेळना. हेच खातीर सगळेच जाण 'फायटर' जावपाक सोदतात. फायटर म्हणून मिरोवप हें आज प्रतिश्ठेचें प्रतीक जालां. अश्या वेळार म्हजे सारकेल्यांचें कितें, सावळ्याक विचारचें पडलें.

संपर्क: ९८५०५३०७५६

'ध वर्डस्' : भौसाची अस्वस्थताय परगटावपी वास्तववादी कविता!

ह्या वर्साचो प्रतिश्टेचो कोंकणी भाशेचो केंद्रीय साहित्य आकादेमी पुरस्कार साहित्यीक निलबा खांडेकार हांच्या 'ध वर्डस' ह्या कविता संग्रहाक फावो जाला.

निलबा हो फाटलीं चार दसकां कोंकणींत साहित्य रचता. आयज मेरेन निलबाचे स कविता संग्रह आनी एक एकांकीका संग्रह उजवाडाक आयल्यात. तांचो पयलो कविता संग्रह 'वेध' हो १९८९ वर्सा उजवाडाक आयलो. ताचे उपरांत बद्द धा वर्सांनीं म्हणल्यार १९९९ वर्सा तांचो 'सुर्यवंशी' हो कविता संग्रह उजवाडाक आयलो. मागीर फाटोफाट 'अग्नी', 'ब्लॅक' 'दंडकारण्य' आनी 'ध वर्डस्' हे कविता संग्रह उजवाडाक आयले. त्या भायर 'वादळा पयलींची शांतताय' हो एकांकीका संग्रहय उजवाडाक आयला.

निलबा अ. खांडेकार

तांच्या 'सुर्यवंशी' ह्या कविता संग्रहाक २००० वर्सा आनी 'अग्नी' ह्या कविता संग्रहाक २००३ वर्सा कोंकणी भाशा मंडळाचो पुरस्कार लाबला तर तांच्या 'वेध' ह्या कविता संग्रहाक १९९२ वर्सा तर 'दंडकारण्य' ह्या कविता संग्रहाक २०१३ वर्सा कला अकादमीचो साहित्य पुरस्कार लाबला. तांच्या 'ब्लॅक' ह्या कविता संग्रहाक २००९ वर्साचो गोवा कोंकणी अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार लाबला. 'वादळा पयलींची शांतताय' ह्या तांच्या एकांकीका संग्रहाक ओंदूचो 'कुडचडें कला आनी साहित्य' केंद्राचो नाटका खातीर दवरिल्लो पुरस्कार लाबला.

'ध वर्डस्' (२०१७) ह्या केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार लाबिल्ल्या कविता संग्रहांत वट्ट ४९ कविता आसात. आदीम काळांतलो मनीस तो आयच्या काळांतलो मनीस असो एक व्हडलो 'कॅनवास' ताच्या कवितांनीं आमकां जाणवता. संवसारांतल्या सगळ्या महाकाव्याचो आनी तत्वगिज्ञानाचो अर्क आमकां ह्या कवितांनीं मेळटा. त्याच बराबर आयच्या संवसारीक आनी थळाव्या परिस्थितीचोय परामर्श घेतिल्लो ह्या कवितांनी आमकां दिश्टी पडटा.

ह्या कवीक तसो खंयचोय विशय वर्ज्य ना. कवीन हें सगळें अभ्यासलां, अणभवलां आनी पचयलां हें आमकां तांच्यो कविता वाचतगीच पावला कणकणीं जाणवता. मागीर तें 'इसिस' जावं, 'बोको हराम' जावं, अण्णा हजारे जावं, बाबा रामदेव जावं, निर्भया बलात्कार कांड जावं वा अमेरिकेचो राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प वा आमच्या देसाचे प्रधानमंत्री मनमोहन सिंग, नरेंद्र मोदी आदीचें राजकारण जावं, ह्या सगळ्या विशयांचेर कवीन ह्या कवितांनीं भाश्य केलें मेळटा.

ह्या सगळ्या कवितांनीं आमकां तिनूय काळांचें जितें जागतें दर्शन जाता. आदलो काळ हो इतिहास आनी यादींच्या रुपान, वर्तमान काळ हो आयच्या घडणुकांच्या संदर्भान आनी भविश्य काळ हो फुडाराच्या आश्वासक हावेसान! मनश्याची संस्कृतायेची उदरगत ही ताच्या भितर आशिल्ल्या काळखा कडेन झुजतच साकार जाता हें मानपी निलबा खांडेकार आपल्या कवितेंतल्यान अंधश्रध्दा, संस्कृताय, देव, मनश्याचें अस्तित्व अश्या गडखळ संकल्पनांक आपल्या तांकी प्रमाण सामकार वतात आनी आपल्या कवितेंतल्यान तें मांडताय बी.

आपल्या सरभोंवतणीं घडपी घडणुको कवीक अस्वस्थ करतात आनी ताची ही अस्वस्थताय मागीर खर उतरांनीं भायर सरता. आनी तेदेवेळार कवीच्या लिखणेंतल्यान कांय असभ्य उतरां भायर सरतात. हांव ह्या उतरांक अश्लील म्हणी ना कित्याक तर अश्लिलतायेची व्याख्या काळा प्रमाणे बदलत रावता.

ह्या कविता संग्रहाचें नांव आशिल्ली कविता 'ध वर्डस्' ही कविता ह्या संग्रहांत आसा. खरेपणी हें 'The words' (Les Mots-1964) ज्याँ पॉल सार्त्र ह्या फ्रेंच कवी, नाटककार आनी तत्वगिज्ञानी हाचे जिणेच्या पयल्या धा वर्सांचे आत्मचरित्र. आपल्या ह्या धा वर्सांच्या काळांतल्या घडणुकाचें व्यंगात्मक चित्रण. खरें म्हळ्यार तार्णे हें अशे तरेचे आत्मचरित्र दुसरो एक तत्वगिज्ञानी आनी लेखक मार्सेल प्रुस्त हाका शह दिवपा खातीर बरयिल्लें. सार्त्रान दोन सिद्धांत मांडले. एक 'Being and Nothingness' (L'Etre et le Neant, 1943) आनी दुसरो 'Existentialism Is a Humanism' (L'existentialisme est un humanisme, 1946).

'Being and Nothingness' ह्या सार्त्राल्या संकल्पनेक अनुसरून निलबा ज्याँ पॉल सार्त्राक ओंपिल्ल्या 'ध वर्डस्' कवितेंत म्हणटा:

'मनिस आसल्यारूच शब्द उरतले
हें मानून घेवपा येदें काळीज
तशें आमकां केन्नाच फावो जालें नां
फकत जगप म्हत्वाचें ह्या जनावरी सुत्राचेर
मनांतल्यान भाळत गेले
म्हणून कसो समजांव 'बिइंग एण्ड नथिंगनॅस' चो
सार्त्रालो सिद्धांत?'

काळोख ही संकल्पना कवीक खूप भावता. काळखांतल्यान उजवाडा कडेन वतना संस्कृतायेची उदरगत जाता हें मानपी हो कवी 'घडना मरण इत्शांचें' ह्या आपल्या कवितेंत म्हणटा:

'भंयाची तशी उजवाडाची निर्मिती खंय
काळखान जाता
म्हणून उगडचो काळोख
सोलून उडोवंचे कल्लान कल्ल
उगडचो स्वताकूच
तेन्ना काळखाक सिद्ध करपी डॉप्लर सिद्धांत
यादींच्या झाडा वयल्यान लेगीत गळून पडिल्लो आसतलो
काळोख आनी उजवाड हांचे दोगांयचें व्हडपण

शाश्वत दवरपाक'

प्रतेक मनशाक आपलो गांव त्या गांवांतलीं मनश्यां आनी त्या गांवां कडेन जोडिल्ल्यो यादी हांचो खूप मोग आसता. त्या स्मरणरंजनांत तो रमता. निलबाय ताका अपवाद ना. 'मोतूं', 'बाबू' आनी 'दोंगरेकारांल्या दोंगरेच्या सासणा खातीर' ह्या कवितांनी हें दिश्टी पडटा.

कवी ह्या आपल्या कविता संग्रहांत आशिल्ल्या कवितांनीं नवें अशें कांयच मांडीना तर आमच्या सरभोंवतणीं कितें घडटा तें भिड आनी मुर्वत धरिनास्तना वाचप्यां मुखार Blunt उतरांनीं मांडटा. अशें वाचपाची संवकळ नाशिल्ल्या वाचप्यांक तें सत पचूंक जड जाता आनी कांय कडेन कवीन वापरिल्ल्या भाशे खातीर तांकां उस्तुरेंय वता.

कवीक कवितेचेर खूप मोग आसा आनी कविता म्हळ्यारूच तांचे जिवीत जालां. ह्या कवितेनच ताका आपली वेगळी वळख दिल्या, ताका सगळे पुरस्कार प्राप्त जाल्यात. दोंगरी ह्या गांवगिऱ्या वाठारांत जल्माक आयिल्लो हो कवी, ज्या गांवाक कृष्ण भट बांदकाराच्या संत साहित्याची परंपरा आसा, आनी आयज तो साहित्य मळा वेली सगळीं शिखरां पादाक्रांत करीत आसा. कवी आपल्या ह्या कविता संग्रहाच्या सुरवेकच म्हणटा:

'शब्द म्हज्या अस्तित्वाचो आरंभबिंदू
म्हज्या नास्तित्वाचो पुर्णविराम
म्हणून पुस्तकांतल्यान सुरू जाल्लें जिवीत
पुस्तकाचे आडेकडेकूच सोंपचें
हेंच भाग्य मेळचें'

ह्या कविता संग्रहाचेर अश्लीलतायेचो ठपको पडला आनी साहित्य आकादेमीचो पुरस्कार मेळटगीर तो तर खर रितीन उजवाडाक आयला. पूण ह्या कविता संग्रहांत अश्यो दोन तिनूच कविता आसात आनी त्या कवितांतल्यो कांय वळी जांकां आमी असभ्य अशें म्हणपाक जाता.! हीं उतरां टाळून ताच्या जाग्यार दुसरीं घालपाक येतालीं काय ना हो एक खरेंच चिंतपा सारको प्रस्न. पूण अभिव्यक्ती स्वातंत्र्याचो पुरस्कार करपी सहाजीकच हाचेर आक्षेप घेतले.

ह्या कवितां भितर काव्य खंय आसा? वा ह्यो कविता म्हणल्यार फकत गद्य वा कवी आपले गिज्ञान दाखोवपा खातीर खुबशे विशय आपले कवितांनी घालता आनी त्या खातीर त्यो विस्कळीत अश्यो दिसतात असो निलाबाचे कवितांचेर कांय जाणाचो आक्षेप आसा. पूण तांच्या कवितांक मेळिल्ले पुरस्कार ही ताचेर जाप अशें म्हाका दिसता.

ह्या सगळ्या उणिवांची जाणीव निलबाच्या कविता संग्रहांक विंगड-विंगड पुरस्कार दिवपी कोंकणींतल्या जेश्ट साहित्यिकांक, जे ह्या पुरस्कार दिवपाचे मंडळाचेर परिक्षक म्हण आसले तांकां नासली अशें ह्या आक्षेप घेवपी मंडळींक सांगपाचें आसा व्हय? काय परिक्षकांनीं हे कविता संग्रह वाचिनासतनांच पुरस्कार दिले अशें तांका सुचोवपाचें आसा?

निमणे निलबान एका थारावीक सांच्यातच बंदिस्त जाल्ले कोंकणी कवितेक नवो आयाम दिला आनी नवे जाणविकायेची बुन्याद कोंकणी कवितेक घाल्या अशें म्हळ्यार अतिताय जावंची ना.

हो कविता झेलो कवीन तांचे इश्ट ऍड. सतीश सोनक हांकां

(पान २९ चेर)

RAJHAUNS
Yearbook
2020



A Powerful Weapon for Knowledge

Paperback | Pages:756 | Price: ₹ 325/-
Pub No.:1527 | Size:15.5 x 23.5cms.
ISBN: 978-93-88429-94-8

राजहंस
RAJHAUNS SANKALPANA PVT LTD
1-Meenakshi Bldg, Dr. Wolfango da Silva Marg, Panaji - Goa 403 001
Ph.: +91 832 222 0320 / 223 2177 Fax: +91 832 242 5205
Email : rajhaunsgoa@gmail.com I Website : www.rajhauns.com

2015, 2016, 2017, 2018 & 2019 editions are available on demand

कोंकणी कोश साहित्यः

'इंग्लीश-कोंकणी समानार्थी-विरुद्धार्थी शद्बकोश' हाच्या निमतान

खंयच्याय भाशेचें कोश साहित्य त्या भाशेक घटाय दिता. कोश म्हणल्यार खंयचेय भाशेचें उतर धन, उतरांची कोठी कशी. विशिश्ट काळांत विशिश्ट भाशेची उतरांची संपत कितली आनी कसली आसली, परकी उतरांचे प्रमाण कितलें आसलें, पोरणी उतरां खंयची आसलीं आनी आतां त्या सुवातेर खंयचीं उतरां आयल्यांत हाची जाप आमकां शब्दकोशां वरवीं मेळटा.

कोश हे कितलोसोच व्याकरणीक भार उखलतात. कोशांत दिल्ले उतरांचे अर्थय वेव्हारांतल्यान समजून घेतिल्ले आनी सोदून काडिल्ले आशिल्ले कारणान ताचो दिसपट्ट्या वेवहारांत उपेग करपाचो वावर सोंपो जाता. कोशकार भाशेच्या प्रयोगाक धरून कोश रचता खरो, पूण केन्ना केन्ना दुसऱ्या भाशेच्या प्रभावा खाला चिडून उरिल्ल्या भाशेक एक दिकाय दाखयता. आपल्या भाशेंत आसताना दुसऱ्या भाशेंतलीं उतरां तश्या तशीं वापरांत हाडपाचो येत्न जाता तो आळबंदाक हाडपाचो यत्न कोश करता. देख दिवंची जाल्यार आमच्यानी मोन्सियोर सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हांच्या 'कोंकणी-पुर्तुगेज' शब्दकोशाची दिवंक जाता. नामनेच्यो कोंकणी संशोधक स. माधवीबाय सरदेसाय आपल्या एका लेखांत कोश साहित्याक भाशेची 'राखणे वेवस्था' म्हणटा आनी तें विधान सामकें खरें!



चडश्या भारतीय भासां भशेन कोंकणींतल्या कोशांचो इतिहासयबी द्विभाशीक कोशांतल्यान सुरू जाला. हातूंत सुरवेच्या काळांत उतरावळी आनी उपरांत हेर व्याकरणीक म्हायती सयत येवपी कोश असो प्रवास सुरू जाता. आमची कोंकणी भासूय ताका आडवाद ना.

कोंकणी भाशेक कोश साहित्याचो खूब व्हडलो इतिहास आसा. कोंकणी भाशेंत पयलो कोश आयलो तो म्हणल्यार १५६७ वर्सा. रायतूरचे सेमिनारींतल्या कांय पाद्रीनीं रचिल्लो हो कोश सुमार पंदरा हजार कोंकणी उतरांचो पुर्तुगेजीन अर्थ सांगपी आसलो. जाणकार ह्या कोशाक देसी भासांतलो पयलो वयलो कोश लेखतात. उपरांत सतराव्या शेंकड्यांत दोन म्हत्वाचे कोश आयले तांतलो एक कोश म्हणल्यार १६२६ वर्सा रायतूरच्या सेमिनारींत हातबरपाच्या रुपान आयिल्लो 'कोंकणी-पुर्तुगेज' आनी 'पुर्तुगेज-कोंकणी' शब्दकोश ताचें नांव 'Vocabulario da Lingua Canarina com versam Portugueza'. हो कोश येवरोपी जेजुईत पाद्री दियोग रिबैर (१५६०-१६३३) हांणी रचलो. दुसरो कोश आसलो पाद्री मिंगेल द आल्मैदा हांचो 'कोंकणी-पुर्तुगेज' शब्दकोश.

उपरांत इतालियन जेजुइत पाद्री आंजेलो फ्रांसिस्क शावियेर माफेय (१८४४-१८९९) हांणी मंगळूरा तयार करून १८८३ वर्सा उजवाडाक हाडिल्लो इंग्लीश-कोंकणी (रोमी) कोश हो कोंकणींतलो पयलो छापिल्लो शब्दकोश. त्या उपरांत दोन वर्सांनी तांचो 'कोंकणी (रोमी)-इंग्लीश कोश १८८५ वर्सा उजवाडाक आयलो. माफेयचो कोश मंगळूरच्या क्रिस्तांवाच्या जिबेर घोळपी कोंकणीचेर आदारिल्लो आसलो.

माफेयच्या कोशां उपरांत वट्ट धा वर्सांनी म्हणल्यार १८९३ वर्सा मोन्सियोर सेबास्तियांव रुदोल्फ दाल्गाद हांणी 'इंदू प्रकाश प्रेस', मुंबय हांगा 'कोंकणी-पुर्तुगेज' शब्दकोश उजवाडाक हाडलो. कोश साहित्यांत देवनागरी कोंकणीचो उपेग जावपाची ही पयलीच खेप. उपरांत तांणी आपलो राबितो पुर्तुगालाच्या लिस्बन शारांत केलो आनी थंयच तांचो १८९५ वर्सा 'पुर्तुगेज-कोंकणी' शब्दकोश उजवाडाक आयलो.

गोंय सुटके उपरांत सुमार वीस वर्सांनी सर्गेस्त श्रीपादबाब देसाय हांणी रचिल्लो कोंकणीच्या पयल्या एकभाशीक कोशाचो पयलो खंड १९८० वर्सा उजवाडाक आयलो. ह्या शब्दकोशाचे वट्ट चार खंड उजवाडाक आयले. सिताराम प्रकाशन, पेडणें हांणी ते उजवाडाक हाडले. कोंकणीच्या कोश साहित्याच्या मळार एकहाती इतले व्हडलो वावर पयलेच फावटीं जालो. उपरांत प्रो. शांताराम हेदो हांणी रचिल्लो कोंकणी एकभाशीक कोश १९९२ वर्सा उजवाडाक आयलो. तो कोंकणी भाशा मंडळान उजवाडाक हाडलो.

गोंयच्या जनमानसाचेर इंग्लिशीचो प्रभाव वाडपाक लागिल्लो आनी अश्या वेळार 'इंग्लीश-कोंकणी' शब्दकोशाची खूब गरज भासूंक लागिल्ली. ही गरज भागोवपा खातीर गुरुनाथबाब केळेकार हांणी १९९४ वर्सा पॉकेट सायझींतलो हाताळपाक सोंपो सुमार १६००० इंग्लीश उतरांचो कोंकणींत अर्थ सांगपी ५०० वयर पानांचो असो 'इंग्लीश -कोंकणी'(नागरी) शब्दकोश उजवाडाक हाडलो. ह्या शब्दकोशांन थोड्या प्रमाणांत कांय जायना सर्वसामान्य मनशांची गरज भागयली. आनी तोखणायेची गजाल म्हणल्यार आजूनय हो शद्बकोश तितलोच लोकप्रीय आसा. हो इंग्लीश-कोंकणी नागरी लिपिंतलो पयलोच कोश.

१९८५ वर्सा गोंय विद्यापीठाची थापणूक जातगीर 'कोंकणी विश्वकोश' तयार करपाचो वावर सुरू जालो. ते खातीर स्वतंत्र विभागाची निर्मणी जाली. त्या विभागाचे पयले मुखेली आसले डॉ. मनोहरराय सरदेसाय. तांच्या उपरांत डॉ. तानाजी हळर्णकार हाणी त्या विभागाचीं सुत्रां हातांत घेतलीं. कोंकणी विश्वकोश हो चार खंडांतलो ३६३२ पानांचो कोश

आसा. हो सगळो प्रकल्प पुराय करपाक चवदा वर्सां लागलीं. ह्या कोशाचो पयलो खंड १९९१ वर्सा डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हांच्या संपादना खाला उजवाडाक आयलो. उपरांत १९९७,१९९९ आनी २००० वर्सा डॉ. तानाजी हळर्णकार हांचे संपादना खाला उरिल्ले तीन खंड उजवाडाक आयले.

१९८६ वर्सा 'गोवा कोंकणी आकादेमी'ची थापणूक जातगच एका स्वतंत्र कोश विभागा वरवीं शब्दकोश आनी उतरावळी रचपाचो आनी उजवाडाक हाडपाचो वावर हातांत घेवपाक आयलो. कोंकणी आकादेमीन सर्गेस्त चंद्रकांतबाब केणी हांचे संपादना खाला 'इंग्लीश -कोंकणी-हिंदी' उतरावळ, 'कोंकणी शब्दसागर' खंड 'अ' आनी 'आ' (संपादकः: पांडुरंगबाब भांगी), 'हिंदी -कोंकणी' शब्दकोश खंड 'अ' आनी 'आ' (संपादक डॉ. अनंत राम भट) , 'इंग्लीश -कोंकणी' १४००० उतरांचो शब्दकोश(२००३) (संपादकः डॉ. मनोहरराय सरदेसाय), 'Inglez-Konkani (Romi lipi)' Vol.I हे कोश उजवाडाक हाडले.

शब्दकोशांचो हो आकांताचो व्हडलो वावर फुडें व्हरपाक 'राजहंस प्रकाशन'-पणजी हांचो खूप मोलादीक वांटो आसा. आतां मेरेन राजहंस प्रकाशनान आनी विंगड-विंगड आकाराचे साबार 'कोंकणी-इंग्लीश' शब्दकोश सुरेशबाब बोरकार, मुकेशबाब थळी आनी दामोदरबाब घाणेकार हांचे संपादना खाला उजवाडाक हाडल्यात.

राजहंस प्रकाशनानच एप्रील २००९ वर्सा सुरेशबाब बोरकार आनी दामोदरबाब घाणेकार हांणी रचिल्लो दोन हजारां वयर पानांचो आनी पन्नास हजारां वयर उतरां आशिल्लो गडगंज असो 'कोंकणी सचित्र अश्टांगी अभ्यासकोश' उजवाडाक हाडलो. हो अभ्यासकोश म्हणल्यार आमच्या कोंकणी मायेच्या आंगावेलो एक सोबीत अळंकार म्हणल्यार अतिताय जावंची ना.

२०११ वर्सा 'कोंकणी भास आनी संस्कृताय प्रतिष्टान केंद्र' मंगळूर -कर्नाटक हांणी डॉ. तानाजी हळर्णकार हांचे संपादना खाला 'विश्व कोंकणी परिचय' कोशाच्या तीन खंडाच्या प्रकल्पांतलो पयलो खंड उजवाडाक हाडलो आनी दुसरो खंड २०१३ वर्सा उजवाडाक हाडलो. ह्या परिचय कोशाचो तिसरो खंड रोखडोच उजवाडाक येवपाचो आसा.

ह्या सगळ्या मोलादीक वावर करप्यांच्या पावलार पावल दवरून डॉ.वामन नायक हांणी 'इंग्लीश-कोंकणी समानार्थी-विरुद्धार्थी' हो शब्दकोश रचला आनी तो 'गोवा कोंकणी आकादेमीन' उजवाडाक हाडला.

जितली भास प्रगत जाता तितली तिका विंगड-विगंड विशयांचेर आदारिल्ले साबार कोशांची गरज भासता. डॉ.वामन नायक हांणी रचिल्लो 'इंग्लीश-कोंकणी समानार्थी-विरुद्धार्थी' हो शद्बकोश अशीच भाशेची गरज भागयता.

कोश काम हे काम जशें म्हत्वाचें, किचकटींचें तशेंच जापसालदारकीचें काम. ते खातीर संशोधनाची आवड आशिल्लो आनी आसन मांडी घालून उमेदीन काम करपी जाय आसता. डॉ.वामन नायक हांणी आपलो शिक्षण क्षेत्रांतलो सगळो व्याप सांबाळून हें कोशाचें काम हातांत घेवन तें पुराय केल्ले बद्दल ते तोखणायेक पात्र आसात.

आपल्या मनोगतांत डॉ. नायक म्हणटात कोंकणी भाशेच्या आंगावेलो भोव मोलादीक अळंकार-समानार्थी आनी विरुद्धार्थी उतरांचो विपूल संग्रह. ताका सादें सरळ नांव दिंवचेशें दिसलें - समानार्थी आनी विरूद्धार्थी कोश

ह्या कोशांत दिसपट्ट्या वापरांतले आनी साहित्यांत वापरिल्ल्या सुमार ७००० इंग्लीश उतरांचो आसपाव केल्लो आसा. हो कोश इंग्लीश - कोंकणी भाशेच्या अभ्यासकांक आनी सर्वसामान्य मनशांक लेगीत उपकाराक पडटलो हातूंत दुबाव ना.

ह्या कोशांत पयली एक इंग्लीश उतर आनी ताचीं समानार्थी इंग्लीश उतरां आनी पर्यायी कोंकणी उतरां तशेंच त्या इंग्लीश उतराचें विरुद्धार्थी इंग्लीश उतर आनी पर्यायी कोंकणी उतरां अशी ह्या कोशाची मांडावळ आसा. निखटो कोंकणी समानार्थी -विरुद्धार्थी कोश म्हण लेगीत ह्या कोशाचो उपेग अभ्यासकांक करपाक जाता.

हांवें वयर बरयलां तशें कोंकणींत साबार कोश उजवाडाक आयल्यात. पूण एकाद्र्या उतराचो समानार्थी आनी विरुद्धार्थी इंग्लीशी वांगडा कोंकणीनय अर्थ सांगपी हो पयलोच कोश. देखून ह्या कोशाचें म्हत्वय चड.

अश्या कोशाची कोंकणी भाशेच्या अभ्यासकांक खूब गरज आसली. डॉ. वामन नायक हांणी ह्या कोशाचें मुळावण घालां. फुडाराक हाचेय व्हडलो आनी चड उतरांचो कोशाचो वावर तांचे कडल्यान घडटलो हाची आमी आस्त बाळगुंया. हो कोश उजवाडाक हाडलो म्हण डॉ. वामन नायक आनी कोंकणी आकादेमीक परबीं.

इंग्लीश-कोंकणी समानार्थी-विरुद्धार्थी शद्बकोश

संपादकः डॉ. वामन रा. नायक

उजवाडावपीः गोवा कोंकणी आकादेमी

पानां: २१५, मोलः २५० रुपया

सखाराम शेणवी बोरकार

संपर्कः ९९२३३०६७५१

(पान २७ वयल्यान)

ओंपला. ह्या कविता संग्रहाचें मुखचित्राची संकल्पना इशांक हांचे आसा आनी मुखचित्र पेंटिंग परमेश हांचे आसा. हो कविता संग्रह सुरू प्रकाशन, मंडूर -दोंगरी, गोंय हांणी छापला.

'ध वर्डस्' ह्या कविता संग्रहाक केंद्रिय साहित्य आकादेमीचो पुरस्कार मेळ्ळा म्हण निलबाचें अभिनंदन! साहित्य आकादेमीचो पुरस्कार मेळटगीर कोंकणी साहित्यीक, एक साहित्यीक म्हण सोंपता हो आयज मेरेनचो कोंकणी साहित्य मळार एक सर्वसादारण समज आसा आनी तो खुपशे प्रमाणांत खरोय आसा. निलबाच्या बाबतींत अशें घडचें न्हय म्हण मागतां आनी तांच्या हातांतल्यान कोंकणी मायेची अशीच चडांत चड सेवा घडची अशी आस्त बाळगितां.

'ध वर्डस्'

कवी निलबा अ. खांडेकार

सुरु प्रकाशन, मंडूर -दोंगरी, गोंय, पानां:१४४, मोलः २०० रुपया

सखाराम शेणवी बोरकार

संपर्कः ९९२३३०६७५१

(पान ९ वयल्यान)

६) शरीरश्रम - कुडीचे श्रम. मनशान दर दिसा, कांय तास तरी श्रम करपाकूच जाय अशें गांधीजी म्हणटाले. ना जाल्यार कूड आळशी जाता, क्षमताय कमी जाता, चंगळवाद वाडटा आनी सकारात्मकताय कमी जाता अशें गांधीजीचे मत आशिल्ले. आरोग्य बरे उरपा खातीर श्रम करप गरजेचे.

७) आस्वाद - आस्वाद म्हणल्यार खावपा-जेवपाचेर ताबो दवरप. गांधीजी फकत मोजकेच खाताले. मनीस जितलो कमी खाता तितली कुडीची आनी मानसीक भलायकी बरी उरता. मनशाची भलायकी ही ताच्या जेवणाचेर निंबून आसता. आयज तज्ञ लोकांक, कमी आनी शक्यतो ताजे खावपाचो सल्लो दितात.

८) सर्वत्र भंयवर्जन - सर्वत्र भंयवर्जन म्हणल्यार निर्भयता. मनांत कसलोच भंय दवरप ना. सामको मरणाचो लेगीत. भंय म्हणल्यार एक व्हडली आडखळ. भिवकुऱ्या मनशाक जिवीत सारके जगपाक मेळना. कारण ताच्या मनाचेर भंयाचो जो प्रभाव आसता जो ताका खूब गजाली करपापासून आडायता.

९) सर्व धर्म समंत्व - सगळ्या धर्मांक सारके लेखप. भेदभाव करप ना. हे व्रत जर संवसारांत दर एकल्यान आपणायलें जाल्यार ही धर्तरी स्वर्ग जातली हाचे विशीं दुबाव ना. दुसऱ्या खंयच्याच धर्माक उणाक लेखप ना.

१०) स्वदेशी - गांधीजीन 'स्वदेशी'चो आग्रो धरलो. ताच्या फाटल्यान एक व्हड विचार आशिल्लो. देशाक आर्थीक नदरेन भक्कम करपाचो. दर एकल्यान चडांत चड स्वदेशी वस्तू वापरपाक जाय. आयज आमी मल्टी नॅशनल कंपन्यांच्या जाळ्यांत पुरायपणान फसल्यात. आयज देशाची जी आर्थीक स्थिती आसा ते सुदारपाक गांधीजीचे हे व्रत भौव गरजेचे.

११) स्पर्शभावना - जातीभेद करप ना. जातीभेद करून एका विशिश्ट जातीच्या मनशाक हात लावप ना हे सामकें उणाक काम. जात खंयचीय आसूं, मनशाक हात लायतकच कोणूच भश्टना. दुसऱ्या जातींक उणाक लेखचें न्हय.

हीं अकरा व्रतां म्हणल्यार समाज सुधारपा खातीर एक तत्वगिन्यान. हांतलीं पांच व्रतां - अहिंसा, सत्य, अस्तेय, अपरिग्रह आनी ब्रह्मचार्य सामकीं सनातन. तीं कोणेय आपणाव येता. आयज समाजाची जी नैतीक, भलायकेची घडी फिस्कटल्या, ती जाग्यार बसपाक ही अकरां व्रतां जरी सौम्यपणान आपणायली तरी खूब बरो बदल घडून येतलो. गांधीजीक भगवद्गीता खूब प्रीय आशिल्ली. तांचेर गीतेचो खूब व्हड प्रभाव आशिल्लो. देखुनूच तांच्या ह्या अकरा व्रतां भितर गीतेंत दिल्ल्या सिद्ध पुरुशांच्या लक्षणांचो आसपाव आसा.

तत्वांच्या बाबतीत गांधीजी जरी कणखर आसले तरी तांच्या भितर मनीसपणाचो एक अखंड झरो व्हांवतालो. मनीस जातीचेर, देशाचेर, सैमाचेर तांचे आखांताचें प्रेम आशिल्लें. कळकळ आशिल्ली. मोवाळपणान कितलो कणखरपणा आसूं येता हें गांधीजीन दाखयले.

संपर्क: ९४२११५२२९७

ATTENTION PUBLISHERS....

JOIN THE CAMPAIGN OF PROMOTION OF GOAN BOOKS THROUGH INSTITUTIONS

www.granthabhiman.com

कविता

किंळाच

परेश नरेंद्र कामत

किंळांच फकत
मनशां आनी जनावरांच मारतात अशें न्हय
किडी-मुयो
जीव-जंतू, जिवाणीं,
झाडां, पानां, फुलांय मारतात किंळाच्यो
फकत
आमकां आयकूंक येना
तांच्या आवाजाची फ्रिक्वेंसी

हे विशाळ धर्तरे खातीर
आमी मनशांय म्हणल्यार किडी-मुयोच
आमी मारतात किंळांच्यो दीस-रात
बोंबलेच्या देंठांतल्यान
आतकड्यो पिळवटून
युगानयुगां
आमच्या अस्तित्वा खातीर
पूण
पावच नात आमच्यो किंळांच्यो
धर्तरेच्या काना मेरेन...

धर्तरीय मारता आसतली किंळाच
पोटांतल्यान कळवळून
सुर्या भोंवतणीं घुंवतना अंतराळांत
तिच्या काळजाच्या आवाजाची फ्रिक्वेंसी
फकत जाणवता
भुंवकांपांत
वादळांत
हुंवारांत
आनी
ज्वालामुखीच्या धगधगत्या उज्यांत...

संपर्क: ९४२२६४०२१०

तेंवूय एक चलीच!

मनोज नरेंद्र कामत

आपणाक मेळना
म्हूण एसीड मारिल्लें
तेंवूय एक चलीच आसलें
आवयचें तें सपन
बापावचें मोगा दालन आसलें

आयज ताचो चेहरो
वळखूंक कठीण जाल्लो
सौंदर्य लाशिल्लें
काळीज तळमळिल्लें
सोबीत मुखामळ जळिल्लो
अविचारीपणाक बळी पडून

आयज कोणाकूच तें नाका आसलें
पळयतल्याचे नदरेक चुकयतालें
नदरूय मुद्दाम चुकताली
अचळय चुकिल्लेवरी
तें फुडार शेणोवन बशिल्लें
आत्मविश्वासूय वगडावल्लो

कांय वर्सां
अशींच गेलीं शेणून
उजवाडान लेगीत
काळोख सोंसून
वात दिव्याची पेटलीच ना
सासाय उजवाड जालोच ना

आयज तांणे नवो माग काडिल्लो
चित्रां रंगोवंक तें शिकलें
दडिल्ल्यो भावना उकतावंक शिकलें
तें चित्रांचो मोग करतालें
आपलो मोग थंय सोदतालें

ताचो समाजा वयलो विश्वास उडिल्लो
समाजा खातीर खेळणें मानिल्लें तें
हळू हळू जियेवंक शिकलें
द्वेश धगधगिल्लो जिरोवंक शिकलें
देखणें, नदरेक शिरकावपी
समाजाक देख दिवंक शिकलें !

मरणांतल्यान भायर सरून
तें जगूक सोदतालें
समाजाची विचारसरणी
बदलूंक सोदतालें
विखार सौंदर्यांत नाशिल्लो
विखारी नदरेंत नराच्या
विखार मादी विशीं मातिल्लो
एक जीण सासणाची
विखारी करून
सौंदर्याची संकल्पना बदलून

तें लोकांक बदलूंक शकनासलें
तार्णे आपणाकूच
बदलपाचो यत्न केल्लो
देख दिवन हेरां खातीर
म्हजे, तुजे, सगळ्यां खातीर

ही मानसीक कीड
आतां तरीं सोंपूंक जाय
विकृतींतल्यान भायर सरून
अस्तुरेचें मन आनी इभ्रत
जपपाक दादल्यान शिकूंक जाय.

संपर्क:

उलो

आर. रामनाथ

पांखें नाशिल्ल्या वण्टीर
हांव अचळय
हुमकळटां...

दिश्ट नाशिल्ल्या दोळ्यांतल्यान
हांव बळयां
व्हांवतां...

कातळ काळजाक उलो मारून
हांव आर्गां
ओपतां...

निर्मनुश्य रस्त्यांतल्यान
हांव एकांता कडेन
वतां...

आत्मो नाशिल्ल्या कुडीक
हांव आत्मारामाकडें
व्हरतां...

संपर्क : ९८५०४५८७६३

कूड हाडली ही कोणाली

सु. म. तडकोड

कूड हाडली ही कोणाली
तगमग तगमग जीव तांबडो
दिपतेज ना दोळ्यांत मन्द्र
येतां गे माँ हांशीत नित्य
काळीज म्हजें गाय शोक-पद
सूर्यकान्त मण्या दळभद्र्या
कांत विदिर्ण अती मनोहर
उग्डास ताका स्फोटकांचोच
पावस शिरशीर मळब अनावर
न्हातालो तूं सद्दां वझ्यार
पयसच गेलो आयलो असो
देवा रे भिये नाका म्हाका
तुर्वेय दिल्यात कांय सोबीत
तुका केन्नाच कशी शापिना
भिजता दुकांत ताळोय गच्च,
दानवीं सूय तोंपली कच्च
शितळ वायू सासपी काय;
निखटी कूड पळय ही माय
आयकूं येवं ह्या संवसारा;
राष्ट्रा पासत विसल्लोच घरा?
लिपला भितर क्रूर यमदेव;
देशभक्ती खर शूर एकमेव
पूत पाशाणी भिजभीज भिजता;
लक्तुबायेन देखी आतां
असली कसली दिली पिडा;
करची बोटां ना कडाकडा
खीण विलक्षण निशब्द जगलें;
पुराय सपन विश्वच सजलें...

संपर्क: ०८३२-२४२३५७७

जोगूल

जयमाला ना. दणाईत

भरून आयिल्लें मळब
ओंतूक फकत एक
जोगूल चमकुची गरज
हांवें ल्हवूच म्हजो हात
दवरलो ताज्या खांद्यार
त्या स्पर्शांत खूब किर्ते
आसपाविल्लें.
मोग, माया, सहानुभूती
आपलेपण
स्पर्शांतल्यान त्या
जोगूल लिकलिकलें
आनी ताज्या मनाच्या दुःखाक
उतर फुटलें.
आतां ताचे ओंठ उलयताले
आनी दोळे दुकां गाळटाले
म्हजेय दोळे आयले भरून
हाताची पकड
नकळटां घट जाली
ताज्या उसकल्ल्या मनाक
दिवन आधार, दिवन विश्वास
पुसून ताजीं दुकां
आशेचें किन्न लिकलिकलें ताच्या
दोळ्यांत!

संपर्क : ९७५७११९३१७

तुज्या गोपांत

अशोक भोंसलो

तुज्या गोपांत कांट्याचे गादयेर
फुलां कुचुकुचू तोपलेली
तुज्या आडवतना फुलांचे गादयेर
कुचां कुचुकुचू तोपलेली.
उमाशेचे सावळेंत तुका माळचे खातीर
नखेत्रां टुपू टुपू गुंथलेली
काळशा कुपांतल्यान चंद्रीम उदेलो
पोडा वेलीं नखेत्रां गुळू गुळू शिंवरलेली.
तुकां चिप्प भिजोवपाक दोंगरा वेल्यान
न्हंयो-दर्या हुपून आचलेलो
अस्तमते वसल्यान वाऱ्यावावान तुका
सुर्के करून म्हाकाच बुडोवन गेलेलो.
कुडकुड्या शिंयांत काळजांतलो मोगादाग
जळचो म्हूण बिजुला धगटो केलेलो
तुज्या मोगाचे काळजा बिजूल सर्वांगार
गडगडलें सासणाचो हांवूच भूंयेंत मुगरलेलो.

संपर्क : ९९२३८०३१५८

The Stamp of Trust, Industry and Hope

SavoirFaire

The Dempo Group marches ahead with the lofty ideals that our founder Vasantrao Dempo bequeathed to us.
They buoy us up, as we straddle various business domains, and provide us the moral compass – to perform, grow and prosper.

DEMPO GROUP OF COMPANIES

Corporate Office: Dempo House, Campal, Panaji, Goa 403001
Tel.: 222 6281/86, 244 1300/457 • Fax: 222 5098 / 222 8588 • Email: mail@dempos.com

www.dempos.com

CALCINED PETROLEUM COKE | PIG IRON | REAL ESTATE | SHIPBUILDING | PUBLICATIONS & MEDIA | FOODS | AGRICULTURE | DAIRY FARMING | EDUCATION | TRAVEL | SPORTS | CHARITIES

Published & Printed by Dr. J. B. Sardesai, owner of JAAG Monthly, 201 B, Saldel Apts., Rua de Saudades, Pajifond, Margao, Goa, and Printed at Impressions - Belgaum. Editor : Asawari Nayak